

अखिल भारतीय कोंकणी परिशद

29वें अधिवेशन

अस्मिताय

आयोजक

कोंकणी साहित्य परिशद, बेळगांव

अखिल भारतीय कोंकणी परिशद
ALL INDIA KONKANI PARISHAD
29 वे अधिवेशन
29th Session
28 फेब्रुवारी ते 2 मार्च, 2014
28th February - 2nd March 2014
जे.बी. सिक्वेरा
प्रवेश दार
J. B. SEQUEIRA
PRAVESH DAAR
शंकर रामाणी
नगर
SHANKAR RAMANI
NAGAR

अखिल भारतीय कोंकणी परिशद

29वें अधिवेशन

ता. 28 फेब्रुवारी ते 2 मार्च 2014

शंकर रामाणी नगर

महात्मा गांधी भवन, लिंगराज कॉलेज रोड, बेळगांव

अस्मिताय

स्म र णि का

आयोजक

कोंकणी साहित्य परिशद, बेळगांव

- संपादक -

नित्यानंद नायक

- उजवाडावपी -

सौ. सुनिता गुरूदास काणेकार

सरकार्यदर्शी,

अखिल भारतीय कोंकणी परिशद

- छापणावळ -

प्रभू इमेज, फोंडें

टीप: हे स्मरणिकेंत उक्तायिल्लीं मतां त्या त्या संबंदीत लेखकांचीं आसात. अखिल भारतीय कोंकणी परिशद वा संपादक मंडळ तांचे कडेन सहमत आसतलेंच अशें ना.

आमचें तुमकां नमन

स. माधव मंजुनाथ शानभाग

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचे संस्थापक

(संस्थेची स्थापना - 8 जुलय 1939)

2012-14 कार्यकाळा खातीर

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेची

वावुरपी समिती

अध्यक्ष - श्री. अरविंद भाटीकार

उपाध्यक्ष - आर. एस. भास्कर

कार्याध्यक्ष - श्री. गोकुळदास प्रभू

उपकार्याध्यक्ष - डॉ. सी. एन. शणै, मुंबय
श्री. व्ही. व्ही. शणै, बेळगांव

सरकार्यदर्शी - सौ. सुनिता काणेकार

पालवी कार्यदर्शी- सौ. उषा राणे

भांडारी - श्री. ज्ञानेश्वर क. तारी

कार्यकारी मंडळाचे वांगडी -
श्री. पुंडलीक नायक, श्री. पॉल मॉरास, श्री. संदेश बांदेकार

खाशेले आमंत्रीत-
डॉ. तानाजी हळर्णकार, डॉ. एच. शांताराम
ॲड. उदय भेंब्रे, श्री. बस्ती वामन शणै
श्री. दामोदर मावजो, श्री. रमेश वेळुस्कार

Governor of Goa

सत्यमेव जयते

RAJ BHAVAN
GOA 403 004

संदेश



अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचें दोन वर्सुकी 29वें अधिवेशन, बेळगांवां 28 फेब्रुवारी ते 2 मार्च, 2014 मेरेन जाता हें आयकून म्हाका खोस जाली.

कोंकणी ही भारतांतली एक म्हत्वाची आनी गिरेस्त भास. कोंकणी ही गोंयची राजभास, गोंयकारांची वळख आनी गोंयचें सांस्कृतीक दायज सांबाळपा खातीर कोंकणी भाशेचें म्हत्वाचें योगदान आसा. देखून ही भास आनी हे भाशेंतल्या साहित्याक उर्बा दिवपाचें काम सगळ्यांनी करपाची गरज आसा. ह्या सत्कार्याक अखिल भारतीय कोंकणी परिशद जो वावर करता ताची हांव तोखणाय करतां. बेळगांवां जावपी 29व्या अधिवेशनाक म्हज्यो मना सावन शुभेत्सा.

बी. ए. वांचू
राज्यपाल, गोंय राज्य

राजेंद्र आर्लेकार
सभापती
गोवा विधानसभा,
गोवा विधानसभा सचिवालय,
पर्वरी-गोवा 403521
दुरध्वनी क्र. 2410915, 2411227, फॅक्स: 2411066

संदेश

अखिल भारतीय कोंकणी पिरशदेचें दोन वर्सुकी 29वें अधिवेशन, बेळगांवां 28 फेब्रुवारी ते 2 मार्च, 2014 मेरेन जाता ही खोशयेची गजाल.

कोंकणी भाशेची जपणूक आनी विकास असो हेतू घेवन अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेची स्थापणूक, 1939 च्या जुलय म्हयन्यांत जाली. ही संस्था, अंदूंच्या जुलय म्हयन्यांत 75 वर्सां पूर्ण करता, ही तर आनीकय खोशयेची गजाल. फाटलीं 75 वर्सा, परिशदेन आपलो हेतू साध्य करपा खातीर बरेच प्रयत्न केले आनी तातूंत तांणी येसूय जोडलें. तांच्या वांगड्यांक, फुडलें येस मेळोवपा खातीर बरेच कश्ट घेवचे पडटले. आनी हे कश्ट घेवपाची तांची तयारी आसा, हातूंत दुबाव ना.

गोंयांत कोंकणी खातीर, विविध स्तरांचेर प्रयत्न चल्ल्यात, तांकां बळ मेळपाची गरज आसा. फकत सरकाराचे प्रयत्न पुरो जावचे नात. ताचे खातीर, अशा संस्थांचें कार्य व्हडा मोलाचें आसा.

बेळगांवांत जावपी ही परिशद असोच विचार करतली, अशी आस्त बाळगितां. म्हज्यो ह्या अधिवेशनाक हार्दिक शुभेत्सा!

राजेंद्र आर्लेकार
सभापती, गोंय विधानसभा



शंकर रामाणी

(अधिवेशनाच्या थळाक नांव दिल्ल्या मानेस्ताची वळख)

जल्म: 26 जून 1923, वेरें बार्देस

एक कवी. तांचें मुळावें शिकप मराठींतल्यान पणजे जालें. उपरांत तांणी पुर्तुगेज शिक्षण घेतलें. लिसेंवाचें शिकप पुराय करून इंग्लीश शिक्षण वास्कोचे सेंट जोसेफ संस्थेंत घेवन 1945 वर्सा ते मॅट्रिक पास जाले.

गुढता हो तांचे कवितेचो स्थायीभाव आशिल्ल्यान तांणी कवितेक एक खाशेल्या आशयघनाचो साज आनी आकृतीबंद दिला. कोंकणी तशेंच मराठी काव्याक तांणी वेंचीक अशें योगदान दिलां.

1937 वर्सा शाळेंत शिकतना 'पाखरा येशील कधी परतुनी' हे विडंबनात्मक कवितेन तांणी काव्याक सुरवात केली.

जोगलांचें झाड, निळें निळें ब्रह्म आनी निरांजन हे तांचे तीन कोंकणी काव्यसंग्रह प्रकाशीत जाल्यात. तातूंतल्या निळें निळें ब्रह्म ह्या काव्यसंग्रहाक 1997 वर्सांचो साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फावो जाला.

ते भायर तांच्या कविता संग्रहांक गोवा कला अकादमीचो पुरस्कार फावो जाला.

'प्रकाश' सातोळ्यांत तांची पयली प्रकाशीत कविता 1939 वर्सा आयली. उपरांत नयन, झारापकार, किर्लोस्कार, स्वदेश, महाद्वार, दूदसागर ह्या मासिकांतल्यान तांणी कवितांचें लिखाण केलें. तांचो पयलो मराठी बालगितांचो संग्रह 'सुर्यफूल' ह्या नांवान 1950 वर्सा उजवाडा आयलो. उपरांत 'कातरवेळ' (1959), 'आभाळ वाटा' (1967) आनी 'पालाण' (1972) अशे काव्यसंग्रह प्रकाशीत जाले.

गोंय सरकाराच्या न्हंय येरादारी खात्यांत प्रशासन अधिकारी म्हूणन निवृत्त जावन तांचो बेळगांवां राबितो आशिल्लो. ते बेळगांवांच भायर पडले.

जे. बी. सिक्वेरा

(अधिवेशनाच्या दरवट्याक नांव दिल्ल्या मानेस्ताची वळख)

कोंकणींतलो नामनेचो कवी.

जॉन बाप्तिस्त सिक्वेरा जे. बी सिक्वेरा म्हणून फामाद.

तांचो जल्म मुंबय जालो. तांचें भुरगेंपण चडशें सांकेपूरा, पांगळा ह्या उडुपींतल्या गांवांत गेलें.

1956 वर्सा ते मुंबय गेले.

मुंबयच्या कोंकणी भाशा मंडळाचे ते उपाध्यक्ष आशिल्ले.

जे बी सिक्वेरा हांकां मेळिल्लीं इनामां आनी पुरस्कार:

- डॉ. टी. एम. पै फावंडेशन पुरस्कार (1989).
- साहित्य अकादेमी पुरस्कार (1998).
- संदेशा कोंकणी बॅस्ट लिटरेचर ॲवॉर्ड (2003).

कलासागर, मुंबय हांणी तांकां 'कवीराज' ही पदवी दिवन तांचो भोवमान केलो.

मुंबय आसतना तांचो जायते संस्थां कडेन लागींचो संबंद आशिल्लो.

'सोल्वोनींत जीख' ही तांची पयली कादंबरी 20व्या वर्सा तांणी बरयली.

तांणी हेर जायतीं पुस्तकां बरयलीं जातूंत 'दोत कितली' (1962), 'वावराड्यांचो ताळो' (1968), 'काळजाचे उमाळे' (1987), 'एक सपण अधुरें' (1989), 'अशीं आयलीं ल्हारां' (1992), 'सोतां खोतां' (1998), 'आंवाळे दुवाळे' (2001), 'मुखावळां/म्होवळां' भाग 1 (1995), भाग 2 (2002) आनी भाग 3 (2002), 'आमी कोंग्लिश उलयतां' भाग 1 (एप्रील 2004) हांचो आस्पाव आसा.

'मुखावळां/म्होवळां' हाचे तीन खंड कोंकणींत बरेच नामनेक पावल्यात.

2012 वर्सा ते ऑस्ट्रेलियेंत भायर पडले.

संत भद्रगिरी अच्यूत दास (1928-2013)

(माचवेक जांचें नांव दिलां, तांची वळख)

संत भद्रगिरी अच्यूत दास हे कर्नाटका हरीकथा हे कर्लेतले एक उस्ताद. अच्यूत दास हांचे बापूय व्यंकटरामाना हे यक्षगान हे लोककलेचे कलाकार आशिल्ले. बदागुथीतू ह्या कला विद्यालया कडेन ते संबंदीत आशिल्ले. तांची आवय रुक्मिणीदेवी ह्यो बऱ्यो गायिका आशिल्ल्यो. ल्हानपणांतल्यानच घरांत अच्यूत दास हांचेर ह्या गिरेस्त परंपरेचे संस्कार जाले. ल्हानपणांतच ते यक्षगान हे लोककले कडेन वळले. ल्हानपणांतच गांवगिऱ्या वाठारांतल्यान प्रेक्षकां मुखार यक्षगान ही कला तांणी सादर केली.

1951 वर्सा शिवरात्रेच्या दिसा अच्यूत दासजीन आपलो पयलो एकपात्री प्रयोग भद्रीगीरीच्या कामेश्वराच्या देवळा कडेन सादर केलो. ताचे उपरांत तांणी फाटीं वळून पळयलें ना. गिता दास साहित्य आनी भक्तीसंता विशीं तांचो अघात अभ्यास आशिल्लो. ते उत्कृश्ट गायक आशिल्लेच तशेच शास्त्रीय संगितांतय ते फिशाल आशिल्ले. कथा किर्तन हें तांणीच मुखार हाडलें. हातूंत कथा, किर्तन आनी संगीत हांचो मिलाफ पळोवंक मेळटा.

कोंकणी ही तांची आवयभास. ते भायर मराठी, कन्नड, तुळू आनी हिंदी ह्यो भासो तांकां बऱ्यो येताल्यो. ह्या भासांनीय तांणी आपली कला सादर केल्या. आपले विद्वत्तेच्या म्हालवजार आपल्या रसिकांक आनी आयकुप्यांक ते मंत्रमुग्ध करताले. अच्यूत दास हे बरे वाचपीय आशिल्ले. तांचे कडेन पुस्तकांचो एक खजिनोच आशिल्लो. जातूंत जायतीं दुर्मिळ पुस्तकां आशिल्लीं. ते सदांच बरोवपाक आनी शिकोवपांत व्यस्त आसताले. तांकां जेन्ना जेन्ना वेळ मेळटालो तेन्ना वेगवेगळ्या सुवातांनी तरणाटे आनी जाणट्यां खातीर ते कार्यशाळा घेताले.

विसां वयर पुस्तकां तांणी बरवल्यांत. हातूंत 'गितार्था चिंतना' हें पुस्तक भगवदगितेचो सार आनी संतांच्या जिविताचेर उजवाड घालता. तांणी 'मूळ नारायण' ह्या नांवार जायतीं किर्तनां रचलीं. तांचो गुरू सुधिंद्र तिर्था हांणी तांच्या योगदाना खातीर 'मूळ नारायण' हें नांव तांकां बहाल केल्लें.

अच्यूत दासजींक जायते पुरस्कार आनी सन्मान फावो जाल्यात. हातूंत कर्नाटक सरकाराचो 'कनका पुरंधरा पुरास्कार', हंपी कन्नडा विद्यापीठाचो 'नादोजा पुरस्कार' तशेंच राज्य आनी संगीत अकादमीन किर्तना ग्रेसारा, किर्तनाचार्य, हरिदासा कला भुषण पुरस्कार दिवन तांचो भोवमान केल्लो.

सं । पा । द । की । य

परिशदेच्या अमृत महोत्सवी वर्सा निमतान...

1939 वर्सा कारवारा माधव मंजुनाथ शानभाग आनी सांगात्यांनी कोंकणी परिशदेची स्थापणूक केली. हें वर्स परिशदेचें अमृत महोत्सवी वर्स. परिशदेक 75 वर्सां पुराय जातात. खंयचेय संस्थेन 50-75 वर्सां हुपप म्हणल्यार दिव्यच. संस्थे फाटल्यान जाय पडटा एक पकदस्त अशी कार्यकर्त्यांची फळी. संस्थेचीं उद्दिश्टां आनी ध्येयां यट आसूंक जाय. निसुवार्थपण आनी सत्कार्यी विचार, सगळ्यांक मुखार येवन वचपाची कृती, तेन्नाच हें सगळें साध्य जाता.

कोंकणी अस्मितायेचे चळवळीक परिशदेन सदांच पाठबळ दिलां. जायत्या चळवळींच्या सुरवात आनी रुजवण परिदशेच्या माटवांतल्यान जाल्या अशें म्हणल्यार अतिताय जावची ना. कोंकणी सरस्वतीचो आनी कोंकणी मनशाचो इतिहास काडून पळयल्यार तो सदांच संघर्शमय दिसता. पुर्तुगेज राजवट, ओपिनियन पोल चळवळ, कोंकणी मराठी वाद, राजभास चळवळ, घटक राज्य चळवळ आनी हेर कडेन कोंकणी मनशाक झुजचो पडला आनी झुजूनच कोंकणी मनशान हीं जैतां मेळवल्यांत. आमच्याच मनशां कडेन आमकां झुजचें पडलां आनी कितलोसोच वेळ आनी शक्त आमी वगडायल्या. परिणाम, आमचें साहित्य जितलें गिरेस्त जावंक जाय आशिल्लें तितलें जावंक पावलें ना. आमचे भितर वांटे जाले आनी दुस्वास वाडलो आनी आमची जितली उदरगत जावंक जाय आशिल्ली ती जाली ना हें सत आसा.

आयज जायत्या जाणांक दिसता की कोंकणीक सगळीं जैतां मेळ्ळीं. आतां ओग्गी बसपाचें. जें कितें आमकां मेळ्ळां तें पुरायपणान भोगपाचें. हें सारकें न्हय. कोंकणीच्या संघर्शाचो अजून काळ सोंपूंक ना. नवे नवे प्रस्न आमचे मुखार उबे रावत आसात. तांकां आमी फुडो करपाची गरज आसा. माध्यम प्रस्न धगधगत आसा. इंग्लीशीचें भूत आमचे मानगुटेर बसलां. आमी आमच्या सान भुरग्यां कडेन इंग्लिशींत उलोवंक लागल्यात. वेव्हारांतय सुमाराभायर तिचो वापर करूंक लागल्यात. आमच्या पाळीव जनावरां कडेनय आमी इंग्लिशींतल्यान संपर्क सादूंक लागल्यात. हें घातक हें आमी जाणून येवंक जाय. आमच्या संस्कृतायेकडल्यान आमी पयस वतात हें जाणून येवंक जाय. हें थांबूंक जाय.

लिपीच्यो वण्टी आमी मोडूंक जाय. एक भास, एक लिपी, एक साहित्य हें तत्व आमी आपणावंक जाय. आमचेच भाव आमचे पसून पयस गेल्यात तांकां लागीं हाडूंक जाय. जायत्या जाणांनी आपलेच भितर जायतीं जुंवीं निर्माण केल्यांत. हीं जुंवीं आमकां मोडूंक जाय.

राजभास कायदो पारीत करून कितलींशींच वर्सां जालीं. पूण जे तरेन वावर जावंक जाय आशिल्लो तो जावंक पावलो ना अशें खंतीन म्हणचें पडटा. आतां राजभास संचालनालय नव्या दमान वावराक लागलां. तांकां पाठबळ दिवंक जाय. आमी संख्यात्मक साहित्याक भर दिनासतना गुणात्मक साहित्य घडोवचें पडटलें. आमकां साहित्याचे, संस्कृतायेचे, भावपणाचे, आपलेपणाचे, निसुवार्थीपणाचे, एकचाराचे आनी मनीसपणाचे मळे फुलोवचे पडटले. ह्या वावराक आमी फुडो करुया. ह्या वावराक आमी पेंगट बांदुया आनी फुडल्या प्रवासाक लागुया.

- नित्यानंद बा. नायक

अखिल भारतीय कोंकणी परिशद

29वें अधिवेशन

ता. 28 फेब्रुवारी ते 2 मार्च 2014

शंकर रामाणी नगर

महात्मा गांधी भवन, लिंगराज कॉलेज रोड, बेळगांव

- आयोजक -

कोंकणी साहित्य परिशद, बेळगांव



मुखेल सोयरे

श्री. आर. व्ही. देशपांडे,

मानादीक मंत्री, कर्नाटक सरकार



मानाचे सोयरे

श्री. अवधूत तिंबलो,

अध्यक्ष, फोतेन्तो रिसोर्सिस ग्रूप, गोंय

अध्यक्ष

श्री. गोकुळदास प्रभू

येवकार समिती

श्री. बी. ए. कुतिन्हो - मानद अध्यक्ष

श्री. व्ही. व्ही. शणै - अध्यक्ष

श्री. मुकुंद कामत - सरकार्यदर्शी

येवकार कक्ष - इंदिरा एम कामथ, रक्षा आर पै, सुजाता बामणी, अरुणा शणै

राबितो - राममोहन के नायक, व्यंकटेश व्ही पै

सभाघर वेवस्था - बसवराज रोट्टी, संजय रायकर

माची सजावट - सीमा प्रभू, सौ. सराफ, संजय रायकर

प्रदर्शन/स्टॉल - पुजा गिरीश नायक, सुजाता बामणी

सांस्कृतीक कार्यक्रम - मुरलीधर प्रभू, संजय रायकर, सुजाता बामणी

येरादारी - विनायक कामथ

जेवण - मुकुंद कामथ, संजय रायकर, सुजाता बामणी

कार्यावळ

शुक्रार. 28 फेब्रुवारी 2014

दनपारां 2.00 वरांचेर: प्रतिनिधी नोंदणी

4.00 : च्या

5.00 : **उक्तावण सुवाळो**

येवकार गीत

येवकार अध्यक्षालें उलोवप- श्री. बी. ए. कुतिनो, आयएएस (निवृत्त)

मानद अध्यक्ष, येवकार समिती

उक्तावण - श्री. आर. व्ही. देशपांडे

मानादीक मंत्री, उच्च शिक्षण आनी पर्यटन, कर्नाटक सरकार

पुस्तक विमोचन सुवाळो

मानाच्या सोयऱ्यांचें उलोवप - श्री. अवधूत तिंबलो

अध्यक्ष, फोमेन्तो रिसोर्सिस ग्रूप, गोंय

पुरस्कार मेळिल्ल्या मानेस्तांचो भोवमान सुवाळो

आदल्या अध्यक्षालें उलोवप - श्री. अरविंद भाटीकार, आयएसएस (निवृत्त)

अध्यक्षालें उलोवप - श्री. गोकुळदास प्रभू

उपकार - सौ. सुनिता काणेकार

7.00 : सांस्कृतीक कार्यावळ

9.00 : जेवण

शेनवार, 1 मार्च 2014

सकाळीं 8.00 वरांचेर: च्या-नाश्तो

9.30 : **परिसंवाद**

विशय - कोंकणीक मेळिल्ले संविधानीक हक्क आनी तांचो वापर

अध्यक्ष- ॲड. अमृत कांसार

वांटेकार - ॲड. कृष्णकुमार, ॲड. उदय भेंब्रे, श्री. संदेश प्रभुदेसाय

10.30 : **भासाभास**

विशय - कोंकणी आनी समाजीक माध्यमां

अध्यक्ष - श्री. गुरूदत्त बंटवालकर

वांटेकार - श्री. चेतन आचार्य, श्री. सुरेल तिळवे, श्री. युगांक नायक आनी श्री. ऋषीकेश कदम.

12.00 : **भोवभाशीक गोश्टी**

अध्यक्ष - ॲड. बेनार्ड डिसोझा

वांटेकार - डॉ. बसवराज जगजंपी, प्रा. संध्या देशपांडे, श्री. फारूख हन्नन

1.00 : **जेवण**

2.30 : **कवी संमेलन - 1**

अध्यक्ष - सौ. चंद्रिका पाडगांवकार

वांटेकार - सौ. इंदू गेरसप्पे, सौ. विलमा बंटवाल, श्री. नागेश अणवेकर, श्री. चित्तरंजन नायक, श्री. ज्ञानेश्वर तारी, श्री. झिलू गांवकार, श्री. ॲन्थनी वाझ, श्री. विल्सन कटील, सौ. रेखा रामनाथ नायक, सौ. शोभा फुलकार, सौ. हर्षा शेटये, सौ. दीपा खोलकार, सौ. सरस्वती नायक, श्री. संदेश बांदेकार, डॉ. सविता भट, वसुधा प्रभू, श्री. कर्ण खांडेपारकार, श्री. बाळकृष्ण मल्ल्या.

3.30 : च्या

4.00 : **परिसंवाद**

विशय - कोंकणी शिक्षण: दिशा आनी दशा

अध्यक्ष - श्री. पांडुरंग नाडकर्णी

वांटेकार - डॉ. कस्तुरी मोहन पै, सौ. विनंती कांसार, श्री. पट्यङ्गूर रमेश पै, श्री. कमलाकर म्हाळशी

5.00 - **उक्ती माची**

अध्यक्ष - श्री. पुंडलीक नायक

6.00 - **सांस्कृतीक कार्यावळ**

8.00 - जेवण

आयतार, 2 मार्च 2014

सकाळीं 8.00 वरांचेर: च्या-नाश्तो

9.30 : **भासाभास**

विशय - कोंकणी आनी लागींच्यो भासो - संघर्श आनी समन्वय

अध्यक्ष - श्री. पॉल मोरास

वांटेकार - डॉ. सी.एन. शणै, श्री. आर. एस. भास्कर, डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार, सौ. उषा राणे

11.00 : **कवी संमेलन - 2**

अध्यक्ष - श्री. अरुण साखरदांडे

वांटेकार - श्री. रमेश वेळुस्कार, श्री. प्रकाश पाडगांवकार, श्री. माधव बोरकार, सौ. नूतन साखरदांडे, सौ. माया खरंगटे, श्री. जॅस फॅर्नांडीस, श्री. भरत नायक, सौ. नयना आडारकार, श्री. संजीव वेरेंकार, श्री. निलबा खांडेकार, श्री. सुनील पालकार, श्री. परेश कामत, श्री. प्रकाश नायक, श्री. राजय पवार, कु. फिलोमेना साँफ्रांसिस्को, श्री. उदयकांत अणवेकार, श्री. गौरीश वेर्णेकार

12.00 : **समारोप सुवाळो**

येवकार - श्री. व्ही. व्ही. शणै, अध्यक्ष- येवकार समिती

मुखेल सोयऱ्यांचें उलोवप - डॉ. प्रभाकर बी. कोरे, मानादीक खासदार (राज्यसभा) आनी कुलगुरू, के. एल.ई विद्यापीठ, बेळगांव

मानाच्या सोयऱ्यांचें उलोवप- डॉ. मीना राजीव चंदावारकार, उपकुलगुरू, कर्नाटक राज्य महिला विद्यापीठ, विजापूर

मानेस्तांचो भोवमान

अध्यक्षांचें उलोवप - श्री. गोकुळदास प्रभू

उपकार - श्री. मुकुंद कामत, कार्यदर्शी, येवकार समिती

1.00 : जेवण

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचीं

आतां मेरेनचीं अठ्ठावीस अधिवेशनां

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचीं
आतां मेरेनचीं अठ्ठावीस अधिवेशनां

स्थापना आनी पयलें अधिवेशन: कारवार 8-9 जुलय, 1939
संस्थापक येवकार अध्यक्ष: श्री. माधव मंजुनाथ शणै शानभाग
अध्यक्ष: श्री. विश्वनाथ पांडुरंग प्रभू

दुसरें अधिवेशन: उड्डपी 31 डिसेंबर, 1940
येवकार अध्यक्ष: डॉ. टी. एम. ए. पै
अध्यक्ष: श्री. जेरोम साल्ढाणा

तिसरें अधिवेशन: मुंबय, 4-5 एप्रील 1942
येवकार अध्यक्ष: श्री. वामन रघुनाथ वर्दे वालावलीकर ऊर्फ शणै गोंयबाब
अध्यक्ष: प्रो. आर्मांद मिनेझिस

चवथे अधिवेशन: मुंबय 1949
येवकार अध्यक्ष: रेव्हरंड डॉ. एच. ओ. मास्कारेन्हास
अध्यक्ष: डॉ. एम. यू. मास्कारेन्हास
उद्‌घाटक: स्वामी आनंदाश्रमजी (चित्रापूर मठाचे स्वामी)

पांचवें अधिवेशन: मुंबय 23-24 फेब्रवारी 1952
येवकार अध्यक्ष: बा. भ. बोरकार ऊर्फ बाकीबाब बोरकार
अध्यक्ष: डॉ. मारियान साल्ढाणा
उद्‌घाटक: व्हालेरियान कार्डिनल ग्रासियस (मुंबयचे आर्चबिशप)

सवें अधिवेशन: मुंबस 27-28 एप्रील 1957
येवकार अध्यक्ष: श्री. रामचंद्र नारायण नायक
अध्यक्ष: डॉ. सुमित्रा मंगेश कत्रे
उद्‌घाटक: आचार्य काकासायब कालेलकार

सातवें अधिवेशन: कारवान 16 मे 1960
येवकार अध्यक्ष: ॲड. पी. एस. कामत
अध्यक्ष: डॉ. बी. एम. सालेतोरे
उद्‌घाटक: श्री. द्वारकानाथतीर्थ (पर्तगाळ मठाचे स्वामी)

आठवें अधिवेशन: मडगांव 26-27 मे, 1962
(मुक्त गोंयांतलें पयलें अधिवेशन)
येवकार अध्यक्ष: श्री. रवीन्द्र केळेकार
अध्यक्ष: डॉ. मनोहरराय सरदेसाय
उद्‌घाटक: श्रीमती व्हायोलेट आल्वा (राज्यसभा उपाध्यक्ष)

णव्वें अधिवेशन: मुंबय 20-30 सप्टेंबर, 1967
येवकार अध्यक्ष: मॉसिन्योर आयरिश फर्नांदीश
अध्यक्ष: श्री. बा. भ. बोरकार ऊर्फ बाकीबाब बोरकार
उद्‌घाटक: श्री. वसंतराव नाईक (महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री)

धावें अधिवेशन: पणजी 9-10 फेब्रुवारी, 1974
येवकार अध्यक्ष: श्री. अनंत नरसिंह नायक (बाबू नायक)
अध्यक्ष: श्री. के. के पै
उद्‌घाटक: डॉ. सुनीतिकुमार चटर्जी (साहित्य अकादेमीचे अध्यक्ष)

इकरावें अधिवेशन: मंगळूर 21-22 फेब्रुवारी, 1976
येवकार अध्क्षक्ष: श्री. के. के. पै
अध्यक्ष: श्री.चंद्रकांत केणी
उद्‌घाटक: श्रीरामकृष्ण मिशन मंगळूरचे स्वामी

बारावें अधिवेशन: कोची 11-12 फेब्रुवारी, 1978
येवकार अध्यक्ष: डॉ. जे. ए. भट
अध्यक्ष: श्री. रवीन्द्र केळेकार
उद्‌घाटक: श्री. ए. के. एन्थनी (केरळचे मुख्यमंत्री)

तेरावें अधिवेशन: मुंबय 12-13 एप्रील, 1980
येवकार अध्यक्ष: श्री. ए. जे. मार्तिरीश
अध्यक्ष: श्री. एन. पुरुषोत्तम मल्ल्या
उद्‌घाटक: श्री. प्रतापसिंह राणे (गोंयचे मुख्यमंत्री)

चवदावें अधिवेशन: पणजी 27-28 फेब्रुवारी, 1982
येवकार अध्यक्ष: श्री. उदय भेंब्रे
अध्यक्ष: श्री.व्ही. रे. पी. साल्ढाणा
उद्‌घाटक: डॉ. उमाशंकर जोशी (साहित्य अकादेमीचे अध्यक्ष)

पंदरावें अधिवेशन: बेंगळूर 11-13 मे, 1984
येवकार अध्यक्ष: श्री.एम. यू. हट्टीकुडूर
अध्यक्ष: श्री. नागेश सोंदे
उद्‌घाटक: श्री. ए. एन. बानर्जी (कर्नाटकाचे राज्यपाल)

सोळावें अधिवेशन: कोची 24-25 मे, 1986
येवकार अध्यक्ष: श्री. एन. पुरुषोत्तम मल्ल्या
अध्यक्ष: श्री. उदय भेंब्रे
उद्‌घाटक: श्रीमती एम. कमलम (केरळच्यो सहकार मंत्री)

सतरावें अधिवेशन: मणिपाल 6-8 जानेवारी, 1989
येवकार अध्यक्ष श्री. टी. रमेश यू पै
अध्यक्ष: श्री. माधव विठ्ठल कामत
उद्‌घाटक: श्री.एदुआर्द फालेर (केंद्रीय अर्थ खात्याचे राज्यमंत्री)

अठरावें अधिवेशन: रामनाथी (गोंय) 14-16 डिसेंबर 1990
येवकार अध्यक्ष: श्री. माणिकराव गावणेकार
अध्यक्ष: प्रो. आर. के. राव
उद्‌घाटक: डॉ. जुझे पेरैर

एकोणिसावें अधिवेशन: मडगांव 16-17 जानेवारी, 1993
येवकार अध्यक्ष: श्री. दत्तराज साळगांवकार
अध्यक्ष: श्री. जे. बी. मोरायश
उद्‌घाटक: श्री. रवी नायक (गोंयचे मुख्यमंत्री)

विसावें अधिवेशन: शिरसी (कर्नाटक) 11-12 फेब्रुवारी, 1995
येवकार अध्यक्ष: श्री. व्ही. एस. सोंदे
अध्यक्ष: डॉ. काशिनाथ महाले
उद्‌घाटक: श्री. आर. व्ही. देशपांडे (कर्नाटकाचे मंत्री)

एकविसावें अधिवेशन: मुंबय 18-19 जानेवारी, 1997
येवकार अध्यक्ष: श्री.एस. एफ. एक्स. पेरेरा
अध्यक्ष: श्री. डॉ. विल्यम माडता

बावीसावें अधिवेशन: बेळगांव 15-17 जानेवारी, 1999
येवकार अध्यक्ष: श्री. हरिश्चंद्र ऊर्फ चंद्रा पै
अध्यक्ष: श्री. पुंडलीक नारायण नायक
उद्‌घाट: श्री. उमेश कत्ती (कर्नाटक राज्याचे सहकार मंत्री)

तेवीसावें अधिवेशन: मंगळूर 20-21 एप्रील, 2002
येवकार अध्यक्ष: मॉसिन्योर आलेक्झांडर एफ डिसोझा
अध्यक्ष: डॉ. तानाजी हळर्णकार
उद्‌घाट: श्री. रामनाथ राय (कर्नाटकाचे नुस्तेमारी मंत्री)

चोवीसावें अधिवेशन: कालिकत (केरळ) 13-15 फेब्रुवारी, 2004
येवकार अध्यक्ष: डॉ. बालगोपाल टी. एस. प्रभू
उद्‌घाटक: श्री. ओ. राजगोपाल (केंद्रीय संसदीय कार्यराज्यमंत्री)
अध्य: श्री.बस्ती वामन शणै

पंचवीसावें अधिवेशन: पणजी (गोंय) 10-12 फेब्रुवारी, 2006
येवकार अध्यक्ष: ॲड. शांताराम नायक
उद्‌घाटक: श्री.एस. सी. जमीर (गोंयचे राज्यपाल)
अध्यक्ष: श्री. पावलु मोरास

सव्वीसावें अधिवेशन: एर्नाकुलम (कोच्ची) 1-3 फेब्रुवारी 2006
येवकार अध्यक्ष: टी.एम. व्ही. शणै
उद्‌घाटक: श्री. के. के. पै
अध्यक्ष: श्री. शांताराम नायक

सत्तावीसावें अधिशेवन: सांखळी(गोंय) 5-6 फेब्रुवारी, 2010
येवकार अध्यक्ष: श्री. विश्वजीत राणे (भलायकी मंत्री, गोंय सरकार)
उद्‌घाटक: श्री. रवीन्द्र केळेकार
अध्यक्ष: डॉ. एच्. शांताराम

अठ्ठावीसावें अधिवेशन: शिवाजी पार्क, मुंबय 17-18 फेब्रुवारी, 2012
येवकार अध्यक्ष: डॉ. प्रेमानंद रामाणी
उद्‌घाटक: श्री. रामदास भटकळ
अध्यक्ष: अरविंद भाटीकर

श्री. वासुदेव वामन शणै

येवकार समिती अध्यक्ष

श्री. वासुदेव वामन शणै हांचो जल्म कर्नाटकांतल्या बोरकट्टे मियार गांवांत जालो. तांचें मुळावें शिकप सेंट थॉमस विद्यालय होन्नावर आनी जनता विद्यालय दांडेली हांगा जालें. जाल्यार पदवी मेरेनचें गवर्नमेंट एज्युकेशन कॉलेज, बेळगांव हांगां जालें.

उदयवाणी कन्नड दैनीक, मणिपाल, नवान्दु, विशाला कर्नाटका, गोमंतक टायम्स पणजी आनी ज्वालामुखी अशा नेमाळ्यांनी पत्रकार म्हूण काम केलां.

विद्यार्थी आनी बेकार तरणाट्यां खातीर 1968त तांणी 'स्टुडंट इन्फॉर्मेशन आनी गायडन्स ब्युरो, बेळगांव' स्थापन केलो. ताच्यो दोनू शाखांचो सादारण आठ लाख वांगड्यांक फायदो जाला.

1965त कारवार जाल्ल्या अखिल भारतीय कन्नड साहित्य संमेलनाचे ते सक्रीय वावुरपी आशिल्ले. कन्नड साहित्य परिशदेचें 1981-1985 मेरेन तांणी जनरल सेक्रेटरी म्हूण काम पळयलां.

अखिल भारतीय कोंकणी परिदशेच्या इतिहासांत पयलेच फावट 22 वी अ. भा. कों. परिशद वी. वी. शणै हांच्या मार्गदर्शना खाला बेळगांवां घडोवन हाडली.

बेळगांवां वेगवेगळ्या मळांचेर तांणी वावर केला आनी आयज मेरेन ते कार्यरत आसात.

उत्तर कर्नाटकांत कोंकणी भास आनी संस्कृतायेच्या विकासा खातीर तांचो वावर मोलादीक आसा. कर्नाटक सरकारान तांचो ह्या वावरा खातीर कोंकणी अकादेमी जीवन गौरव पुरस्कार 28मार्च 2010 ह्या वर्सा भोवमान केला. तशेंच पयलें विश्व सारस्वत संमेलना वेळार मंगळूर 1999 वर्सा तांचो भोवमान जाला.

बेवीस आग्नेलो कुतिन्हो

(आय.ए.एस. अधिकारी, निवृत्त)

मानद अध्यक्ष - येवकार समिती

जल्म 31 मे 1951 वर्सा गोंयांत जालो. इंग्लीश, हिंदी, मराठी, कोंकणी, कन्नड, फ्रँच, स्पॅनिश ह्यो भासो उलोवंक आनी बरोवंक येतात. सध्याक हिब्रू भास शिकतात.

मुंबय विद्यापीठांतल्यान तांणी विज्ञानांत पदवी येतले उपरांत इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ मॅनेजमेंट, कलकत्ता हांगासर एम.बी.ए.चें शिक्षण येतलें.

इन्स्टिट्यूट इंटरनॅशनल द - ॲडमिनिस्ट्रेशन पब्लिक, पेरीस हांगा सरल्यान एम.बी.ए.चें पदवीधर शिक्षण येतलें.

बंगलोर विद्यापीठांतल्यान कायद्याचें शिक्षण पुराय केलें.

कांय म्हत्वाच्या हुद्द्यांचेर काम केलां तें अशें:

- अतिरिक्त सचीव, जी.ओ.के.
- अतिरिक्त मुखेल सचीव, बंगळूर शार
- बंगळूर शार आनी महानगराचे आयुक्त
- जोड-सचीव, गृह खातें, भारत सरकार
- अध्यक्ष आनी वेवस्थापकी संचालक, म्हैसूर पेपर मील
- विभागी आयुक्त, बेळगांव विभाग
- सचीव, म्हायती खातें, पर्यटन खातें, युवा वेव्हार खातें, कर्नाटक सरकार
- वेवस्थापकी संचालक, कर्नाटक राज्य सहकार बँक
- खाजगी सचीव, अर्थमंत्री, भारत सरकार
- सचीव, राज्यपाल, कर्नाटक
- जोड-सचीव, मुख्यमंत्री, कर्नाटक
- जोड आयुक्त, बेळगांव जिल्लो
- जोडसचीव, अर्थ खातें, कर्नाटक



गोकुळदास प्रभू

जल्म: 28 डिसेंबर, 1954
जल्मगांव: कोच्ची, केरळ
शिक्षण: एम.ए. (इंग्लीश साहित्य)
कळिल्ल्यो भासो: कोंकणी, इंग्लीश, हिंदी, मल्ल्याळम

सांबाळिल्ले हुद्दे:
अध्यक्ष, 15वें अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलन, पर्वरी, गोंय (2001)
संपादक ऋतू द्विमासीक (2004-08)
अध्यक्ष, अखिल भारतीय कोंकणी परिशद (2014)
विश्वस्त, विश्व कोंकणी केंद्र, मंगळूर
साबार मंडळांचो वांगडी, साहित्य, अकादेमी, दिल्ली

साहित्यकृती:
पृथिवै नम: (नवलिका) 1986
अंतरआयामी (कथा संग्रह) 1991
चवकी (एम.टी. वासूदेवन नायर हांचे नालुकेट्टु कादंबरीचो अणकार) 1997
कोंकणी चळवळ आनी माधव मंजुनाथ शानभाग (संपादीत) 2005
सुफीन सांगिल्ली काणी (के. पी. रामनुण्णी हांचे कादंबरीचो अणकार) 2009
काळ (एम. टी. वासुदेवन नायर हांचे कालम कादंबरीचो अणकार) 2010

उजवाडावपाचे वाटेर
ऋतुसंक्रमण (कथा संग्रह)
केरळाच्यो कोंकणी कथा (संपादीत)

हेर योगदान
साहित्य अकादेमी, दिल्ली, केरळ साहित्य अकादेमी, अखिल भारतीय कोंकणी परिशद, गोंय विद्यापीठ ह्या संस्थांनी आयोजीत केल्ल्या परिसंवादांनी प्रबंध सादर केल्यात.

पुरस्कार
दो. टी. एम. ए. पै प्रतिश्ठान पुरस्कार - 1993
साहित्य अकादेमी पुरस्कर - 1994
साहित्य अकादेमीचो अणकार पुरस्कार - 2002
कुळागर पुरस्कार - 2005
कोंकणी कला साहित्य केंद्र, कुडचडें हांचो श्याम आर. एस. काकोडकार अणकार पुरस्कार - 2010

अध्यक्षीय उलोवप

गोकुळदास प्रभू



भोवमानेस्तांनो,

आमी कोंकणी उलोवपी इतिहासीक कारणांक लागून वेगवेगळ्या राज्यांनी शिंपडून गेल्यात. चार राज्याचे आमी कोंकणीच्या नांवान हांगा एकठांय आयल्यात. कोंकणीच्या नांवान लोकांक एकठांय हाडपाचो यत्न कोंकणी परिशदेन 1939 वर्सा सुरू केलो आनी तो वावर करीत, करीत परिशदेक 75 वर्सां पुराय जाल्यांत. आतां, परिशदेच्या अमृत महोत्सवी वर्सांत हें 29वें अधिवशेन जाता.

कोंकणीचे उदरगती खातीर भाशीक, साहित्यीक, शिक्षणीक आनी सांस्कृतीक मळार खूब म्हत्वाचें योगदान दिल्ले 28 विद्वान आनी फुडारी परिशदेचे अध्यक्ष जावन गेल्यात. तांकां सगळ्याक आनी खास करून हे परिशदेचें मुळावण घाल्ल्या स. माधव मंजुनाथ शानभाग हांकां म्हजें नमन.

परिशदेच्या अमृत महोत्सवी वर्सांत हे संस्थेचें अध्यक्षपण म्हजेर सोंपोवन परिशदेच्या साबार मंडळान म्हजो व्हडलो भोवमान केला, ते खातीर हांव सगळ्यांचो उपकारी आसां. म्हजे पवलीं जे अध्यक्ष जावन गेले, तांचे तुळेन हांव म्हाका एक ल्हान मनीस मानतां. पूण 1978 वर्सा हे परिशदेक लागून हांव एक पूर्ण कोंकणी मनीस जालों आनी मागीर कोंकणी साहित्य क्षेत्रांत पावलों. हे संस्थेचो म्हजें व्यक्तीमत्व घडोवपांत व्हडलो वांटो आसा. देखूनच ही संस्था फळादीक आनी सक्षम करपांत हांव फाटीं उरचों ना.

वेगवेगळ्या राज्यांतल्यान आयिल्ल्या प्रतिनिधीं कडेन उलोवपाक म्हाका ही संद मेळ्ळी म्हणून खूब खोशी जाता. कोंकणी भास, कोंकणी समाज आनी कोंकणी परिशद, हांचे विशीं उलोवपाक हाचे परस दुसरी बरी संद खंवची आसा?

कोंकणी समाज एक ल्हान समाज, पूण ताचो छाप जिणेच्या सगळ्या मळांचेर पडिल्लो आसा. इतिहासाच्या पानांचेर नदर घाली जाल्यार कोंकणी मनशांनी धर्म, राजकारण, शिक्षण, उद्देग, भास, साहित्य, संस्कृती, संगीत, कला आदी विशयांत आपलो विक्रम केल्लो दिश्टी

पडटा. पूण स्वभाशेचो आनी स्वताचे संस्कृतीचो मुद्दो येतना कोंकणी समाजाचो इतिहास आमकां समाधान दिना.

कोंकणी भाशेची उत्क्रांती जाली तेन्ना लोकांचे जिबे वयली भास भाशाशास्त्राच्या तत्वांक अणसरून नवें रूप येत आयली. हे प्रक्रियेक शेंकड्यांनी वर्सांचो काळ लागलो असो अदमास करूं येता. तेन्ना गोंयच्या प्रदेशाचेर राष्ट्रकूट, शिलाहार, कदंब, विजयनगर आनी आदिलशाय राजवटींची सत्ता चलताली आनी ते सत्तेची भासय परकी आशिल्ली. ते सत्तेंत कोंकणीक फावो तसो पालव मेळ्ळो ना. मागीर आविल्ले पुर्तुगेज सत्तेंत कोंकणीचें कितलें लुकसाण जालें हें तुमकां सांगपाची गरज ना.

ह्या इतिहासीक कारणांक लागून कोंकणीच्या वापरांत दोन तरेची मानसीकता निर्माण जाल्ली दिसता. सामान्य लोकांक आपली भावना आनी विचार प्रकट करपाक राजाश्रयाची गरज नासलीच. देखून लोकसंस्कृती कोंकणींत अभिव्यक्त जाली आनी ती तिगली. पूण कोंकणीच्या सर्वांगीण विकासाक राजाश्रय म्हत्वाचो आशिल्लो. तो केन्नाच मेळ्ळो ना. देखून कोंकणी समाजांतलो एक विभाग - शिकिल्लो, बुदवंत आनी बळिश्ट वर्ग - कोंकणीची उपेक्षा करून सत्तेचे भाशे लागीं गेलो. ल्हवू ल्हवू कोंकणी समाज आपली भाशीक अस्मिताय दामून दवरपाक लागलो, तार्णे दुसऱ्या भाशीक समाजाचे सावळेंत रावपाची प्रवृत्ती सुरू केली.

हे भाशीक-समाजीक प्रक्रियेचो आनीक एक आयाम आसा. 16व्या शेंकड्यांतले बाटाबाटीक आनी हेर कारणांक लागून जे कोंकणी मनीस गोंया भायर वेगवेळ्या प्रदेशांनी वचून राविल्ले तांचो आनी गोंयकारां मदलो भाशीक-संस्कृतीक संबंद तुटलो. गोंयच्या आनी गोंया भायल्या कोंकणी मनशांक पयसुल्ल्या आपल्या लोकां परस शेजारी भाशेचे लोक लागींचे दिसपाक लागले. ते थळावे भाशे लागीं गेले, थळावी संस्कृती कडेन वळ्ळे. कोंकणी समाज फुटलो आनी भाशेची दुर्दशा जाली. ही परिस्थिती 19व्या शेंकड्याचे निमाणे मेरेन आशिल्ली.

हे फाटभुंयेर कोंकणी परिशदेच्या इतिहासाचो नियाळ येवपाक जाय. 1939 वर्सा कारवारा आमच्या म्हालगड्यांनी कोंकणी परिशद निर्माण करून स्वभाशे विशीं जागृताय हाडपाची प्रेरणा दिली. वेगवेगळ्यो शैली लागीं हाडून कोंकणीचें प्रमाण रूप घडोवन हाडपा खातीर उलो मारलो. कोंकणी भास, साहित्य, संस्कृती हांचो विकास करपाची गरज दाखोवन दिली. आनी सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हणल्यार कोंकणी खातीर एक सामान्य लिपीचो - देवनागरीचो प्रसार जावचो आनी कोंकणी समाजाचो सांस्कृतीक एकचार घडोवचो हीं उद्दिश्टां आमचे मुखार दवरलीं.

परिशद जल्माक येवचे पयलीं शणै गोंयबाबान आमकां कोंकणी भास, साहित्य, संस्कृती आनी समाजा विशींचो स्फूर्तदायक विचार दिल्लो आनी त्या विचारान कोंकणी चळवळीचें मुळावण घाल्लें. कर्नाटक आनी केरळ राज्यांतल्या कांय लेखकांनीय कोंकणींत बरोवन समाजांत जागृताय हाडपाचो यत्न केलो. पूण हे सगळे यत्न एका प्रदेशांत वा कांय व्यक्तीं पुरते, मर्यादीत जावन उरले.

हाचे उरफाटें परिशदेन प्रायोगीक पांवड्यार वेगवेगळ्या प्रांतांच्या कोंकणी लोकांक एकठांय हाडलो. तीन धर्माचे, चार राज्यांचे, पांच लिपी वापरपी, अनेक शैलीन उलोवपी कोंकणी लोक हे परिशदेचे माचयेर आयले. परिशदेक आयिल्ल्या लोकांनी परिशदेचो वावर कसो आसचो आनी खंयचो आसचो हाचेर भासाभास करून थाराविल्लें. ह्या म्हालगड्यांनी कोंकणीचे उदरगती खातीर जायत्यो येवजण्यो मांडल्यो. तांणी परिशदेचे सत्रे खाला रावन संघटीत आनी सतत वावर केलो. ह्या यत्नांचो परिणाम म्हणून कोंकणी समाजांत अस्मिताय जागी जाली, भाशेचो अभिमान वाडून आयलो.

अभिमान, अस्मिताय आदीं उतरां अमूर्त कल्पनेचीं अशें कोण म्हणत. पूण ते कल्पनेक लागूनच परिशदेचे माचयेर कोंकणी खातीर येवजण्यो तयार जाल्यो. परिशदेच्या माटवांत येतिल्ल्या निर्णयांक अणसरून फुडली कारवाय बी जाली. ल्हवू ल्हवू हाचें फळ आमकां मेळपाक लागलें. वेगवेगळ्या प्रदेशांनी कोंकणी भाशा मंडळां सुरू जालीं. ग्रंथालयांत कोंकणी पुस्तकां वाचपाक मेळ्ळीं. आकाशवाणी/दूरदर्शना वयल्यान कोंकणी कार्यावळी प्रसारीत जाल्यो. कोंकणी शाळांनी आनी कॉलेजांनी पावली. तिका साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळ्ळी. कोंकणी समाजांत आयिल्ले अस्मितायेचे भावनेक लागून गोंय महाराष्ट्र राज्यांत विलीन

जायनासतना आयज एक घटक राज्य म्हणून वेगळें उरलें आनी आमची भास ह्या राज्याची राजभास जाली. आनी कोंकणीच्या जैताचो मुकूट म्हणून ती संविधानाचे आठवे वळेरेंत गेली.

विसाव्या शेंकड्याचे सुरवातेक कोंकणीची जी दुर्दशा आशिल्ली ती पयस जाल्ली. हें परिशदेन फाटल्या 75 वर्सांनी कोंकणी समाजांत घडोवन हाडिल्लें परिवर्तन. तें 'न भूतो न भविष्यति' तरेचें जावन आसा. परिशदेक कोंकणी समाजीक-संस्कृतीक परिवर्तनाचो अग्रदूत अशें मानूंक जाय.

परिशदेच्या वावराक लागून कोंकणी समाजांत परिणामकारी परिवर्तन जालें खरें, पूण 75 वर्सां आदींचीं तीं उद्दिश्टां पूर्णतावेन साध्य जालीं अशें सांगपाक जायना. कोंकणी मनीस आपले भाशे विशीं चड जागृत जाला तरीय तो अजून तामीळ वा मल्याळी मनशा भशेन आपूण कोंकणी म्हणून वळख करून दिना. तो जाती-धर्माच्या आनी प्रदेशाच्या नांवानच वळखून येता. कोंकणी समाजांत जल्मूनय कोंकणी उलोवंक येना अशे खूब लोक अजूनय आमकां मेळटात. कोंकणी संस्कृती म्हणल्यार किते अशें विचारपी मनीसय दिश्टी पडटात. कोंकणी अस्मितायेचो संदेश ह्या लोकां मेरेन पावंक ना म्हणपाचें स्पश्ट आसा.

कोंकणी नाटक, संगीत, नाच आनी कला ह्या सांस्कृतीक माध्यमांतल्यान वेगवेगळ्या प्रदेशांतल्या लोकां मदीं संस्कृतीक एकचार घडोवं येता. पूण जायत्या कारणांक लागून तशें घडलें ना. कोंकणी समाजाचो सांस्कृतीक एकचार अजून एक पयसुल्लें सपन जावन आसा. विसाव्या शेंकड्यांत कोंकणीच्यो वेगवेगळ्यो बोली उलोवपी लोकांचो एकामेकां कडेन संपर्क वाडलो. ह्या बोलीं विशीं लोकांक अदमास जाला. गोंयांत वेगवेगळ्यो बोली जिबेर आसतनाच बरोवपा खातीर एक प्रमाण रूप निर्माण जालां. हेर प्रदेशांतले कोंकणी जाणकारांकय प्रमाण कोंकणी आपणावपाची गरज भोगता. पूण सबंद कोंकणी समाजाक मान्य अशें प्रमाण रूप अजून निर्माण जावंक ना. तें प्रमाण रूप तयार जावपा खातीर आनीक खूब प्रयत्न करचे पडटले, जायत्या दशकांचो वेळ दिवचो पडटलो.

फाटल्या चार-पांच दसकांनी कोंकणी साहित्य विकासाचे वाटेर पावलां आनी साहित्याच्या वेगवेगळ्या विभागांचो विकास जायत आसा. ह्या संदर्भांत कोंकणी अकादेमींचो उल्लेख करूंक जाय. पयलीं गोंय सरकारान आनी मागीर कर्नाटक सरकारान कोंकणी अकादेमीची स्थापणूक केल्ली. हालीं केरळ राज्यांत सरकारान कोंकणी साहित्य अकादेमी निर्माण केल्या. हिंदी आनी उर्दू ह्या भाशां खातीर दोन-दोन, तीन-तीन राज्यांनी अकादेमी आसात. ह्या भाशां वरीच कोंकणीक तीन राज्य सरकारांचो पालव मेळटा, हो आमकां अभिमानाचो विशय.

ह्या संस्थां वरवीं कोंकणी साहित्याक मोटें फाटबळ मेळटा. आयज लेखकांचो तसोच प्रकाशकांचो आनी पुस्तकांचो आंकडो वाडला. साहित्य निर्मितीक नेट आवला. बरी गजाल. पूण साहित्याचो दर्जो आनीकय चडोवपाची गरज आसा. तशेंच साहित्याचो प्रसार, आस्वादन आनी अभ्यास फावो त्या मापान जावपाक जाय अशें म्हजें मत. कोंकणी पुस्तकां आनी नेमाळीं विकतीं घेवपाचे आनी वाचून तांचें आस्वादन घेवपाचे संस्कृतीन आमच्या समाजांत अजून मूळ धरूंक ना. लिपीभेदाची आनी बोलींची समस्या, शिक्षणांतल्यान वाचनाची जी संवय मेळटा, तिचो अभाव, पुस्तकां-नेमाळीं वितरण करपाचे वेवस्थेंतल्यो त्रुटी, आदीं खूब कारणां आसूं येतात. तीं कारणां सोदून काडून तांचेर योग्य उपाय करचो पडटलो.

कोंकणी समाजाची भाशीक समस्या भोव संकीर्ण सभावाची. पूण ती सोडोवपाची चावी शिक्षणांत आसा. शिक्षण वेवस्थेंतल्यान कोंकणी वाचपाची आनी बरोवपाची संवंय वाडोवं येता, इतलेंच न्हय, अस्मिताय, लिपीचो प्रस्न, भाशेचें प्रमाणरूप, साहित्याचें आस्वादन आदी मुद्दे हाताळपाक जाता. शिक्षणाक लागून गोंयांत कोंकणीची लक्षांत व्हरपा सारखी प्रगती जाली. ह्या अणभवाची देख घेवन गोंयांत तशेंच गोंयां भायर कोंकणी शिक्षणाचो विस्तार वाडोवं येता.

कोंकणी खातीर खंयचीय येवजण अंमलांत हाडटना आडखळी येतात तशी शिक्षणाच्या क्षेत्रांतय आयल्या. भुरग्यांक मुळावें शिक्षण आववभाशेंतल्यान दिवचें, हें तत्व संवसारांतल्या सगळ्या शिक्षणतज्ञांनी आनी बुदवंतांनी मानून घेतलां. पूण आमचो समाज तें मानून घेना. हें

तत्व गोंयांत चालीक लायिल्लें. पूण हेर भाशांचे तुळेन कोंकणी प्राथमीक शाळांचो आनी विद्यार्थ्यांचो आंकडो खूब मर्यादीत आशिल्लो. सध्याच्या गोंय सरकारान हालीं इंलीश माध्यमाच्या प्राथमीक शाळांक अनुदान दिवपाचें जें धोरण जाहीर केलां, तें कोंकणी शाळांक आनी विद्यार्थ्यांच्या भविश्याक खूब मारक थारतलें. ह्या धोरणाक लागून ज्या प्राथमीक शाळांनी कोंकणी माध्यम बंद करून इंग्लीश माध्यम आपणावपाचो निर्णय घेतिल्लो, तो कायमचो जातलो. उरिल्ल्यो कांय कोंकणी शाळाय बंद जावपाची शक्यताय आसा. ह्या धोरणा आड गोंयकार भावांनी उठून आपलो राग उक्तो केलो जाल्यार तें सभावीक आनी गरजेचें अशें हांव म्हणीन. राजभास कोंकणीच्या फुडाराक बादा हाडचें हें धोरण गोंय सरकारान रोखडेंच फाटीं घेवंक जाय.

केरळ राज्यांत कोंकणी शिक्षणाच्या मळार चाळीस वर्सां पयलीं सुरवात जाल्ली, पूण ही वेवस्था फकत दोन शाळांनी सिमीत जावन आशिल्ली. दोन वर्सां पयलीं पांचवे वत्ते पासून कोंकणी एक ऐच्छीक भास म्हणून शिकोवपाक सरकारान परवानगी दिल्ली आसा. हाचो फायदो घेवंक जाय. जंय कोंकणी लोक व्हडा संख्येन रावतात थंयच्या शाळांनी येता त्या शालेय वर्सा सावन कोंकणी शिकोवपाची तजवीज करून दिवंक जाय. तशेंच कर्नाटकांतल्या उत्तर कन्नड जिल्ल्यांत चड करून कारवार सुपा हल्यळ तालुक्यांनी कोंकणी भुरग्यांक मायभाशेंत शिकपाची वेवस्था करून दिवपाची गरज आसा.

कोंकणी शिकोवपाचे प्रक्रियेंत भुरग्यांच्या पलाकांचें म्हत्वाचें धोरण आसूंक जाय. मायभाशेंतल्यान भुरग्यांक प्राथमीक शिक्षण दिवपा विशीं जाणकारांचें जें मत आसा तें आमी समजून घेवया आनी भुरग्यांक प्राथमीक शाळेंत आमचे भाशेंत शिकपाक लावया. मागीर ते इंग्लीश धरून खंयच्योय भासो शिकून घेतले आनी संवसारांत खंयचेय कडेन वचून 'कम्पिटिशन फेस' करतले.

पयलींच सांगिल्ले भशेन फाटल्या 75 वर्सांच्या काळांत कोंकणी परिशदेन दोन तरांचीं कामां केल्यांत. एक, कोंकणीक स्वतंत्र भास म्हणून मान्यताय मेळपाक सरकारा कडेन आनी सरकारी आस्थापनां कडेन झूजप. ह्या झुजांत परिशदेचो वावर सफळ जालो. पूण गरज पडटा तेन्ना आनी गरज पडटा तसो परिशदेचो वावर फुडेंय जातलो.

परिशदेचें दुसरें काम म्हणल्यार कोंकणी समाजाक स्वताची भास आनी तिचें साहित्य, शिक्षण, संस्कृती, कला आदी विशयांत सुदारपाचें. हें खरें म्हणल्यार समाज परिवर्तनाचें काम. हें काम अजून सोंपूंक ना. तें चालूच उरतलें. कोंकणी समाजाचे कांय घटक परिशदे कडल्यान पयस आसात. तांकां परिशदे लागीं हाडूंक जाय. चारशीं वर्सांच्या अंतरान निर्माण जाल्ली सांस्कृतीक वेगळेचाराची भावना, लिपीभेद आनी ताका लागून जावपी वाद-विवाद, भाशेचें प्रमाणीकरण, भुरग्यांक कोंकणी शिकोवपाचे वेवस्थेंतल्यो आडखळी, पुस्तकां/नेमाळ्यांची विक्री, आदीं विशयांक उपाय करचो पडटा. हो यत्न चड लांब काळाचो आनी तो पूर्ण करूंक आनीकय कांय दसकांची गरज पडत. पूण समकालीन संवसारांतल्या तंत्रगिन्यानाच्या ओघान कोंकणी कुशीक पडची ना हाचीय खात्री घेवंक जाय. म्हणटना आमच्या मुखा वयलें आव्हान गंभीर आसा. परिशदेन ह्या फुडें दुप्पट काम करचें पडटलें, चड संघटीत आनी सक्षम रितीन वावर केलो जाल्यारूच ह्या आव्हानांक धैर्यान तोंड दिवप शक्य जातलें.

परिशदेन स्वता बळिश्ट जावंक जाय. खंयचेय संस्थेक आपलीं उद्दिश्टां साध्य करपाक मनीसबळाची आनी दुडवांची गरज आसा. परिशदेची परिस्थिती दुसरी ना. म्हजे ताकदे प्रमाण हांव परिशदे खातीर आनी परिशदेवतीन काम करतलों. पूण तुमचोय आदार जाय. तन-मन-धनाचो. कारण, ही परिशद जितली म्हजी, तितली तुमच्यांतल्या दर एकल्याचीय बी. आमकां सगळ्यांक तातूंत सुवात आसा. सगळ्यांनी मेळून परिशदेक बळिश्ट करुया, कोंकणी मुखा वयल्या आव्हानांक झेलुया.

❑❑❑

2012-14 वर्साच्यो परिशदेच्यो कार्यावळी

प्रा. सौ. सुनिता गुरूदास काणेकार (सरकार्यदर्शी)

श्री. अरविंद भाटीकार (आय.ए.एस.निवृत्त) हांचे अध्यक्षतायेखाला तर्शेच हया कालावधींत आशिल्ल्या वावुरपी समितीच्या वांगड्यांचे पालवान परिशदेन आपले तांकी प्रमाण उद्दिश्टां सफळ करपाचो येत्न केला. तर्शेच ह्या तिच्या येत्नांत तुमचो, सगल्या कोंकणी भाशीकांचो, वावुरप्यांचो, जावरातदारांचो आनी सरकारी पालव मेळ्ळा, हें कळोवपाक भोव खोशी भोगता.

2012-2014 वर्सा अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेन विंगड विंगड कार्यावळींचें आयोजन केलें आनी त्यो सकयल नमूद केल्ले प्रमाण आसात:

- **परिशदेचो 74 वो स्थापना दीस:**

आयतार 8 जुलय,2012 हया दिसा परिशदेचो 74 वो वर्धापन दीस बेळगांवचे खासदार श्री. सुरेश आंगडी, आनी परिशदेचे अध्यक्ष श्री. अरविंद भाटीकार हांचे उपस्थितींत कन्नड साहित्य भवन,बेळगांव, कर्नाटक हांगा दबाज्यान मनयलो. ह्या सुवाळ्यात श्री. शा. मं. कृष्णराव हे लेखक, कु. प्रियांका मेरी फ्रांसिस, कमिशनर, बेळगांव महानगरपालिका, श्री. एम. बी. देसाय, पत्रकार आनी श्री. मुरलीधर अनंत प्रभु हांचो सन्मान केलो.

उपरांत श्री. पुंडलीक नायक, अध्यक्ष, गोवा कोंकणी अकादेमी हांचे अध्यक्षतायेखाला भाशा संबंद ह्या विशयाचेर परिसंवाद जालो. ह्या परिसंवादाक प्रोफ. बसवराज जगजंपी (कन्नड) दो. विनोद गायकवाड (मराठी), प्रोफ. राजेंद्र पवार (हिन्दी), श्री. फरुक हन्नन (उर्दू) हाणीं वांटो घेतलो.

परिशदेच्या 74व्या स्थापना दिसाची दिवली पेटोवन उक्तावण करतना खासदार श्री. सुरेश अंगडी. (दाव्यान) डॉ. तानाजी हळर्णकार, प्रियांका मॅरी फ्रांसिस, श्री. अरविंद भाटीकार, श्री. गोकुळदास प्रभू, श्री. व्ही. व्ही शणै आनी श्रीमती सुनीता काणेकार.

सांजवेळा भौभाशीक कवी-संमेलनांचे श्री. रमेश वेळुस्कार (गोंय) हे अध्यक्ष आशिल्ले. श्री. रवी कोट्टारगस्ती (कन्नड), श्रीमती सुषमा जगजंपी (हिंदी), श्री. एल. एस. शास्त्री (कन्नड), श्री. समद खानापुरी (उर्दू), श्रीमती अरूणा नायक (मराठी), दो. गुरूदेवि हुलपानवरमठे (कन्नड), आनी श्री प्रकाश पाडगांवकार (कोंकणी) हाणीं कविता सादर केल्यो.

समारोप सुवाळ्या उपरांत सांस्कृतीक कार्यावळीचें आयोजन केल्लें. सुमार 150 जाणांनी ह्या कार्यावळीचो आस्वाद घेतलो.

2. अखिल भारतीय नागरी लिपी संमेलन, 19 आनी 20 जानेवारी 2013 :

अखिल भारतीय कोंकणी परीशदेवतीन ता. 19 आनी 20 जानेवारी 2013 दिसा, नागरी लिपी परिशद गोंय विद्यापीठाच्या कोंकणी विभागाच्या जोडपालवान अखिल भारतीय नागरी लिपी संमेलन आयोजीत केलें. हें संमेलन गोंय राज्याचे मुखेलमंत्री भौ. मनोहर पर्रीकर, न्यायमुर्ती रामा जोयस, आदले मुख्य न्यायाधीश, उच्च न्यायालय पंजाब आनी हरियाणा तशेंच सुवाळ्याचे अध्यक्ष डॉ. सतीश शेट्ये, गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरु हांच्या उपस्थितींत दबाज्यान मनयलें.

ह्या सुवाळ्याक डॉ. परमानंद पांचाल, महामंत्री, नागरी लिपी परिशद, दिल्ली हांचे विचार आयकुपाक मेळळे. उक्तावण सुवाळ्यांत फादर मोवजिञु आताईद हांका विनोबा पुरस्कार भेटवलो.

ह्या संमेलनांत लिपी रहित बोलियों के लिए नागरी लिपी का उपयोग कोंकणी भाशा और देवनागरी लिपी, सूचना प्रौद्योगिकी और देवनागरी लिपी, 'कोंकण व्हर्टर' एक लिपी से दुसरी लिपी में अपने आप बदल करने के लिए, सॉफ्टवेअर, कोंकणी भाशा लेखन में आनेवाले सामान्य समस्याओं का निराकारण : गोवा, कर्नाटक, केरल- अशा विशयांचेर परिसंवाद आयोजीत केल्ले. तशेंच कविसंमेलनाचें आयोजन जाल्लें.

समारोप सुवाळ्याक डॉ. रविन्द्रनाथ मिश्र, अधिष्ठाता, कला आनी साहित्य शाखा, गोंय विद्यापीठ हे मुखेल सोयरे आनी श्री. बस्ती वामन शणै, अध्यक्ष, कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिश्ठान, मंगळूरू हे मानाचे सोयरे म्हूण लाबले.

ह्या दोन दिसांच्या कार्यावळीक सुमार 150 प्रतिनिधींनी सहभाग घेतिल्लो.

3. 21 वें अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलन - 15, 16 आनी 17 फेब्रुवारी 2013 :

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचें 21 वें अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलन रविन्द्र भवन, मडगांव हांगा कोंकणी भाशा मंडळाच्या जोडपालवान आयोजीत केल्लें.

ह्या संमेलनांत श्री. गिरीश कार्नाड, नामनेचे साहित्यीक आनी सिने कलाकार तशेच ज्ञानपीठ विजेते हे आमकां उद्घाटक म्हूण लाबले. तशेंच गोंय राज्याचे मुखेलमंत्री भौ. मनोहर पर्रीकर मुखेल सोयरे म्हूण उपस्थित आसले, जाल्यार संमेलनाध्यक्ष श्री. आर. एस. भास्कर आनी मानाचे सोयरे श्री. पुंडलीक नायक, अध्यक्ष, गोवा कोंकणी अकादेमी हांणी माची सोबयली.



अखिल भारतीय नागरी लिपी संमेलनाचें दिवपी पेटोवन उक्तावण करतना न्यायमुर्ती रामा जोयस. कुशीक मुखेलमंत्री मनोहर पर्रीकार आनी हेर मानेस्त.

ह्या संमेलनांत कोंकणी

नाटक खंयचे दिकेन, कोंकणी साहित्यांतल्या समाजीक बदलाचें पडबिंब, लेखना फाटली सृजन प्रक्रिया अशा विशयांचेर भासाभास तशेंच लेखकाची अभिव्यक्ति : स्वातंत्र्य आनी मर्यादा आनी कोंकणी साहित्याचो अणकार ह्या विशयांचेर परिसंवाद आयोजीत केल्ले. ह्या सत्रांनी केरळ, मंगळूरु, कारवार, मुंबय आनी गोंय अश्या वाठारांतल्या मानेस्तांनी पेपर सादर केले तशीच भासाभास केली.

ह्या संमेलनांत कवी-संमेलनांचीं दोन सत्रां जालीं. तातूंत केरळ, महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी गोंय राज्यांतले कवी सहभागी जाल्ले.

संमेलनांत 15 आनी 16 फेब्रुवारी अशा दोनूय दिसांनी सांजेच्या 7.00 ते 9.00 वरां मजगती सांस्कृतीक कार्यावळींचें आयोजन केल्लें. गोंय राज्यांतल्या काणकोण, साश्ट, तालीगांव, फोंडे, म्हापशें, सावडें वाठारांतल्या आनी केरळ राज्यांतल्या कलाकारांनी आपल्या कलेचें प्रदर्शन केलें. लोकनाच, पारंपारीक नाच, लोकसंस्कृताय आनी संगिताचो साज येवन कार्यावळींचें आयोजन सुसुत्रबद्द रीतीन जालें. ह्या सांस्कृतीक कार्यावळींक सुमार 60-65 कलाकारांनी विविध कला सादर केल्यो.

समारोप सुवाळ्याक नामनेचे साहित्यीक श्री. व्हिक्टर रांजेल मुखेल सोयरे म्हूण लाबले.

ह्या संमेलनाक परिशदेक उपाट प्रतिसाद लाबलो. तशेंच चर्चासंत्रां, परिसंवाद, कवी संमेलन आनी सांस्कृतीक कार्यावळी दर्जेदार आशिल्ल्यान संमेलन जैतीवंत जालें अशी प्रतिक्रिया उपस्थितांनी कळयली. ह्या संमेलनांक तिनूय दीस मेळून 1200 लोकांनी, लेखकांनी, शिक्षक, विद्यार्थी, कलाकार, पत्रकार आनी कोंकणी मोगींनी सहभाग येतलो.

4. कोंकणी वावुरप्यां खातीर विचार-विमर्श शिबीर: ता. 18 मे 2013

कोंकणी भास, साहित्य, शिक्षण, संस्कृताय आनी भौस हांचे उदरगती खातीर कोंकणी व्यक्ती, लोक आनी संस्था हांचो वांटो कितलो आनी ते नदरेन फुडली दिका आंखचे खातीर; विंगड विंगड तासांचेर विचार विमर्श करचे पासत परिशदेन कोंकणी वावुरप्यां खातीर विचार-विमर्श शिबीर ता. 18 मे 2013 (आयतार) ह्या दिसा सकाळीं 10.30 ते सांजे. 5.00 मेरेन काजा, शिरदोण, तिसवाडी, पणजी हांगा आयोजीत केलें. शिक्षणाचें माध्यम, कोंकणीची उदरगत, कोंकणी संस्थांचें कार्य, राजभाशेच्या संदर्भांत कोंकणीचो भौशीक, सांस्कृतीक, शिक्षणीक आनी प्रशासकी मळाचेर वापर बरे रितीन जावचे पासत कोंकणी लेखक, शिक्षक, संस्थांचे प्रतिनिधी, पत्रकार आनी कोंकणी वावुरप्यांनी आपले विचार उक्तायले. ह्या शिबिराक मानेस्त उलोवप्यां सयत सुमार 50 वावुरप्यांनी उर्बेभरीत वांटो येतिल्लो.

5. परिशदेच्या अमृत महोत्सवी वर्साचो शुभारंभ दबाजो - 7 जुलय 2013.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचो अमृत महोत्सवी शुभारंभ दबाजो जिला रंग मंदीर, कारवार हांगा 7 जुलय 2013 दिसा आयोजीत केलो. कर्नाटक विधानसभेचे, कारवार मतदारसंघाचे आमदार श्री. सतीश सैल मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले.

ह्या निमतान परिशेदन 'परिशदेचीं उद्दिश्टां कितलीं सफळ जाल्यांत' आनी 'कोंकणी चळवळ-आव्हानां आनी फुडारा खातीर तयारी' अशा विशयांचेर परिसंवाद आयोजीत केल्ले. समारोप सुवाळ्याक केरळ, कोंकणी साहित्य अकादेमीचे अध्यक्ष. श्री. पयन्नुर रमेश पै अध्यक्ष म्हूण लाबले. हे कार्यावळीक चारूय राज्यांतले प्रतिनिधी मोटे संख्येन हाजीर आशिल्ले.

6. कोंकणीचो राष्ट्रमान्यताय दीस - 20 ऑगस्ट 2013

ह्या दिसा परिशदेन संकेतथळाचें प्रसारणाचो शुभारंभ केलो. ह्या सुवाळ्याक कोंकणीचे ज्येश्ठ कवी आनी परिशदेचे आदले संमेलनाध्यक्ष अध्यक्ष श्री. नागेश करमली हे अध्यक्ष म्हूण लाबले. तांचे हस्तुकी परिशदेच्या संकेत थळाचें प्रसारण जालें. श्री. गोकुळदास प्रभू, कार्याध्यक्ष हांणी ह्या संकेतथळाचेर उपलब्ध आशिल्ली म्हायती आनी उपरांत अदीक येवपा विशींच्या म्हायतीच्या तासांचेर आनी वापरा विशीं उजवाड घालो. हे कार्यावळीक कोंकणी साहित्यीक, शिक्षक, विद्यार्थी आनी पत्रकार हांणी हाजीर रावन सोबा हाडली. चर्चासत्रांत प्रस्न विचारून म्हायती करून येतली आनी समेस्तांनी खोस परगटायली.

7. कोंकणी वावुरप्यांचें शिबीर - 6 ऑक्टोबर 2013





कोंकणी लेखक आनी संस्था प्रतिनिधींनी ह्या शिबिरांत वांटो येवन कोंकणी भास, शिक्षण, संस्थांचें कार्य आनी राजभास संबंदांतले वेव्हार हे विशीं मत प्रकट करून वेगवेगळ्या मळांचेर कार्याक गती दिवचे पासत एक समिती वेंचली आनी फुडली पावलां उखलचीं हे संबंदान विचार विमर्श केलो. हें शिबीर टी.बी. कुन्य सभायर, पणजी हांगा घडोवन हाडलें. ह्या शिबिराक सुमार 30-35 वावुरप्यांनी वांटो घेतिल्लो.

8. कलाकारांचो मेळावो - 19 ऑक्टोबर 2013

कोंकणी कलाकारांचो मेळावो फोंडें, आल्मेदा हायस्कूलाच्या लागीं आयोजीत केल्लो. कलाकार, गायक, नाट्य, वादक, संगीत, सिनेमा, भजन सांस्कृतीक पंगड आनी संस्थांच्या वांगड्यांनी कोंकणी कलेच्या मळार उप्राशिल्ल्या साबार प्रस्नांचेर आनी अडचणींचेर आपली प्रभावी मतां मांडली. सरकारी कार्यावळी, रेडियो, दूरदर्शन, कला अकादेमी आनी हेर संस्थांच्या कार्यावळींनी आनी सर्तींनी येतल्या अणभवांचेर उजवाड घालो. कलाकारांनी आपली कला सादर करतना ह्या अडचणींचेर कशी मात दिवन फुडें सरप; ते विशीं एकठांय जावन संघटनात्मक वावर चलोवचो असो सूर मेळाव्याक लाबलो. त्या संबंदान एक समिती घडोवपाक आयली. ह्या मेळव्याक 100 ते 125 कलाकारांनी वांटो घेतलो.

❑❑❑

अधिकार मेळ्ळ्यात पूण लाब घेवपाक आमी मंद

उदय भेंब्रे



गोंय सोडून देशाच्या हेर वाठारांनी रावपी कोंकणीभाशी लोकांक भारतीय संविधान 26 जानेवारी 1950 ह्या दिसा लागू जालें आनी भाशेच्या संबंदान जे हक्क संविधान दिता ते तांकां मेळ्ळे. भाशीक अल्पसंख्यांक म्हूण मान्यताय मेळोवन ते वरवीं राखण आनी लाब मेळोवप; तशेंच मुळावें शिक्षण मायभाशेंतल्यान घेवपाची सुविधा मेळोवप ह्या हक्कांचो आस्पाव तातूंत आशिल्लो.

मुक्ती उपरांत गोंय राजकी नदरेन आनी कायद्यान भारतांत विलीन जालें तेन्ना संविधान गोवाक लागू जालें. पूण गोंयांत कोंकणीभाशी लोक हे भोवसंख्यांक आशिल्ल्यान वयर सांगिल्ले हक्क मेळ्ळे तरी तांचे वरवीं कसलोच लाव मेळपा सारको नासलो.

अल्पसंख्यांक म्हूण मान्यताय आनी त्या संबंदान लाब मेळोवपाचो वावर कर्नाटकांतल्या आनी केरळांतल्या कोंकणीभाशी समाजान घेतला. मुळाव्या शिक्षणाच्या मळार थोडोभोव लाब केरळ राज्यांतल्या कोंकणीभाशी लोकांनी घेतला.

मात संविधानाचे आठवे अनुसुचींत कोंकणीचो आस्पाव जालो ना ते मेरेन कोंकणी भाशेक संविधानांतले हक्क खरेपणान मेळूंक पावले नात. सरकारी पांवड्यार कोंकणीक लागीं लागीं सगळींच दारां बंद उरलीं आनी कोंकणीचें लुकसाण जावत रावलें. ही स्थिती बदल्ली ती 1992 वर्सा. संविधान देशांत लागू जातकच सुमार 42 वर्सांनी। गोंय मुक्त जातकूच सुमार 30 वर्सांनी!!

संविधानीक हक्का संबंदान कोंकणीक सगळीं दारां उगडलीं तीं आठवे अनुसुचींत कोंकणीचो आस्पाव जातकूच. तें पडूंक पावलें ताचोय एक खेरीत इतिहास आसा. 1985 वर्सा गोंयांत 'कोंकणी प्रजेचो आवाज' हे संघटनेच्या बावट्याखाला खर आंदोलन सुरू जालें आनी तें सुमार वर्सभर चल्लें. त्या आंदोलनाचीं 3 उद्दिश्टां आशिल्लीं :

(1) कोंकणीक राजभास करपी कायदो गोंय-दमण-दीव संघप्रदेशाचे विधानसभेन करचो;

(2) गोंय प्रदेशाक घटकराज्याचो दर्जो दिवचो; आनी

(3) संविधानाचे आठवे अनुसुचींत कोंकणीचो आस्पाव करचो.

हातूंतली पयली मागणी गोंयांतल्या सरकारा कडेन आशिल्ली; तर हेर दोनूय मागण्यो केंद्र सरकारा कडेन आशिल्ल्यो. आंदोलन प्रभावी थारून कोंकणीक राजभास करपी कायदो गोंयांतले विधानसभेन 4 फेब्रुवारी 1987 दिसा पास केलो. रोखडेंच 30 मे 1987 दिसा घटक राज्याचें उद्घाटन जालें. आनी गोंय हें देशांतलें एकमेव कोंकणी राज्य जालें. तिसरी मागणी पूर्ण जावपाक मात थोडो कळाव लागलो. कोंकणी प्रजेचो आवाज हे संघटनेन सुरू केल्लो तो वावर मागीर गोवा कोंकणी अकादेमीन फुडें व्हेलो. 8 भाशांची तीच मागणी आशिल्ली. केंद्रांतले घरमंत्री स. शंकरराव चव्हाण हांणी सगळ्या पक्षांची बसका आपोवन तो प्रस्न मांडलो. चर्चे उपरांत थारलें की जे भाशेक साहित्य अकादेमीची मान्यताय आसा आनी जी खंयच्याय राज्याची राजभास आसा ते भाशेचो आठवे अनुसुचींत आस्पाव

करचो. त्या कसाक फकत तीन भासो लागल्यो: कोंकणी, नेपाळी आनी मणिपुरी.

ह्या भाशांच्या आस्पावा खातीर संविधानांत बदल करूंक जाय आसलो. ते विशींचें विधेयक 20 ऑगस्ट 1992 दिसा संसदेच्या दोनूय घरांनी पास केलें आनी तो बदल लागू जातकूच कोंकणीक बंद आशिल्लीं सगळीं दारां उक्तीं जालीं.

हेरशीं, संविधानांत आठवे अनुसुचीचो उल्लेख येता तो हिंदीच्या संबंदान. हिंदी ही भारतीय संघ राज्याची राजभास. ती सगळ्यांक आपलीशी दिसची असो यत्न केल्लो आसा. दोन अनुच्छेदांनी (आर्टिकल्स) हो उल्लेख येता. 344 (1) ह्या अनुच्छेदांत तजवीज आसा की हिंदीचे उदरगती पासत एक आयोग नेमतले आनी त्या आयोगाचेर आठवे अनुसुचींतले दर एके भाशेचो प्रतिनिधी आसतलो. दुसरो अनुच्छेद 351 रो. तातूंतले तजविजे प्रमाण आठवे अनुसुचींत आशिल्ल्या भाशांतलीं उतरां येवन हिंदी समृध्द करतले. हें मतींत येतकच आठवे अनुसुचीचो कोंकणीक कसो लाब जावं येता असो प्रस्न पडूं येता. ताची जाप मेळटा भारत सरकाराच्या धोरणांत. त्या धोरणा प्रमाण, ज्या ज्या सरकारी संस्थांचो वा खात्यांचो संबंद देशी भाशां कडेन येता त्या संस्थांक आनी खात्यांक, तशेंच त्या खात्यांच्या येवजण्यांक आठवी अनुसुची लागू केल्या. नॅशनल बूक ट्रस्ट ही सरकारी संस्था; तिर्णे 1992 मेरेन कोंकणीक हात लायलो ना; कोंकणी आठवे अनुसुचींत वतकच कोंकणींत पुस्तकां उजवाडावपाचो वावर सुरू जालो. (साहित्य अकादेमी वेगळ्या पांवड्यार उरता; तिका आठवे अनुसुचीचो निर्बंध लागू जायना.)

आठवे अनुसुचींत कोंकणीचो आस्पाव जायत पसून कोंकणीक कांय लाब मेळ्ळ्यात आनी मेळटात. देखीक, केंद्र सरकाराच्या घर खात्यान संविधानाचो कोंकणींत अणकार करून येतला आनी तो उजवाडा हाडला. चलनी नोटींचेर 'पांच रुपया', 'धा रुपया', 'शंबर रुपया' अशें हेर भाशां वांगडाच कोंकणींत छापून येता. मानव संसाधन खात्याच्यो येवजण्यो कोंकणी खातीर उक्त्यो जाल्यात आनी तांचो लाब साहित्यिकांक, संशोधकांक मेळूंक लागला.

ज्ञानपीठ ही हेरशीं खाजगी संस्था. पूण ते संस्थेनूय आठवे अनुसुचींचें बंधन घाल्लें. 1992 उपरांत ज्ञानपीठाचें दार कोंकणीक उक्तें जालां.

गोंयांतले विधानसभेन राजभास कायदो केला तो लेगीत संविधानान दिल्लो अधिकार वापरून. राज्यांक राज्यभास कायदो करपाचो अधिकार संविधानाचो 345वो अनुच्छेद दिता. गोंयांत हो कायदो 1987 वर्सा जालो खरो पूण 20-22 वर्सां तो सरकारांनी चालीक लायलो ना. हालींच तो चालीक लागपाचो आरंभ जाला; तरी लोकराज्याची गाडी रुळार येवपाक बरोच वेळ लागतलो.

अशें सगळें आसलें तरी संविधानीक हक्कांचो आमी पुरायेन लाब येतला वा येतात अशें म्हणूंक जावचें ना. नॅशनल बूक ट्रस्ट हे संस्थेचो कोंकणींतलो वावर थांबला. ते संस्थेचेर आमचो दबाव ना आनी ताका लागून कोंकणी भाशेचें आनी कोंकणीभाशी लोकांचें लुकसाण जायत आसा.

केंद्र सरकाराच्या कांय खात्यांच्यो आमकां उपकारपा सारक्यो जायत्यो येवजण्यो आसात. पूण त्यो कसल्यो तें समजून येवन तांचो लाब येवपाच्या विशयांत आमची गती मंद आसा. परिणामीं, संविधानांत अधिकार दिल्यात; पूण तांचो पुरायेन लाब येवपाच्या वावरांत आमी फाटीं आसात. हें सुसेगादपण आतां सोडून दिवपाची गरज आसा.

❑❑❑

कोंकणीची उदरगत ही केंद्र सरकाराची लागणूक

संदेश प्रभुदेसाय

1947 वर्सा भारत स्वतंत्र जालो खरो,पूण ताचे आदीं कितलीशींच वर्सां स्वातंत्र्याची प्रक्रिया चालू आशिल्ली.पूण तरिकय भोवभाशीक देशाची राष्ट्रभाशा खंयची हाचेर निर्णय घेवप तज्ञांक तेल्ला शक्य जालें ना. ताका लागून स्वातंत्र्या उपरांत लेगीत ब्रिटीश राज्यांतली इंग्लीशच भारताची राजभास म्हूण चालू उरली. 1950 वर्सा भारतीय संविधान मानून घेवन भारतीय प्रजासत्ताकाची थापणूक करतना हिंदी हीय भारताची राष्ट्रभाशा म्हूण योशीत जाली.मात ती पुरायपणान राष्ट्रभाशा करपा खातीर 15 वर्सांचो काळ दिवचो आनी भारतभर हिंदीचो प्रसार जावन 1965 मेरेन फकत हिंदी राष्ट्रभाशा म्हूण वापरचो असो निर्णय जालो.ते मेरेन इंग्लीशीचो वापर चालूच उरतलो अशेंय थारावलें.

हे वडणुकेक आतां 64 वर्सां जाली जाल्यार भारत स्वतंत्र जाल्यार 67 वर्सां जालीं,पूण अजून मेरेन भारताची अधिकृत भास इंग्लीशच आसा.हिंदीय आसा,पूण तिचो जाय तितलो प्रसार आजुनूय जावंक ना. हाका कारणां दोन-जालीं.एक म्हणल्यार हिंदी ही आवयभास म्हूण उलोवपी भारतांत फकत 25 टक्के लोक आसात. तातूंत हिंदीक लागीं आशिल्ल्या आनी हिंदी आपली मूळ भास म्हूण मानतल्या बोलींचो आसपाव केल्यार लेगीत ही टक्केवारी 45 टक्क्यांवयर वचना. तीय बी फकत उत्तर भारतांतल्या कांय राज्यांनी उलयतात.

पूण त्याच वेळार भारतांत हेर खंयचीच भास आठ टक्क्यांवयर लोक उलयनात. भारतीय संविधानाच्या आठवे अनुसुचींत आतांमेरेन 22 भासो आस्पावल्यात.पूण समर इन्स्टिट्यूट ऑफ लँग्वेजीस हे भाशीक संशोधनाक ओंपिल्ले आंतरराष्ट्रीय संस्थेप्रमाण भारतांतल्या खांची कोनशांनी ल्हान-प्रमाणांत मेळून वट्ट 415 भासो आसात.हातूंतल्यो फकत 67 भासो आतां मेरेन अधिकृतपणान नोंद केल्ल्यो मेळटात.हातूंतली हिंदी भास सुमार 42 कोटी लोक उलयतात जाल्यार ताचे फाटोफाट क्रमांक येता तो 8.34 कोटी उलोवपी बंगालीचो (8 टक्के) सगळ्यांत निमणे येता ती 65,000 लोक उलयतात ती फोम ही नागालँडांतली भास. ह्या सगळ्या भासांमदीं आमचो कोंकणीचो क्रमांक लागता 20 वो.

राष्ट्रभाशेचो योळ

भारतीय भासांची मुखेलपणान वांटणी जाल्या ती दोन तरांमदीं.इंडो-भास आनी द्रविडी भास.उत्तरेंत काश्मीरासावन गोंयांमेरेन सुमार 73 टक्के लोक वेगवेगळ्यो इंडो-भासो उलयतात,जाल्यार दक्षिणेक 24 टक्के द्रविडी भासो उलयतात.हेर तीन टक्के भासो आदिवासी आनी हेर भाशांच्यो उत्तर-वाठारांतल्यो तरा. इंडो-भाशांक ते मानान हिंदी लागींचीं आसा,पूण द्रविडी आनी हेर भासांक ती सामकीच पयसुल्ली. हाका लागून 1950 वर्सा संविधानांत हिंदीचो राष्ट्रभाशा म्हूण आसपाव जावन लेगीत ती भारतीय जनमानसांत रुजपाक शकली ना.उरफार्टे हिंदीच्या रुपान उत्तर भारत भाशेचे सत्तींतल्यान आपली सत्ता हेर देशाचेर चलोवपाक सोदता असो आरोप करून पुराय दक्षीण भारत हिंदीचे जबरदस्ती आड पेटून उठलो.हिंसक आंदोलनां जालीं.ताका लागून 15 वर्सांत हिंदी राष्ट्रभास करपाची मोख अशक्य जाली.

13 वर्सांनी, म्हणल्यार 1963 वर्सा, भारत देशाचो राजभास कायदो संसदेंत संमत जालो. तातूंत हिंदी राष्ट्रभास करपाचेर कायद्याच्या रुपान म्होर मारली,पूण फुडलीं 10 वर्सां इंग्लिशीचो वापर चालूच उरतलो अशीय तरतूद केली.

1964 वर्सा इंग्लीशीचो वापर बंद करपाचे दिश्टीन पावलां मारपाक सुरवात जाली तेन्ना तामिळनाडू, आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, पाँडिचेरी आनी पश्चीम बंगालांत हाचे आड हिंसक आंदोलनां उबीं जालीं आनी केंद्र सरकाराक आपलो निर्णय फाटीं घेवचो पडलो.उरफाटें 1967 वर्सा राजभास कायद्यांतच सुदारणा करून संसदेवांगडाच दरेका राज्याचे विधानसभेन हिंदी भास मानून घेना तोमेरेन इंग्लीशीचो वापर चालूच उरतलो असो कायदो जालो.

तेन्नासावन आतांमेरेन खंयच्याच बिगर-राज्यान इंग्लीशीक पयस करून फकत हिंदी ही राष्ट्रभाशा म्हूण मानून घेतिल्ली ना.उरफाटें इंग्लीशीचो वापर चालूच उरला.फकत अधिकृत पावंड्याचेरच न्हय,तर शिक्षण,वेव्हार,साहित्य आनी सर्दींची उलोवपाची भास लेगीत इंग्लीश जाल्या.भारतीय जनगणना इंग्लीश उलोवपी वा वापरपी लोकांचें सर्वेक्षण करना.पूण विकिपेडिया ह्या इंटरनॅटावेल्या विश्वकोशान काडिल्ल्या अदमासाप्रमाण भारतांतले 10 कोटी लोक (णव टक्के) इंग्लीश उलयतात जाल्यार 3 कोटी लोक (33 टक्के)इंग्लीश वापरतात.भारतांतले 54 टक्के आयचे पडयेक 25 वर्सां मेरेनचे पिरायेचे तरणाटे आसात. ह्या तरणाट्यांमदीं इंग्लीश उलोवपाचें आनी वापरपाचें प्रमाण सुमराभायर आसा.लोकसंख्येच्या प्रमाणांत इंग्लीश उलोवपी देशांमदीं 30 कोटींचे अमेरिके फाटोफाट भारताचो दुसरो नंबर लागता.भारतांतलें टायम्स ऑफ इंडिया हें जगांतलें सगळ्यांत चड खपपी इंग्लीश दिसाळें.भारतांत उणेच 25 टीव्ही चॅनल इंग्लीशींतल्यान आसात.आमच्या गोंयांत तर पांचवेसावन मुखावेलें सगळें शिक्षण फकत इंग्लीशींतल्यान चलता जाल्यार मुळाव्या पावंड्याचेरूय इंग्लीशींतल्यान शिक्षण घेवपी लोक भोवसंख्येन आसात.

हे फाटभुंयेर अधिकृत पावंड्यार गोंयची परिस्थिती तर ताच्याकय पाश्ट. भारत स्वतंत्र जाल्लो तेन्ना गोंयची अधिकृत भास पुर्तुगेज आशिल्ली. 14 वर्सां उसरा, म्हणल्यार 1961 वर्सा गोंय मुक्त जावन स्वतंत्र भारताचो भाग जालें तेन्ना गोंयचीय अधिकृत भास इंग्लीश जाली.तेन्ना गोंयांत इंग्लीश आनी मराठींतल्यान शिक्षण चलतालें आनी कोंकणी भास म्हूण मानपाक लेगीत भोवसंख्य लोक तयार नाशिल्लो. साहित्य निर्मिती,कलांचें सादरीकरण आनी चिमटीभर भुरगे घेवपी कोंकणींतलें मुळावें शिक्षण हातूंतल्यान कोंकणी भास म्हूण सिद्ध करपाची आव्हानात्मक चळवळ सुरू जाली. अथक परिश्रमांतल्यान उबारिल्ले हे चळवळीक लागून 1975 वर्सा केंद्रीय साहित्य अकादमीन कोंकणीक भास म्हूण मान्यताय दिली.पूण ती गोंयची राजभास जावपाक मात 1987 वर्स उदेवचें पडलें.तेंयबी खर आनी हिंसक आंदोलन उबारतकीर.म्हणल्यार भारत स्वतंत्र जातकीर 40 वर्सांनी आनी गोंय मुक्त जातकीर 26 वर्सांनी कोंकणी गोंयची राजभास जाली.पूण सर्वार्थान न्हय.कारण ह्याय राजभास कायद्यांत इंग्लीशीचो अधिकृत भास म्हूण वापर चालूच उरतलो अशी तरतूद आशिल्ली.आजुनूय आसा.ताका लागून राजभास कायदो जावन आज 27 वर्सां जालीं तरिकय राजभास म्हूण गोंयांचेर इंग्लीशीचीच सत्ता चलता आनी गोंय मुक्त जातकीर 53 वर्सां उपरांतय पुराय प्रशासन आनी हेर मुखेल वेव्हार इंग्लीशींतल्यानच चलतात.

कोंकणी लोक पाव टक्क्यापरस उणे

2001 वर्साचे जनगणने प्रमाण भारतांत वट्ट कोंकणी उलोवपी लोक आसात 24,89,015,म्हणल्यार अदमासे 25 लाख. हे लोक गोंयांतच न्हय तर हेर राज्यांनीय फाफसल्यात.कोंकणी आपली आवयभास म्हूण नोंद करपी लोक गोंयांपरस कर्नाटकांत चड आसात. हातूंतले 24,20,140 कोंकणी उलोवपी, 46,851 महाराष्ट्रांतल्या कोंकण वाठारांतले मालवणी उलोवपी जाल्यार 10,192 केरळांतले कुणबी जमातीचे कुडुंबी उलोवपी आसात अशीय एक नोंद मेळटा.ते भायर हेर आसात 11,832.

2001 वर्साचे जनगणने प्रमाण कोंकणी उलोवपी लोक वट्ट 35 राज्यांनी फाफसल्यात.कोंकणीचें मूळ पीठ आशिल्ल्या गोंयच्या मात अर्धाच लोकांनी आपली आवयभास कोंकणी म्हूण नोंद केल्या.(आवयभासांची वर्गवारी मुखार येतली) सकयल दिल्ल्या तकट्यांत ह्या 35 राज्यांतल्या कोंकणी उलोवपी लोकांचो आंकडो दिला.ते प्रमाण कोंकणी उलोवपी लोकांची टक्केवारी पुराय भारत देशांत एक सोडात,पाव टक्को लेगीत ना (0.24%).लोकांच्या प्रमाणांत हातूंत पयलो क्रमांक लागता तो कर्नाटकाचो जाल्यार दुसरो गोंयचो. हाचें मुखेल कारण म्हणल्यार गोंयांतल्या उण्याच तीन लाख लोकांनी मराठी आपली आवयभास म्हूण नोंद केल्या.

तातूंत चडांत चड कोंकणी उलोवपी,पूण स्वताची आवयभास मराठी म्हणपी लोक आसुं येतात.

गोंय,कर्नाटक,महाराष्ट्र आनी केरळ हीं कोंकणी लोक आशिल्लीं मुखेल चार राज्यां अशें आमी पऱतालें. पूण जनगणनेप्रमाण चवथ्या क्रमांकाचेर गुजरात राज्य येता,केरळ न्हय.गुजरातेंत दोन लाखांचे लागीं लोकांनी कोंकणी आपली आवयभास म्हूण नोंद केल्या.(संदर्भ: http://www.censusindia.gov.in/Census_Data_2001/Census_Data_Online/Language/parta.htm)(पूण ही कोंकणी आमचे कोंकणीक खंयच लागींची ना, फकत नांवांतलें कितें तें साम्य अशें कोंकणींतल्या भाशा पंडितांचें म्हणणें आसा. ताचे उपरांत फकत 65 हजार कोंकणी उलोवपी लोकांचें केरळ राज्य येता.तशेंच टक्केवारीचें प्रमाण घेतलें जाल्यार भारतांतले 57 टक्के कोंकणी उलोवपी लोक गोंयांत आसात.ताचे उपरांत नंबर लागता तो दादरा आनी नगर हवेलीचो.थंय लोकसंख्येच्या 10 टक्के लोक कोंकणी उलयतात.कोंकणी थंय तिसऱ्या नंबराचेर लागता.अर्दे लोक भिल्ली (वारळी)उलयतात, 22 टक्के लोक गुजराती जाल्यार 10 टक्के कोंकणी.दादरा-हवेलींतल्यो ह्यो तीन मुखेल भासो.

ते मानान कर्नाटकांत फकत देह टक्के,महाराष्ट्रांत अर्द टक्को जाल्यार केरळांत तर पाव टक्क्यापरसूय उणे. कर्नाटक,महाराष्ट्र आनी केरळ राज्यांनी कोंकणी उलोवपी लोक एका थारावीक वाठारांतच राविल्लो मेळटा.मात गुजरात आनी दादरा-हवेलींत हो कोंकणी लोक खंयच्या वाठारांत आसा ताची नोंद जनगणनेन प्रसिध्द केल्ल्या मजकुरांत मेळना.ताचो प्रत्यक्ष सोद घेवचो पडटलो.ते भायर चार हजार ते 14 लोक इतले मजगतीं कोंकणी उलोवपी लोक मेळटात ते हेर 19 राज्यांनी.आमचो कोंकणी लोक खंय खंय फाफसला आनी थंय रावन लेगीत तो कोंकणी आपली आवयभास म्हूण अभिमानान नोंद करता हाची ही गवाय.

भारतांतली राज्यवार कोंकणी लोकसंख्या आनी टक्केवारी

क्र	राज्य	लोकसंख्या	राज्यवार कोंकणींचीर टक्केवारी
	भारत	2489015	0.24
1	गोंय	769888	57.13
2	कर्नाटक	768039	1.45
3	महाराष्ट्र	658259	0.68
4	गुजरात	190557	0.38
5	केरळ	61376	0.19
6	दादरा-हवेली	22795	10.34
7	तामिळनाडू	4657	0.01
8	ओडिशा	3280	0.01
9	आंध्र प्रदेश	3129	0.00
10	दिल्ली	1767	0.01
11	मध्य प्रदेश	988	0.00
12	प.बंगाल	960	0.00
13	राजस्थान	716	0.00
14	उत्तर प्रदेश	323	0.00
15	झारखंड	310	0.00
16	लक्षद्वीप	310	0.51
17	दमण-	229	0.14
18	हरयाणा	206	0.00
19	छत्तीसगढ	182	0.00
20	आसाम	156	0.00
21	त्रिपुरा	146	0.00
22	जम्मू आनी काश्मीर	90	0.00
23	बिहार	78	0.00
24	पंजाब	76	0.00
25	चंदिगढ	74	0.01
26	नागालँड	74	0.00
27	मेघालय	66	0.00
28	पाँडिचरी	63	0.01
29	उत्तरांचल	53	0.00
30	अंदमान निकोबार	44	0.01
31	मिझोराम	43	0.00
32	अरुणाचल प्रदेश	25	0.00
33	हिमाचल प्रदेश	25	0.00
34	सिक्कीम	17	0.00
35	मणिपूर	14	0.00

गोंयांत आसात 15 वयर भासो उलोवपी लोक

2001 वर्साचे जनगणने प्रमाण गोंयच्या साडेतेरा लाखांतले फकत 7.71 लाख लोक कोंकणी आपली आवयभास म्हूण नोंद करतात.संविधानाचे आठवे अनुसूचींत आशिल्ल्यो 13 भासो उलोवपी लोक एका गोंयांत आसात.

ताचो तपशीलवार तकटो सकयल दिला. तातूंत मराठी आपली आवयभास म्हूण नोंद केल्लो तीन लाख गोंयकार मेळटा.म्हणल्यार फकत 23 टक्के. गोंयची बरीचशी जाणटी पिळगी कोंकणी उलोवन लेगीत मराठी आपली भास आनी कोंकणी बोली म्हणपी आसताले. पूण उपरांत ही परिस्थिती बदलत गेली.देखून हें प्रमाण धा वर्सां उपरांत, म्हणल्यार 2011 चे जनगणनेंत कितलें देंवलां तें पळोवचें पडटलें. हे आंकडे आजून प्रसिध्द जाल्ले नात.

मराठी आवयभास म्हूण नोंद करपी भोवसंख्य लोक गोंयकारच आसात अशें धरलें जाल्यार भायल्यान येवन गोंयांत राबितो केल्ले बिगर-गोंयकार 2001 वर्साचे जनगणनेप्रमाण सुमार चार लाख आसतले असो अदमास हांगां मेळटा.हातूंतली दुसरी वा तिसरी पिळगी हांगांच जल्माक आविल्ल्यान अस्खलीत कोंकणी उलयता आनी शिकतायबी.(आमी गोंयकारच तांचेकडेन कोंकणीन उलयनात. हातूंत हिंदी आनी कन्नड उलोवपी लोकांचो आंकडो प्रत्येकी पालाखांच्या लागीं आसा.ते मानान उर्दू आपली आवयभास म्हूण नोंद करपी फकत 50 हजारांच्या फाटीं- सकयलो तकटो पळयल्यार हाचो वेवस्थीत अदमास येता.

गोंयांतली भोवभाशीक लोकसंख्या आनी टक्केवारी

क्र	आवयभास	लोकसंख्या	%
1	कोंकणी	771000	57.21
2	मराठी	304708	22.61
3	हिंदी	76952	5.71
4	कन्नड	74661	5.54
5	उर्दू	54176	4.02
6	मल्याळम	15094	1.12
7	तेलगू	11995	0.89
8	गुजराती	9299	0.69
9	तामीळ	7951	0.59
10	बंगाली	4177	0.31
11	ओडिया	2695	0.20
12	नेपाळी	2156	0.16
13	पंजाबी	1752	0.13
14	हेर	11052	0.82
	वट्ट	1347668	

आठवी अनुसुची आनी राजभास आयोग

राष्ट्रीय पावंड्यावेले आनी गोंयच्या पावंड्यावेले हे फाटभुंयेर आमी हांगां कोंकणी संविधानाचे आठवे अनुसुचींत वतकीर आमकां कसले हक्क मेळटात आनी तांचो कसो वापर करूं येता हाचेर भासाभास करतात.हेर भासांवांगडा आज कोंकणीय आठवे अनुसुचींत आसा.पूण ती थंय वचपाक 20 ऑगस्ट 1992 उदेवचो पडलो.गोंय मुक्त जातकीर 31 वर्सांनी आनी कोंकणी गोंयची राजभास जातकीर पांच वर्सांनी.आठवे अनुसुचींतल्या 22 भासांमदीं लोकसंख्येप्रमाण कोंकणीचो नंबर 1वो लागता.

हे आठवे अनुसुचींतले भाशेचे हक्क जाणा जावचे पयलीं आठवे अनुसुचीचो उद्देश कितें तें पयलीं समजून घेवचें पडटलें.पयली गजाल म्हणल्यार आठवे अनुसुचींत वतकीर कोंकणी ही फकत गोंयची न्हय तर भारत देशाची अधिकृत भास जाली.म्हणल्यार हे भाशेची उदरगत करपाची जापसालदारकी फकत गोंय सरकाराची न्हय,तर केंद्र सरकाराचीय जाली.ही सगळ्यांत म्हत्वाची गजाल आमी समजून घेतली जाल्यार कोंकणीचे उदरगतीचे कितलेशेच प्रस्न सुट्टात.कारण गोंय सरकाराक आनी गोंयच्या राजकारणाक गोंयांतल्या भाशावादाची आडखळ जाता आनी ताका लागून कोंकणीचे उदरगतीक आडमेळीं येतात.पूण केंद्र सरकाराक हो भाशावाद लागना.तेन्ना ताची जापसालदारकी तें फाफडून उडोवंक शकना.

ही आठवी अनुसुची करपा फाटल्यान आनीक एक उद्देश आशिल्लो.हिंदी राष्ट्रभास करतना आठवे अनुसुचींतल्या सगळ्या प्रादेशीक भासांतली उतरावळ घेवन तातूंतल्यान हिंदीचें प्रमाणीकरण करतले.ताका लागून सगळ्यांकच हिंदी आपली भास कशी दिसपाक लागतली.महात्मा गांधीन हातूंतल्यान हिंदुस्थानी म्हूण नवी भास घडोवची अशेंय मत उक्तायल्लें.पूण हातूंतली खंयचीच गजाल आजमेरेन शक्य जावंक ना.हिंदी आनी हेर प्रादेशीक भासो हांचे मदली दरी अजुनूय तशीच आसा.

मात हे भाशेची उदरगत करपाचे केंद्र सरकाराचे लागणुकेचे दिश्टींतल्यान तिसरी गजाल साप्प म्हत्वाची. आठवे अनुसुचींत वतकीर ते भाशेक राष्ट्रीय पावंड्यावेल्या राजभास आयोगाचेर प्रतिनिधित्व मेळटा. हो राजभास

आयोग 7 जून 1955 ह्या दिसा राष्ट्रपतीच्या आदेशा प्रमाण मानव संसाधन मंत्रालयान परिपत्रक काडून स्थापन केल्लो. हाका सांसदीय राजभास समिती अशेंय म्हणटात.भारतीय संविधानाच्या कलम 344 प्रमाण हो आयोग स्थापन केला.

ह्या आयोगाचीं पांच कर्तव्यां आसातः

- भारत देशाची अधिकृत भास म्हूण हिंदीचो जाता तितलो वापर करप
- भारत देशाच्या अधिकृत वापरा खातीर इंग्लिशीचो वापर मर्यादीत स्वरुपांत करप
- संविधानाच्या कलम 348त सांगिल्ले प्रमाण भाशेचो वापर करप. (कलम सर्वोच्च न्यायालय,उच्च न्यायालय,संसद,विधानसभा तशेंच सगळे प्रशासकीय आदेश, परिपत्रकां, कायदे आनी नेम इंग्लीशींतल्यान, हिंदींतल्यान तशेंच थळावे राजभाशेंतल्यान दिवप बंदनकारक करता.
- पुराय देशाखातीर आंकडे खंयचे वापरप हाचेर निर्णय घेवप
- केंद्र सरकार आनी राज्य सरकारांमदीं संपर्काची भास खंयची वापरची हाचेर निर्णय घेवप

ही समिती घडयतना आठवे अनुसुचींत आशिल्ल्या भासांचे (त्या त्या राज्यांचे)20 खासदार आनी 10 वेगवेगळ्या राज्यांचे आमदार घेवचे अशी येवजण आशिल्ली. पूण दुर्देवान आजमेरेन आमदारांक हे समितीचेर केन्नाच प्रतिनिधित्व मेळ्ळें ना.पयलीच समिती घडयली ती 20 लोकसभा खासदार आनी 10 राज्यसभा खासदारांची,पूण भाशावार प्रतिनिधित्व दिवन.तेन्नासावन आतां मेरेन वेगवेगळ्या समित्यांनी आठ अहवाल दिल्यात आनी ते प्रमाण राष्ट्रपतीन आदेश काडल्यात.पूण आजूनमेरेन गोंयांक वा कोंकणी भाशेक ह्या आयोगाचेर प्रतिनिधित्व मेळूंक ना.

कोंकणीची उदरगत ही केंद्र सरकाराची लागणूक

हे समितीन आपलो पयलो अहवाल 8फेब्रुवारी 1959 ह्या दिसा राष्ट्रपतीक दिलो आनी ताका अनुसरून 27 एप्रील 1960 ह्या दिसा राष्ट्रपतीन भाशेविशींचो पयलो आदेश काडलो.ताका आजूय राष्ट्रपतीचो आदेश 1960 म्हूण वळखतात.हातूंत इंग्लीशीची सुवात थळाव्या भासांनी घेवचे खातीर केंद्र सरकारान वावुरचें असो स्पश्ट आदेश आसा.ते खातीर केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराच्या समन्वयांतल्यान प्रादेशीक भासांची उतरावळ घडोवची असो आदेश आसा.भारतांतल्या सगळ्या आठवे अनुसुचींतल्या प्रादेशीक भाशांचे उतरावळींत सुसुत्रता आसची देखून ही जापसालदारकी केंद्रीय शिक्षण खातें (मानव संसाधन खातें) आनी केंद्रीय कायदो खात्यान घेवची अशेंय ह्या आदेशांत म्हणलां आनी कांय खासा गजालींचो उल्लेखय केला,तो असोः

1. प्रशासकीय नेमावळ आनी कार्यप्रणालीच्या साहित्याचो अणकार केंद्रीय शिक्षण खात्यान करचो
2. संविधानीक नेम,नेमावळी आनी आदेशांचो तशेंच कायदयांचो अणकार केंद्रीय कायदो खात्यान करचो
3. केंद्रीय खात्यांच्या राज्यवार थळाव्या कार्यालयांनी लोकसंपर्का खातीर प्रादेशीक भाशेचो वापर करचो
4. केंद्रीय खात्यांनी कर्मचारी नेमणूक करतना प्रादेशीक पावंड्यार विकेंद्रीकरण करून नेमणूक करची आनी सहजासहजीं तांची राज्याभायर बदली करची न्हय
5. नॅशनल डिफेन्स अकादमी सारक्या केंद्रीय प्रशिक्षण संस्थांच्यो प्रवेश परिक्षा आनी हेर परिक्षां खातीर इंग्लीश आनी हिंदी वांगडाच प्रादेशीक भाशेचोय वापर करचो
6. अखील भारतीय सेवा आनी केंद्रीय सेवेच्या परिक्षां खातीरय इंग्लीश आनी हिंदी वांगडा प्रादेशीक भास वापरपाचेर विचार करचो
7. संसदेंत येवपी विधेयकां आनी संमत जावपी कायद्यांचें इंग्लीश आनी हिंदी वांगडाच प्रादेशीक भासांतल्यान अणकार करपाची जापसालदारकी केंद्रीय कायदो खात्यान घेवची
8. सर्वोच्च न्यायालयाची भास इंग्लीश आसतली आनी कालांतरान ती हिंदी जातली.पूण उच्च न्यायालयांनी हिंदी आनी प्रादेशीक भाशेचो वापर निवाडे आनी आदेशां खातीर जावचो म्हूण राष्ट्रपतीची परवानगी घेवन कायदो समंत करचो आनी ताची जापसालदारकी केंद्रीय कायदो मंत्रालयान घेवची
9. समान कायदेशीर उतरावळ घडोवचे खातीर आनी ती सगल्या भारतीय प्रादेशीक भासांनी हाडचे खातीर केंद्रीय कायदो खात्यान सगळ्या भाशांतल्या तज्ञांक घेवन स्थायी

समिती घडोवची

केंद्र सरकाराचें तीन-सुत्र

राष्ट्रपतीच्या ह्या आदेशाक धरून 1968 वर्सा संसदेच्या दोनूय सभाघरांनी प्रदीर्घ भासाभाशे उपरांत राजभास थाराव मानून घेतलो.तातूंत हिंदी वांगडाच आठवे अनुसुचींत आशिल्ल्या सगळ्या भासांची उदरगत करपाची जापसालदारकी केंद्र सरकारान घेतली.ह्या थारावांतले पयलो हिंदीचो मुद्दो सोडून हेर तीन मुद्दे अशें सांगतातः

2. हिंदीवांगडाच आठवे अनुसुचींतल्योय भासो भारतीय भासो आशिल्ल्यान देशाचे शिक्षणीक आनी सांस्कृतीक उदरगती खातीर आनी ह्या भाशांची उदरगत करपा खातीर खर पावलां उबारपाची गरज आसा.ते खातीर कार्यावळ आंखतले आनी केंद्र सरकार ताची,राज्य सरकाराच्या जोडपालवान,अंमलबजावणी करतलें.कारण हिंदीवांगडाच ह्या सगळ्योच भासो गिरेस्त जावपाक जाय आनी संपर्काचें प्रभावी माध्यम आनी एक आधुनीक भास म्हूण मुखार सरपाक जाय.

3. एकचाराची जाणविकाय पुराय देशांत तयार जावची आनी देशाच्या वेगवेगळ्या प्रदेशांमदीं संपर्क करपाक सोपें जावचें देखून राज्य सरकारांलागीं सल्लामसलत करून केंद्र सरकार सगळ्या राज्यांनी तीन भाशांचें हें सुत्र राबयतलें.

4. भारतीय आनी उच्च केंद्रीय सेवा परिक्षां खातीर इंग्लीश वा हिंदीवांगडाच आठवे अनुसुचींतल्यो भासो वापरपाचीय मेकळीक आसतली.

ह्या तत्वांक पाळो दिवन केंद्र सरकारान केंद्रीय राजभास खातें घडवलें.ह्या खात्याची मुखेल मोख हिंदीचो प्रसार करप ही आसली तरिकय आठवे अनुसुचींतल्या भाशांची उदरगत करपाचेंय काम हें खातें करता.ह्या खात्याचें राष्ट्रीय भाषांतर मिशन हिंदी वांगडाच आठवे अनुसुचींतल्या हेर भाशांचो अणकार करपाचेंय प्रशिक्षण दिता.तशेंच हिंदी आनी आठवे अनुसुचींतल्या भाशांचो खंय खंय कसो कसो वापर करचो हाचे खातीर 1965 ते 2011 मेरेन ह्या खात्यान वेगवेगळीं 209 परिपत्रकां फाटल्या 46 वर्सांत काडल्यांत.तांची अंमलबजावणी करपाची जापसालदारकी केंद्रीय मंत्रालयां, केंद्रीय खातीं आनी तांचीं भारतभर आशिल्लीं सगळीं कार्यालयां, केंद्रीय निगम, महामंडळां तशेंच राष्ट्रीयकृत बँकांचेंर आसता. लोकांलागीं थळावे भाशेंतल्यान संपर्क करचो हें मुळावें तत्व घेवन हीं परिपत्रकां काडिल्लीं आसात. देखीक,कांय परिपत्रकां अशीं आसातः

1. हातूंतलें पयलें परिपत्रक काडलें तें 7 सप्टेंबर 1965 ह्या दिसा. मनिऑर्डर आनी हेर सगळे केंद्रीय खात्यांचे लोकांक लागपी फॉर्म थळावे भाशेंतल्यान दिवपाविशीं हें पत्रक आशिल्लें

2. केंद्रीय खात्यांचीं राज्यांतलीं कार्यालयां, निगम, महामंडळां आनी राष्ट्रीयकृत बँकांचे नांवांचे तकटे, नोटिस बोर्ड आनी जायरात बोर्ड आठवे अनुसुचींतल्या थळावे भाशेंतल्यान आसपाक जाय

3. राष्ट्रीय वा आंतरराष्ट्रीय महोत्सव ज्या राज्यांनी जातात थंय थंयची प्रादेशीक भासय तांणी वापरूंक जाय (देखीक, गोंयचो इफ्फी आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव)

4. ह्या सगळ्या केंद्रीय आस्थापनांचीं बातमीपत्रां, मासिकां आनी पुस्तकां इंग्लीश आनी हिंदीवांगडा थळावे भाशेंतल्यानय आसूंक जाय

अशीं कितलीं परिपत्रकां थळाव्या भासांक (कोंकणीक) लागू जातात तें जाणा जावन घेवंक हीं सगळीं 209 परिपत्रकां अभ्यासपाची गरज आसा. ह्याच परिपत्रकांक लागून आज खंयच्याय राज्यांत गेल्यार थंयच्या राष्ट्रीयकृत बँकांच्या शाखांनी बोर्ड धरून रिशिटी, फॉर्म आनी एटीएमांत लेगीत थळावे भाशेचो आसपाव आसता. भारतीय संचार निगम लिमिटेड धरुन सगळ्योच फोन आनी मोबायल कंपन्यो थळावे भाशेंतल्यान लोकांकडेन संपर्क करतात.मात हें जायना तें गोंयांत. खंयचीच बँक कोंकणींतल्यान कसलेंच छापील साहित्य दिना. उरफाटें महाराष्ट्रांतल्यान मराठींतल्यान छापिल्लें साहित्य हांगां हाडून खपयता.बीएसएनलान तर लोकांकडेन कोंकणींतल्यान उलोवपाची सुरू केल्ली फोनावेली लोकसंकर्प सेवा लेगीत बंद करून उडयल्या.

भारतीय भाषा संस्थानांतलो कोंकणीचो रितो राजवाडो

ह्याच उपक्रमाखाला केंद्र सरकारान भारतीय भाषा संस्थान स्थापन केलां. Central Institute of Indian Languages सगळ्याच भारतीय भाशांचे उदरगती खातीर. आठवे अनुसुचींत गेल्ल्या भाशां खातीर तर हें संस्थान



आपलें भाशीक संशोधन आनी प्रकाशनाक आँपिल्लें कार्यालयच दरेका राज्यांत सुरू करता.पूण ह्या संस्थानाचें कार्यालय अजून गोंयांत सुरू जाल्लें ना.कोंकणी भाशेचे उदरगती खातीर मुळाव्या पावंड्यावेलें संशोधनाचें कार्य जावपाची साप्प गरज आसा.आयच्या संगणकीय युगांत तर सगळ्यांत म्हत्वाचें थारता तें भाशेचें शब्दभांडार (कॉर्पोरा). तें काम लेगीत कितलीशींच वर्सां जालीं अर्दार पडून आसा.

आवयभास आनी दुसरी भास शिकतल्यां खातीर सगळें तरेचें साहित्य तयार करून दिवपाची जापसालदारकी ह्या संस्थानाची.शाळेंत वचपी भुरग्यांवांगडाच जाण्ट्यांखातीर शिक्षणीक साहित्य तयार करपाचीय जापसालदारकी हें संस्थान घेता.शिक्षक आनी संशोधकांक वांगडा घेवन हें संस्थान पुस्तकां तयार करता.आतां मेरेन ह्या संस्थानान सगळ्या भाशांतल्यान 240 तरांचें प्रशिक्षणाचें आनी शिकपाचें साहित्य तयार केलां. तातूंत पुस्तकां,श्राव्य साहित्य, दृकश्राव्य साहित्य आनी संगणकीय सॉफ्टवॅरांचो आसपाव आसा. बडबडगितां, चित्रमय शब्दावली, भाशेचे खेळ,सांस्कृतीक बोली,सर्वसादारण बोली अशा तरांचेंय साहित्य तयार केलां. हें तयार करपा खातीर भाशा शिक्षक आनी मार्गदर्शकांक प्रशिक्षीत करपाचेंय काम संस्थान करता.ते भायर भाशेचो अभ्याक्रम तयार करपाच्या कामांतय मार्गदर्शन करता.एसएससी सावन युपीएससी मेरेन सगळ्या परिक्षांचे तयारे खातीर शिकपाचीं सादनां तयार करता.हातूंतलें कसलेंच काम आजमेरेन कोंकणीचें बाबतींत जाल्लें ना.

कोंकणी संपादकाविणे एनबीटी अनाथ

1957 वर्सा केंद्र सरकारान स्थापन केल्ली नॅशनल बूक ट्रस्ट ही संस्था भारतीय भाशांतलीं पुस्तकां तयार करप,छापप आनी वितरीत करप ह्या तीन गजालीं खातीर स्थापन जाल्ली आसा. दर्जेदार पुस्तकां, आकर्शक छापणावळ आनी उण्यांत उणें मोल हीं एनबीटीच्या पुस्तकांचीं खाशेलेपणां. आठवे अनुसुचींतल्या भाशांतलें साहित्य तयार करप ही ह्या ट्रस्टाची जापसालदारकी. हातूंत मूळ भाशेंतल्या पुस्तकां वांगडाच हेर भाशांतलें साहित्य अणकारीत करून छापपाचीय येवजण आसा.जागतीक साहित्य, जागतीक क्लासिक्स, विज्ञान, चरित्र, आत्मचरित्र, लोककला, बालसाहित्य आनी सर्जनशील साहित्या वांगडाच नवशिक्यां खातीर आनी ब्रेल लिपींतल्या साहित्याचोय आसपाव जाता. दर वर्सा वेगवेगळ्या भारतीय भाशांचीं हजारांनी पुस्तकां एनबीटी छापता.

ह्या पुस्तकांची निवड करप आनी तीं बरोवन येवन छापून तयार करपा खातीर दरेके भाशेचो एक-संपादक एनबीटी नेमता.पूण कोंकणीक आजून मेरेन संपादक नेमिल्लो ना. सुषमा सोनक ही पयलीं संपादक म्हूण कोंकणीचें काम पळवताली. ती वचतसावन मराठीचो संपादक आशिल्लो राहुल कोसंबी हो उमेदी तरणाटो आपले पद्दतीन कोंकणीचो विभाग सांबाळपाचो यत्न करता, पूण तो साप्प उणो पडटा. हाचो परिणाम, अर्थातच, कोंकणींतल्यान तयार जावपी पुस्तकांचेर पडला. हेर सगळ्या भारतीय भासांनी वर्साक हज्जारांनी पुस्तकां तयार जातात. ल्हानांतले ल्हान भाशेंत लेगीत शेंकड्यांनी. पूण एनबीटीन आज मेरेन छापिल्ल्या कोंकणी पुस्तकांचो आंकडो आसा फकत 35. हालींच्या तेंपार तर तो उणोच जायत चल्ला. देखीक 2010-11 वर्सा फकत एक कोंकणी पुस्तक, 2011-12 वर्सा तीन पुस्तकां जाल्यार 2012-13 वर्सा एक्कूय पुस्तक तयार जावंक ना.

बालसाहित्यांत तर रंगबिरंगी आनी बऱ्या कागदाचेर छापिल्लीं पुस्तकां ही आज कोंकणी शिक्षणाची गरज जाल्या.एनबीटी ही पुस्तकां चार पिरायेच्या विभागांनी छापता.बालवाडी, स ते आठ वर्सां, णव ते इकरा वर्सां आनी 12 ते 14 वर्सां पिरायेच्या भुरग्यां खातीर वेगवेगळीं पुस्तकां.रंगबिरंगी,चित्रांनी भरिल्लीं मूळ भाशेंतलीं पुस्तकां संवसारभरांतल्या एकापरस एक मनभुलावण्या आनी देखदिण्या पुस्तकांचे अणकार.फाटल्याच वर्सा एनबीटीन अशीं 1267 पुस्तकां छापलीं.तातूंत कोंकणीचें एक्कूय पुस्तक ना. ब्रेल लिपींतलीं 240 पुस्तकां छापलीं.कोंकणीचें एक्कूय ना.

नोकऱ्यो-वेवसायांचो खजिनो

हाचे भायर केंद्र सरकाराचे आनिकय उपक्रम आसुं येतात.पूण जे हांगां दिल्यात तेच पळयल्यार केंद्र सरकारावरवीं कोंकणीचे उदरगती खातीर करपा सारकें काम कितलेशेंच आसा हें मतींत येतलें.नॅशनल बूक ट्रस्टाक एक संपादक मेळत आनी भारतीय भाशा संस्थानाचें आमचें हक्काचें कार्यालय गोंयांत स्थापन जायत जाल्यार कामांचो योयोच तयार जातलो. ते भायर केंद्र सरकाराचीं आस्थापनां आनी बँकांनी तीन भाशांचें सुत्र लागू जायत जाल्यार कोंकणीचो प्रसार खंयचे खंय पावतलो.म्हत्वाचें म्हणल्यार गोंयचो पारंपारीक भाशावाद मदीं हाडून कोण आडखळ हाडपाक शकचो ना आनी खंयचोच राजकारणीय आड येवचो ना.सुरवेक राजभास संचालनालय वा गोवा कोंकणी अकादमीन फुडाकार येवन समन्वयकाची भुमिका येत जाल्यार हें काम चालीक लागपाक शकता.

ते भायर ह्या आस्थापनांनी कायम स्वरुपी सुरक्षीत नोकरेची वेवस्था जावन कोंकणी शिकपी विद्यार्थ्यांक नव्यो संदी गावंक शकतात. हातूंत एक आनी दोन न्हय, कितल्याशाच तरांची कुशळटाय आशिल्ले लोक जाय पडटले. शिक्षक, प्रशिक्षक, कारकून, संशोधक, बरे उलोवपी, केंद्र सरकाराच्या खात्यांक लागपी पूण कोंकणी येवपी पदवीधर, बँकर, संपादपी, भाशांतरकार, समीक्षक, साहित्यीक अश्यो कितल्योशोच नोकऱ्यो आनी वेवसाय हातूंतल्यान गावंक शकतात.एके वटेन कोंकणी खातीर ही अलिबाबाची गुहाच कशी.फकत तिळा तिळा म्हणून कोणे तरी दार उगडपाची गरज आसा. मात ते खातीर कोंकणी, हिंदी आनी इंग्लीश अशा तिनूय भाशांची जाण आसप म्हत्वाचें.

सध्या एकेच भाशेफाटल्यान धांवपाची संस्कृताय तयार जावंक लागल्या.एकेच भाशेचो अभिमान बाळगितना दुसऱ्या भाशांक खोंटावपाचीय प्रवृत्ती वाडपाक लागल्या.भोवभाशिकत्वाची परंपरा नश्ट जावंक लागल्या. एका तेंपार गोंयकाराक कोंकणी,मराठी,हिंदी,इंग्लीश आनी पुर्तुगेज येताली.तातूंत कांय जाणांक गुजराती वा कन्नडय येताली जाल्यार कांय जाणांक फ्रँच लेगीत.कालमेरेनचे पिळगेक कोंकणी,मराठी,हिंदी आनी इंग्लीश भासो येताल्यो.पूण आज कितल्याशाच जाणांक एक भास लेगीत धड येना जाल्या.अशा वेळार सुरक्षीत आनी बऱ्या पगाराची नोकरी ह्या उपक्रमांतल्यान मेळत जाल्यार भोवभाशिकत्वाची परंपरा नव्यान सुरू जावंक शकता.कोंकणीक खोंटावन मुळाव्या शिक्षणा खातीर लेगीत इंग्लिशीक वेंगावपाची परंपराय फाटीं पडपाक शकता.आंदोलनांतल्यान जायना तो प्रस्न आठवे अनुसुचीप्रमाण कोंकणीक मेळपी हक्कांची अंमलबजावणी केल्यार अळंगपणान सुटपाक शकता. खासा करून शिक्षणीक मळार मरगळ आविल्ले कोंकणीक नवसंजीवनी मेळपाक शकता.

❑❑❑

कोंकणी शिक्षणाची दिशा आनी दशा

पांडुरंग नाडकर्णी

खंयचेय भाशेंत शिक्षण जातलें जाल्यार ती भास उलोवपी समाज आसप गरजेचें आसता. एखादी भास उलोवपी लोक आसता तेन्नाच ती भास शिकप जाता वा ते भाशेंतल्यान शिक्षण जावंक शकता. कोंकणी शिक्षणाचो जेन्ना आमी विचार करतात तेन्ना कोंकणी लोक वा कोंकणी समाज गरजेचो आसता. कोंकणी उलोवपी लोक सबंद संवसारभर आनी सबंद भारतभर जरी आसलो तरी तो सगळ्याक शिंपडावन पडिल्लो आसा आनी हाका आडवाद फकत गोंय. कोंकणी उलोवपी लोक व्हडा प्रमाणांत गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी केरळ ह्याच चार राज्यांनी आसात. कोंकणी समाज आनी कोंकणी भास हाचें मूळ पीठ फकत गोंय राज्यच आसा हेंय सगळेजाण मान्य करतात.

कोंकणी लोक जरी महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी केरळ ह्या तिनूय राज्यांनी जरी आसलो तरीय ह्या राज्यांनी कोंकणी ही राजभास ना आनी ह्या दर एका राज्याची वेगळी अशी स्वतंत्र भास आसा आनी तीच तांची राजभास आसा. देखीक महाराष्ट्रांत मराठी, कर्नाटकांत कानडी आनी केरळांत मल्ल्याळम अश्यो राजभास आसात. हाचोच अर्थ असो की ह्या तीन राज्यांनी जो कोंकणी भाशीक समाज आसा तो त्या त्या राज्यांतलो कोंकणी भाशीक अल्पसंख्य आशिल्ल्यान ह्या तिनूय राज्यांनी कोंकणींतल्यान शिक्षण जावप कठीण आसा. मात हांगा कोंकणी भास एक विशय म्हूण शिकपाक मेळटा आनी शिकपाची मेकळीकय आसा. हालींच्या काळांत भुरग्यांच्या पालकांनी वा भुरग्यांनी तशी मागणी केल्यार कोंकणी भास म्हणून शिकपाची वेवस्था जाता. हाचे वयल्यान एक स्पश्ट जाता आनी तें म्हणल्यार कोंकणींतल्यान शिक्षण फकत गोंयांतच जावंक शकता आनी हाचें मुखेल कारण म्हणल्यार कोंकणी हीच गोंयच्या लोकांची भास आनी कोंकणी हीच गोंयची राजीस.

गोंय मुक्ती पयलींची राजकी परिस्थिती

पुर्तुगेजांनी गोंय जिखून घेवचे पयलीं पेडणें, दिवचल आनी सत्तरी हे तीन म्हाल सोडले जाल्यार हेर गोंयचेर राष्ट्रकूट, भोज, शिलाहार, कदंब, बहामनी, विजयनगर, आदिलशहा अश्यो राजवटी आशिल्ल्यो आनी निमण्या एक-दोन राजवटींच्या काळांत सौंदेकार राजाची राजवट आशिल्ली. हातूंतल्यो चडश्यो राजवटी कर्नाअकांतल्योच आशिल्ल्यो. पूण ह्या राजवटींनी तांची कानडी भास गोंयचेर थापली ना हें ताचें व्हडपण.

पुर्तुगेज गोंयांत वेवचे पयलीं गोंयांत आदिलशाही आशिल्ली तरी आयज आसा तशें सगळें गोंय आदिलशहा कडेन नाशिल्लें. पेडणें, दिवचल आनी सत्तरी ह्या म्हालांचेर तर सावंतवाडीच्या भोसल्यांची सत्ता आशिल्ली. 25 नोव्हेंबर 1510 ह्या दिसा पुर्तुगेजांनी गोंय जिखलें म्हणजेच फकत त्या वेळा वयली आदिलशहाची राजधानी म्हणजे आयचें पोरणें गोंयच जिखलें. 1510 ते 1546 ह्या काळांत पुर्तुगेजांनी सगळो तिसवाडी म्हाल आपल्या ताब्यांत घेतलो. 1543 ते 1783 ह्या काळांत बार्देस आनी साश्ट (आयचो मुरगांव म्हाल धरून) हे म्हाल पुर्तुगेजांनी जिखले तर 1783त पेडणें म्हाल जिखलो आनी 1788 ते 1791 ह्याच काळांत आयज आसा तशें सगळें गोंय पुर्तुगेजांनी ताब्यांत घेतलें.

पुर्तुगेज वेवचे पयलीं गोंयचें शिक्षण

पुर्तुगेज गोंयांत वेवचे पयलीं गोंयांत फकत अनौपचारीक शिक्षण आनी धर्मीक म्हणजे देव-धर्म हाचे संबंदांतले शिक्षण आशिल्लें. ह्या काळांत चडशा लोकांक शिक्षण म्हणजेच सादारपणान वाचप आनी बरोवप असोच अर्थ आशिल्लो. 1540त जेजुईट मिशनऱ्यांनी पुर्तुगेज शिक्षणाक आरंभ केलो तरी तांचो भर धर्मीक शिक्षणाचेर आशिल्लो. 1684त पुर्तुगेजांनी नियोजबद्ध अशें पुर्तुगेज शिक्षणाचो आरंभ

1840त केलो आनी खऱ्या अर्थान पुर्तुगेज भार्शेतल्यान शिक्षण जावपाक लागलें.

गोंयच्या शेजारची राजकी आनी शिक्षणीक परिस्थिती

गोंयचेर पुर्तुगेजांचें राज्य आशिल्लें आनी ह्याच काळांत भारत स्वतंत्र जाय म्हणसर गोंयच्या पश्चीम, दक्षिण आनी उत्तर ह्या तिनूय शिमेक ब्रिटिश भारत म्हणजेच आयचो कर्नाटक आनी महाराष्ट्र राज्याचो वाठार तातूंत आसपावतालो. हो सगळो वाठार ब्रिटिश राजवटीच्या काळांत ब्रिटिश भारतांतल्या मुंबय प्रांतात आस्पावतालो. वेगवेगळ्या कारणाक लागून आनी चड करून नोकरी, काम-धंदो, वेव्हार हे खातीर गोंयच्या लोकांक मुंबयचे आकर्शण आशिल्ले. मुंबय वतलो जाल्यार मराठी भास म्हत्वाची आशिल्ली आनीक मुंबय जर बरी नोकरी मेळयतलो जाल्यार इंग्लीश जाय आशिल्ली. अशे तरेन गोंयच्या हिंदू समानाक मराठीचें आकर्शण निर्माण जालें जाल्यार इंग्लीशीच आकर्शण किरिस्तांवाक जालें आनी ल्हवू ल्हवू हिंदू समाजानय मराठी वांगडाच इंग्लीशय आपणायली.

1857त ब्रिटिश कंपनी सरकाराच्या विरोधांत बंड जालें. कंपनी सरकारा बदला ब्रिटिश संसदेचें सरकार आयलें. भारतीयांक वगी करपाक जे कांय उपाय ब्रिटिश संसदेन घेतले तातूंतलो एक उपाय म्हणल्यार मुंबय, कोलकाता आनी मद्रास अशा तीन विद्यापिठांची स्थापणूक जाली. रेल्वे तर्शेच पोस्ट आनी टेलिग्राफ ह्या खायांची कामां विस्तारपाक लागलीं. रेल्वे खात्यांत व्हड प्रमाणांत नोकर भरती सुरू जाली. हाचो परिणाम म्हणून बेळगांव, हुबळी, धारवाड, मुंबय हांगा नोकऱ्यांची संदी उपलब्ध जाल्यो आनी हातूंतल्यान इंग्लीश शिक्षणाक मागणी आयली.

गोंयांत 1890त पयलें इंग्लीश हायस्कूल, हडफडें (बार्देस) हांगा सुरू जालें. ताचे उपरांत 1961 म्हणजे गोंय मुक्त जाय मेरेन 95 इंग्लीश हायस्कुलां गोंयांत स्थापन जालीं. तरीय भोवसंख्य हिंदू समाज मुळाव्या पांवड्यार मराठी शिक्षण आनी भोवसंख्य ख्रिश्चन समाज मुळाव्या पांवड्यार पुर्तुगेज शिक्षण घेताले. 1951त गोंय मुक्त जालें तेन्ना 176 सरकारी प्राथमीक शाळा (पुर्तुगेज, पुर्तुगेज-मराठी वा पुर्तुगेज-उर्दू) तर 300 खाजगी प्राथमीक शाळा मराठी माध्यमाच्यो आसल्यो.

गोंय मुक्ती उपरांत शिक्षणीक बदल

गोंय मुक्ती उपरांत भारत सरकारान संक्रमणा अवस्थेंत आशिल्ल्या गोंयचे शिक्षणाचेर तर्शेच हेर भारतांत आशिलल्या शिक्षणा कडेन ताका जोडून घेवपा खातीर दिल्ली विद्यापीठाचे तेन्नाचे उपकुलगुरू प्रा. बी.एन. झा हांचे मुखेलपणा खाला एक समिती एप्रील 1952त नेमली आनी रोखडोच जून 1962त तांणी आपलो अहवाल सादर केलो. गोंयचे शालेय शिक्षणाचे बाबतींत प्रा. झा. कमिटीच्यो शिफारसी 25 जून 1962 ह्या दिसा मान्य केल्यो. ह्या. समितीच्या शिफारसींतली म्हत्वाची शिफारस म्हणल्यार प्राथमीक शिक्षणाचें माध्यम मातृभाशा वा आठव्या वळेरींतली खंयचीय एक भास आसची आनी दुसरी शिफारस म्हणल्यार कोंकणी फकत देवनागरींतल्यानच शिकोवची.

मुक्ती उपरांतच्या 1962-63 ह्या पयल्या शिक्षणीक वर्सा 601 शासकीय मराठी मुळाव्यो शाळा स्थापन जाल्यो आनी खाजगी मुळाव्यो शाळांचो आंकडो 300 वयल्यान 272चेर पावलो आनी उपरांत हो आंकडो कमी कमी जायत गेलो तसो शासकीय शाळांचो आंकडो वाडत गेलो. गोंय मुक्ती उपरांत कांय मुळाव्या शाळांतल्या शिक्षकांनी कोंकणींत शिकोवपाचो प्रयत्न केलो पूण तातूंत तांकां येस आयलें ना हाचें मुखेल कारण म्हणल्यार शासनाचे वतीन कोंकणी अभ्यासक्रम, पाठ्यक्रम वा पाठ्यपुस्तकांय केलीं नात.

फुडें आठवी ते धावी ह्या वर्गां खातीर तिसरी भास म्हणून कोंकणी तर इकरावी आनी बारावी ह्या वर्गां खातीर कोंकणी दुसरी नाजाल्यार तिसरी भास म्हणून शिकोपाची मेकळीक विद्यार्थ्यांक मेळली. कांय वर्सां उपरांत पांचवी ते सातवी ह्या वर्गा खातीर कोंकणी तिसरी भास म्हणून शिकपाची मान्यताय मेळली. फुडल्या काळांत गोंय विद्यापिठांत कोंकणी विशय शिकपाक मान्यताय मेळली आनी एक विशय म्हणून पयल्या, दुसऱ्या वर्सा खातीर तर तिसऱ्या वर्सा तीन पेपर वा स पेपर घेवपाची वेवस्थाय जाली आनी फुडें कोंकणीचो आस्पाव पद्व्युत्तर अभ्यासक्रमांतय जालो.

कोंकणी माध्यम भास

गोंयांत शासकी मुळाव्यो शाळा व्हडा प्रमाणांत मराठी माध्यमांतल्यान सुरू जाल्यो. पूण 1981त बाब फ्रान्सिस सार्दिन शिक्षणमंत्री आसतना गोंय सरकारान इंग्लीश मुळाव्यो शाळा सुरू केल्यो. पूण हाचे पयलीं पसून डायोसेशन संस्था आनी हेर मिशनरी संस्थांच्यो इंग्लीश माध्यमाच्यो मुळाव्यो शाळा आशिल्ल्योच. पूण ह्या शाळांक शासकीय अनुदान नाशिल्लें. 14 नोव्हेंबर 1986 ह्या दिसा

सावन गोंय शिक्षण कायदो 1984 आनी गोंय शिक्षण नियमावली 1986 गोंय सरकारान चालीक लायली. शिक्षण कायद्याच्या एका कलमा प्रमाण शिक्षकांक पगार सरकारी शिक्षकांक मेळटा तसो मेळूंक जाय अशी तरतूद आसा. डायोसेशन आनी हेर ख्रिस्ती मिशनरी मुळाव्या शाळांतल्या शिक्षकांनी संघटना बांदली आनी हायकोर्टांत रीट पेटिशन घालें. हायकोर्टान शिक्षकांक सरकारी शिक्षका प्रमाण पगार आनी भत्ते मेळपाक जाय असो निर्णय दिलो.

डायोसेशन आनी हेर ख्रिस्ती मिशनरी संस्था ज्यो खाजगी इंग्लीश माध्यमांतल्यान मुळाव्यो शाळा चलयताल्यो तांणी गोंय सरकाराचेर दबाव घालपाक सुरवात केली. सौ. शशिकलाताई काकोडकार त्या वेळार शिक्षणमंत्री आशिल्ल्यो आनी तांणी तेन्ना पगाराक अनुदान जाय जाल्यार कोंकणी, मराठी वा हेर भारतीय भासांतल्या माध्यमाच्या शाळांकच अनुदान मेळटलें अशी कणखर भुमिका घेतली आनी जून 1991त एके रातींत इंग्लीश मुळाव्यो शाळा अनुदान घेवपा खातीर कोंकणी माध्यमाच्यो जाल्यो. पूण ह्या सगळ्या शाळांनी शास्त्रशुध्द कोंकणी शिकोवपाचो यत्न त्या संस्थांनीय केलो ना आनी सरकारानय केलो ना. तशें पूर्वमुळावें शिक्षण इंग्लीश माध्यमांतल्यानच चालू दवरलें.

इंग्लीशीचो प्रभाव

1991 ते 2011 मेरेन वीस वर्सांच्या काळांत गोंय सरकारान 140 विनाअनुदान इंग्लीश माध्यमाच्या मुळाव्या शाळांक परवानगी दिली. हाचो परिणाम मराठी, कोंकणी आनी हेर भारतीय भासांच्या मुळाव्या शाळांचेर जालो. पोटांत इंग्लीश आनी ओंठार कोंकणीचें सवंग घेतिल्ल्या डायोसेशन आनी हेर ख्रिस्ती मिशनरी संस्थांनी इंग्लीश माध्यमाक अनुदान मेळचे खातीर यत्न सुरू केलो आनी 25 मे 2011 ह्या दिसा गोंय सरकारान इंग्लीश माध्यम मुळाव्या शाळांक अनुदान दिवपाचो निर्णय घेतलो आनी 105 शाळांनी एके रातींत जून 2011 सावन कोंकणी माध्यम बदलून इंग्लीश माध्यम केलें अशे तरेन कोंकणी माध्यम नानपयत करपाचें काम त्यो शिक्षणीक संस्था आनी गोंय सरकारान केलें.

कोंकणी शिक्षणाची दिशा

वयल्या सगळ्या घडणुकांतल्यान आयज कोंकणी शिक्षणाची दशा कशी जाल्या हें कळटा. लोक फकत नोकरी आनी पोट भरपाचोच विचार जेन्ना करतात तेन्ना कोंकणी शिक्षणाक दिशा कशी उरतली? मुळाव्या पांवड्यार जांणी कोंकणी माध्यमांतल्यान शिक्षण घेतलें तार्चे कांयच लुकसाण जालें ना हाचे उरफाटें इंग्लीश माध्यमांतल्यान मुळावें शिक्षण घेतिल्लें भुरगें फुडें शाळेंतल्यान गळपाक लागले हेंय एक सत आसा. हालींच सरकारान इंग्लीश माध्यमाच्या मुळाव्या शाळांक अनुदान दिवपाच्या धोरणांत बदल करून अल्पसंख्यांकांच्या संस्थांच्या शाळांक अनुदान दिवपाचो निर्णय घेवन आनीकय भिरांकूळ स्थिती निर्माण केल्या. ज्या ज्या सुवातांचेर अल्पसंख्यांकाच्यो अनुदानीत इंग्लीश माध्यमांच्यो मुळाव्यो शाळा आसतल्यो थंयच्यो हेर संस्थांनी चलयिल्ल्यो कोंकणी आनी मुळाव्यो शाळा ते प्रमाण शासकीय मराठी मुळाव्यो शाळाय फुडल्या पांच-धा वर्सांत बंद पडटल्यो.

कोंकणी भास माध्यम तशेंच कोंकणी एक विशय म्हणून दिशा दिवपा खातीर कांय यत्न करूंक जाय आनी तांची वळेरी सकयल दिल्या:

1. कोंकणी परिशद आनी कोंकणी सेवा केंद्र हांच्या जोडपालवान गांवागांवांनी मायभाशेंतल्या शिक्षणाचें म्हत्व जागोवपी परिसंवाद घडोवंक जाय.

2. ज्या मुळाव्या शाळांनी कोंकणी माध्यम आसा वा जंय कोंकणी एक विशय म्हणून शिकयतात थंय कोंकणी भाशेचे कुशळटायेचेर आदारीत शास्त्रशुध्द शिक्षण दिवपाक जाय.

3. कोंकणी शिक्षकांक कोंकणीचें शास्त्रशुध्द शिक्षण मेळपा खातीर कार्यशाळा घडोवंक जाय.

4. कोंकणी साहित्य शाळांनी पावोवपाचो यत्न शासन, कोंकणी अकादेमी आनी हेर संस्थांनी करूंक जाय.

5. कोंकणींत व्हडा प्रमाणांत बालसाहित्य आधुनीक पद्दतीन हाडपाक जाय आनी हें बालसाहित्य शाळांनी पावपाक जाय आनी भुरग्यांक वाचूंक मेळूंक जाय.

6. कोंकणी परिशद आनी हेर कोंकणी संस्थांनी तरणाट्यांचो आसपाव व्हड प्रमाणांत जावंक जाय.

7. सरकारी नोकरी मेळपा खातीर उमेदवारांक मुळावें शिक्षण कोंकणी माध्यमांतल्यान जावपाक जाय अशी अट घालपाचेर विचार जावंक जाय.

❑❑❑

टीप: ह्या लेखांत कांय इतिहासीक चुको आसपाची शक्यताय आसात. वाचप्यांनी त्यो नदरेक हाडून दिवच्यो.

कोंकणी शिक्षण: दिशा आनी दशा

कमलाकर दत्ताराम म्हाळशी

नमस्कार

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या 29व्या अधिवेशनाचे भोवमानेस्त अध्यक्ष कथाकार श्री. गोकुळदास प्रभू, 28व्या अधिवेशनाचे अध्यक्ष श्री. अरविंदबाब भाटीकार, परिशदेचे सगळे पदाधिकारी, भास, साहित्य, संस्कृतीच्या संस्थांचे पादाधिकारी, 'कोंकणी शिक्षण: दिशा आनी दशा' परिसंवादाचे अध्यक्ष नामनेचे शिक्षणतज्ञ श्री. पांडुरंग नाडकर्णी, परिसंवादांत वांटेकार जाल्ले मानेस्त डॉ. कस्तुरी मोहन पै. श्री. पव्यनूर रमेश पै, श्रीमती विनंतीबाय कांसार, सगळे साहित्यीक, भास-साहित्य-संस्कृती मोगी प्रतिनिधी, प्रसारमाध्यमांचें प्रतिनिधी, नमस्कार.

'कोंकणी शिक्षण: दिशा आनी दशा' हो विशय परिसंवादा खातीर वेंचून काडटना कोंकणी शिक्षणाची आयची स्थिती आनी कोंकणी शिक्षणाची आयची दिशा कशी किर्ते आसा वा आसूंक जाय हाची चर्चा आनी निश्कर्श कोंकणी परिशदेच्या पदाधिकाऱ्यांक आनी आयोजकांक अपेक्षीत आसा अशें हांव धरून चलतां. 'दशा' ह्या उतराक लागून आमचे मुखार एक व्हडलें प्रस्नचिन्न उबें रावलें तरी कोंकणीच्या शिक्षणीक मळा वयल्यो कांय बऱ्यो गजाली, कांय हयकारी घटना आमकां उर्बा-उमेद दिवपी अश्योच आसात. देखीक, गोंयांत कोंकणी शिक्षणाचो विशय आमच्या म्हालगड्यांचे अर्थांत त्या वेळा वयल्या भौ. शणै गोंयबाबांच्या उमेदीच्या गड्यांचे तकलेंत आयलो, तेन्ना कोंकणीचे त्या वेळा वयले शिक्षक (आतांचे ज्येश्ठ व्याकरणकार) प्रा. सुरेशबाब बोरकार हांणी पाठ्यपुस्तकांचें हातबरप तयार करून घेवन सांखळी आदीं वाठारांनी मुळाव्या पांवड्यार कोंकणी शिकवली. उपरांत नेमान कोंकणी चळवळींत फुडारपण केल्ले ॲड. उदयबाब सांगतात ते प्रमाण कोंकणी भाशा मंडळान ज्येश्ठ प्राध्यापक, लोककवी डॉ. मनोहरराय सरदेसाय, ज्येश्ठ बरोवपी, शिक्षक फेलिक्सबाब कार्दोज आदींचे समिती वरवीं कोंकणी खातीर पाठ्यपुस्तकां तयार करून घेवन ती सरकाराक दिवन कोंकणीचें वातावरण शिक्षणीक मळार रुजवणां घालें. फुडें मागीर ओरिएंट लॉंगमन्सान कोंकणी पाठ्यपुस्तकां तयार करून दिलीं. जाल्यारय त्यावेळार गोंय, दमण आनी दीवचे पयले मुख्यमंत्री भाऊसायब ऊर्फ दयानंद बांदोडकार हांच्या सरकारान गांवागांवांनी सुरू केल्ल्या शेंकड्यांनी मराठी शाळां मुखार कोंकणीच्यो शाळा म्हणटात त्यो हाता बोटार मेजपा सारक्योच. कारण मुळांतूच कोंकणी हो त्या तेंपार हांसपा सारको, बोट दाखोवन बकच्छायो मारपा सारको विशय! जाल्यारूय शणै गोंयबाब आनी आदल्या म्हालगड्यांचे प्रेरणेन गोंय मुक्ती उपरांत आमच्या आयच्या म्हालगड्यांनी कोंकणी 'शिक्षणांत' हाडपाचे यत्न केले. ते खातीर त्या वेळा वयल्या सरकाराची मानसीकता बदलपाचेय यत्न केले आनी तातूंत ते जैतवंत थारले, ही घटना कोंकणी कार्यकर्त्यांक प्रेरणा दिवपा सारकीच.

मात आयज गोंयांत कोंकणी के.जी. ते पी.जी. मेरेन पावल्या अशें म्हणटा आसतनाच कर्नाटकांत हायस्कुलांनी, सेंट ॲलोयसीस सारके कॉलेजींत तशेंच केरळांत कांय मुळाव्या शाळांनी कोंकणी पाविल्ली आसतनाय आमकां 'कोंकणी शिक्षण: दिशा आनी दश' विशया वयलो परिसंवाद घेवचो पडटा तेन्ना कोंकणीच्या शिक्षणा संबंदान आमी आनीक गंभीरपणान विचार करूंक सोदतात असो हाचो अर्थ हांव काडटां. खरें तर आयज कोंकणीक तसो

व्हडलोसो विरोध ना. गोंवांत 'सुनापरान्त' सुरू जालो तेन्ना 'सुनापरान्त' आनी कोंकणी मनशाक दुस्वासान पळोवपी आयज 'सुनापरान्त' वाचतात. एका तेंपार कांय विशिश्ट समाजाचींच (नांवां येवपाचीं जाल्यार सारस्वत, कॅथॉलिक आदीं) आडवाद म्हणल्यार कांय थोडीं दुसऱ्या समाजाचीं भुरगीं कोंकणी शाळांनी शिकतालीं वा शाळा-कॉलेजांनी कोंकणी विशय येतालीं. आयज ती परिस्थिती उरूंक ना. आयज सगळ्या समाजांचीं भुरगीं कोंकणी शाळांनी वतात, कोंकणी शिकतात, कोंकणी वाचतात, कोंकणी बरयतात. जाल्यारूय राजकी सुवार्थाचो विचार करून निर्णय घेवपी राजकारणी कोंकणी आवयभाशेच्या शिक्षणाच्या मळार खवदळ घालपाक लागल्यात ही गंभीर बाब आसा!

आयज 'कोंकणी उलय, कोंकणी बरय, कोंकणींतल्यान सरकार चलय' अशें आमकां ताळो सरांटून सांगचें पडना जालें तरी गोंयच्या सध्याच्या सरकारान विशेश करून गोंय विधानसभेचे भोवमानेस्त सभापती श्री. राजेंद्र आर्लेकार हांणी कोंकणींतल्यन विधानसभा चलोवपाचें गरजेचें पावल मारिल्लें आसलें तरी गोंयचे भौ. मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकार हांणी अर्थसंकल्प कोंकणींतल्यान मांडिल्लो आसलो तरी आनी गोंय सरकाराच्या राजभास संचालनालय ह्या वर्सा राजभास कायदो चालीक लावपा संबंदान राजभास दिसा निमतान 'पयलें राजभास संमेलन' घडोवन हाडिल्लें आसलें तरी आदल्या सरकारान मुळाव्या शाळांतल्या शिक्षणाच्या माध्यमा संबंदान घेतिल्लो इंग्लीश माध्यमाच्या शाळांक अनुदान दिवपाचो निर्णय सध्याच्या सरकारान फुडें चालू दवरपाचो निर्णय येतिल्ल्यान 'कोंकणी उलय, कोंकणी बरय, कोंकणींतल्यान सरकार चलय' हो मंत्र घेवन जिणेचीं कितलीशींच मोलादीक वर्सां कोंकणी खातीर झगडटल्यांचो, झुजतल्यांचो आकांताचो निर्शेणी केल्या! ताका लागून गोंयभर निर्शेणे वांगडाच तिडकीचें ल्हार पातळ्ळां!

कोंकणी लोकसभा आशिल्ल्या, देखूनच कोंकणी राजभास जाल्ल्या आमच्या गोंय राज्यांत कोंकणीक शिक्षणांत विशेश करून मुळाव्या शाळांच्या शिक्षणांत आपली हक्काची सुवात मेळना हें भुरग्यांच्या मुळाव्या हक्काचे आड आसा! एके वटेन केंद्र सरकारान 1 एप्रील 2010 सावन पुराय देशांत भुरग्यांच्या फुकट शिक्षणाच्या हक्काच्या कायद्याची अंमलबजावणी सुरू करप, मात त्याच पक्षाच्या गोंयच्या त्या वेळा वयल्या सरकारान मुळाव्या शाळांचें कोंकणी माध्यम बदलून घेवन त्या ज्याग्यार इंग्लीश माध्यम हाडपाक पोसवण दिवपी इंग्लीश माध्यमांच्या शाळांकूय अनुदान असो घातकी निर्णय घेवप, तोवूय पालकांचे फोर्स-शक्तीक बळी पडून येवप उपरांत त्या निर्णया आड आंदोलनांत देंवपी पक्षाच्या सरकारानूय पर्यून पालकांच्या फोर्साक बळी पडून आनी राजकी सुवार्थाचें गणित नदरे मुखार दवरून मुळाव्या शाळांनी शिक्षणाचें माध्यम इंग्लीश केल्ल्या मूळ निर्णयाचेर शिक्कामोर्तब करप आनी ताचेकूय फुडें वचून 'आमकांय भुरग्यांचें मुळावें शिक्षण आवयभाशेंतल्यानूच जाल्लें जाय' म्हणप हो एक विचित्र विनोद! 'आवयभाशेंतल्यानूच मुळावें शिक्षण' ह्या जागतीक सिद्धांताक बळी दिवन कोंकणीक बाकीच्यो सवलती दिवप हें कसलें गणित?

खरें म्हणल्यार अशा वेळार इंग्लीशीचें पिशें लागिल्ल्या पालकांचें प्रबोधन करपाची सामकी गरज आशिल्ली, अजूनय गरज आसा. सरकार एकाद्री येवजण लोकां मुखार व्हरपा खातीर जे तरेन आपली यंत्रणा वापरता, दुडू खर्च करता, तशी शिक्षणतज्ञांची, शिक्षण संचालनालयाच्या अधिकाऱ्यांची यंत्रणा सरकारान राबोवपाक जाय आशिल्ली, ते खातीर कितलेय कश्ट काडपाची तयारी दवरपाक जाय आशिल्ली, दुडू खर्च करपाची तयारी दवरपाक जाय आशिल्ली आनी माध्यमाचो प्रस्न 'इंग्लीश जाय' म्हणटल्यां मेरेन खेरीत रितीन पावोवपाक जाय आशिल्लो! पालकां मदींच शिक्षणीक मळा वयल्या भास-साहित्य-संस्कृतीक मळा वयल्या कार्यकर्त्यां वरवीं शिक्षणतज्ञां वरवीं हो प्रस्न सुटावो जावपाक जाय आसलो! पूण तशें जालें ना, हें गोंयचें दुर्दैव!!

मात, अशा वेळार आपल्या निर्णयाचेर ठाम रावल्यार केद्याय मोट्या हट्टाचेर कशें नियंत्रण हाडपाक जाता

आनी चुकीचो हट्ट घेवन बसप्यांक कशें कितें बागोवपाक जाता, हें 1980 वर्सा तेन्नाच्या सरकाराचीं शिक्षणमंत्री श्रीमती शशिकलाताई काकोडकार हांणी दाखोवन दिल्लें आसा. ताकाच लागून डायोसेशन सोसायटीन आपल्यो इंग्लीश माध्यमांतल्यो सगळ्यो शाळा कोंकणी माध्यमांत केल्ल्यो आसात. आतां आदल्या इंग्लीश टिचरांकूच त्या शाळांतल्यान कोंकणी शिकोवचें पडिल्ल्यान शिक्षकां मुखार जश्यो भाशीक-शिक्षणीक आडखळी उब्यो रावल्यो तश्योच भुरग्यां मुखारूय उब्यो रावल्योच आसतल्यो! मात, त्या वेळार डायोसेशन सोसायटीच्या पालवान शिक्षण संचालनालयान, राज्य शिक्षण संस्थेन शिक्षकांच्या कोंकणी प्रशिक्षणाची वेवस्था केली आनी त्या वेळार त्या शिक्षकांक प्रशिक्षण दितना म्हाका स्वताक आनी म्हज्या वांगडच्यांकूय आविल्ले अणभव खूबच बरे आशिल्ले. आमी सांगताले ते पद्दतीन डायोसेशन सोसायटीचे ते शिक्षक वर्गांत काम करताले, घरा कडेन काम दिल्यार तेंवूय करून हाडटाले, नवें नवें शिकपाचो यत्न करताले, आमी सांगिल्लीं पुस्तकां विकते घेताले, खूब उमेदीन. जाल्यार मागीर आयज वेगळें कितें जालां? संस्था-चालकांची कोंकणी शिक्षणा संबंदांतली आस्था-उमेद उणी जाल्या काय शिक्षकांची आस्था-उमेद उणी जाल्या? कोंकणी शिकल्यार नोकऱ्यो मेळच्योनात अशें पालकांक दिसपाक लागलां काय भुरग्यांचो फुडार घडयतले जाल्यार तांकां इंग्लिशींतल्यानूच आनी तेंवूय जाल्यार मुळाव्या पांवड्यार सावनूच इंग्लिशींतल्यान शिकोवपाक जाय अशें तांकां दिसपाक लागलां? प्रभाव वातावरणाचो, परिस्थितीचो काय चूक आयजूनय पंचायत पांवड्याचेर परिपतत्रकां, पत्रां, इंग्लिशींतल्यान धाडटल्यो सरकारी संचालनालयांची म्हणल्यारूय राज्याची राजभास कोंकणी आशिल्ल्या गोंय सरकाराची?

खरें म्हणल्यार एका तेंपार कोंकणी शिक्षणाचें तशें कोणाक पडून वचूंक नाशिल्लें! ह्या तेंपार चित्रकला, कार्यानुभव (वर्क एक्पीरिएन्स), शारिरीक शिक्षण हे विशय पिरीयड भरपा खातीर जशे कोणें तरी दुसऱ्या विशयाच्या शिक्षकानूच शिकयल्यार चलताले, तशेंच पिरीयड उणे जातात त्या कोणेंय दुसऱ्या विशयाच्या शिक्षकानूय कोंकणी शिकयल्यार शाळेक चलतालें, पालकांक चलतालें, भुरग्यांक चलतालें! ह्या अशा तेंपार फकांडांनी थोड्या थोड्या जाणांनीच 'कोंकणी'क गंभीरतायेन घेतलां आसतलें, कांय जाणांक तें जमलाय नासतलें, कोंकणी शिक्षणाची 'दशा' अशे तरेन जाल्या आसतली! जाल्यारूय ह्या अशा काळांतूय कोंकणी भाशा मंडळान 'कोंकणी शिक्षक सनद'चे वर्ग दर आयतारा सुरू करून सुरवेक मडगांव, पणजी हांगाच्या केंद्रांनी आनी उपरांत मागणे प्रमाण कांय तालुक्यांनी हे अशे वर्ग घेवन कोंकणी शिकूंक सोदतल्या शिक्षकांक थाकाय दिल्या. कोंकणी शिक्षणाच्या मळा वयल्या अणभवी व्यक्तींक 'निमंत्रक' नेमून आनी भास, साहित्य, संस्कृतीच्या मळा वयल्या अणभवी व्यक्तींक विशिश्ट विशय दिवन कोंकणी शिकोवपी शिक्षकांक कोंकणी संबंदांतले थोडेंभोव गिन्यान आनी थोडेंभोव प्रशिक्षण अशी वेवस्था कोंकणी भाशा मंडळान केल्या. हे प्रक्रियेचो एक घटक हांवूंय आशिल्ल्यान 'ही एक बरी येवजण आशिल्ली आनी कोंकणी शिक्षणा वांगडाच कोंकणी शिक्षकांक बरी दिशा मेळपाक हाचो उपेग जालो.' असो म्हजे सयत कितल्याशाच जाणांचो अणभव आसा. विशेश म्हणल्यार कोंकणी शिक्षक सनद वर्गांतल्या सगळ्या व्याख्यानांचें एक बरें संदर्भ-पुस्तक 'कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय' ह्या नांवान मार्च 2003 वर्सा कोंकणी भाशा मंडळान उजवाडावलां. ह्या संदर्भांतलें प्रा. वसंत लवंदे हांचें गोवा कोंकणी अकादेमीन उजवाडाविल्लें कोंकणी भाशेचें अध्यापन हें पुस्तक लेगीत बरें मार्गदर्शन करपी अशेंच आसा.

मुलाखतीक आविल्ल्या उमेदवारांक गरजेचें अशें कोंकणीचें शिक्षण शाळेंत मेळूंक पाविल्लें नासत जाल्यार तांणी गोवा कोंकणी अकादेमीचें 'कोंकणीचें गिन्यान आसा' म्हणपाचें प्रमाणपत्र हाडचें अशें एक बंधन खूब आदीं सरकारान घाल्लें, ताका घरून गोवा कोंकणी अकादेमी त्या उमेदवारांची लेखी आनी तोंडी परिक्षा घेताली आनी तेन्ना त्या उमेदवाराक दिल्लें प्रमाणपत्र मुलाखती वेळार

उपकारतालें. हेवूय प्रक्रियेचो हांव एक घटक आशिल्लों आनी अणभव बरो आशिल्लो. 'उत्तम' अशें हांव म्हणचों ना। कारण ही उपाययेवजण म्हणल्यार फकत मलमपट्टी. तातूंतल्यान खरें कोंकणी शिक्षण जावनाशिल्लें. मात ह्या अशा उपाय येवजणांतल्यानूच गोवा कोंकणी अकादेमीन हिंदी परिक्षांचे घर्तेचेर कोंकणी प्रमाणपत्र परिक्षा सुरू केल्यो आनी कितलीशींच वर्सां त्यो बेस बरे रितीन चल्ल्यो. गोंयच्या शिक्षण संस्थांच्या पालवान बरे तरेन चल्ल्या! आतां, ह्या प्रमाणपत्र परिक्षां संबंदान आनी कोंकणी डी. एड. सुरू जावना ते मेरेन कोंकणी शिक्षक सनद वर्गा संबंदान आदलो नियाळ मतींत येवन गंभीरपणान विचार करपाक हरकत ना अशें दिसता.

कोंकणी विशया वांगडाच कोंकणी माध्यमांतल्यानूय कांय कुडांनी तरी मुळाव्यो शाळा सुरू जाल्ल्यान, कोंकणी भाशा मंडळाच्या विद्याभुवन कोंकणी शाळेंतल्यान शिकून फुडें जैत जोडपाक पाविल्ल्या भुरग्यांक लागून, कोंकणींतल्यानूय बी.ए., एम.ए. करपाक मेळटा हें पळोवन आनी भोवमानेरस्त भाटीकारबाब आनी परिवाराच्या मॉडेल हायस्कूलांतले इंग्लीश माध्यमाचे मुळावे वर्ग कोंकणींतल्यान सुरू केल्यारूय भुरग्यांची संख्या उणी जायना ह्या चित्राक लागून कोंकणी शिक्षणा संबंदांतलो विस्वास वाडपाक लागला ही जरी एक जमेची बाजू तशीच गोंयच्या तरणाट्यांनी -विद्यार्थ्यांनी माध्यम प्रस्नाच्या संदर्भांत तेन्नाच्या श्री. दिगंबर कामत सरकाराच्या वेळार सुरू केल्ली 'गेट वेल सून' वरवींची चळवळ धरून आतां श्री. मनोहर पर्रीकार सरकाराच्या वेळार सुरू केल्ली गोंय राखण मंचा वरवींची, कोंकणी कृती समिती वरवींची कल्पक, बुदवंत, झुजारी चळवळ हिवूय कोंकणी शिक्षणाक जैता कडेन व्हरपाच्या मार्गांतली जमेची बाजू. खरें तर सध्याच्या सरकाराचेर पुरायेन पातयेवन राविल्ल्या भारतीय भाशा सुरक्षा मंचाक जबरदस्त धक्को दिले उपरांतचे पठारी अवस्थेंत गोंय राखण मंच आनी कोंकणी कृती समितीचे वावुरपी तरणाटे, विद्यार्थी हीच माध्यम प्रस्ना संदर्भांतली खरी शक्त!

जाल्यारूय सरकार बदलूनय 'परिवर्तन' जायना हाचो अणभव आमी येतिल्ल्यान आतां आंदोलन चलयतनाच कालबद्द कार्यक्रमाची येवजण कोंकणी शिक्षणाच्या संदर्भांत आमकां करची पडटली. मडगांवच्या अरिमताय प्रतिश्ठानान अणकाराच्या वावराक उपकारा पडसारकीं 30 लाखांचीं उतरांकोठी (कॉर्पस) तयार केल्ली आसतनाच, गोंय विद्यापीठ आपले प्राध्यापक आनी विद्यार्थी हांचे वरवीं कोंकणी भास तंत्रीक नदरेन संवसारा मुखार व्हरपाचो वावर (व्हिकीपिडिया) करपांत गुल्ल आसतनाच, राजभास संचालनालया वरवीं आमच्या बुदवंतांनी प्रशासकी शब्दकोश घडयला आसतनाच, राजभास संचालनालय सरकारी अधिकारी-कर्मचारी वर्गा खातीर प्रशिक्षण वर्ग येता आसतनाच गोंय सरकाराची शिक्षण प्रणाली फावो ते गतीन चालीक लावपा खातीर आशिल्ली आमची शिक्षण संचालनालयाची प्रणाली आमची गोवा सर्व शिक्षणा अभियानाची प्रणाली, आमची राज्य शिणि, प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेची (एस.सी.ई.आर.टी.) प्रणाली तेचपरी जिल्हो प्रशिक्षण संस्थेची (डीआय.ई.टी.) प्रणाली आमकां कोंकणीचे उदरगतीच्या संदर्भांत गंभीरपणान तपासून पळोवची पडटली! पंचवीस ते तीस वर्सां फाटीं आमी तयार केल्ल्या पाठ्यपुस्तकांक आवजूय नवें रूप दिवपाक कोण खंय उणे पडल्यात. शाळांक कोंकणी विशयाचे शिक्षक कित्याक मेळनात, आवजूय शिक्षणीक मळार कोंकणी शिक्षकांक मार्गदर्शन करपा सारकें कितले अधिकारी आमचे मदीं आसात हाचोय सोद गंभीरपणान येवचो पडटलो. हे खातीर, आमकां सगळ्यांक आनपी परिशदेकय हालींच, गोवा कोंकणी अकादेमीन राजभास संचालनालयाच्या पालवान घडोवन हाडिल्ल्या पयल्या कोंकणी शिक्षक संमेलनांतल्या म्हत्वाच्या आनी गरजेच्या धारावांचे कार्यवाही संबंदान गंभीरपणान विचार आनी कृती करची पडटली. तशें घडूं आनी कोंकणी शिक्षकणाक उजू दिशा मेळूं, जय हिंद!

जय कोंकणी। जय कोंकणाम्बा!

❑❑❑

कोंकणी शिक्षण: दिशा काय दशा

विनंती कांसार

कोंकणीचे म्हापुरूश भौ. शणै गोंयबाब आनी भौ. माधव मंजूनाथ शानभाग हांकां भद्रगिरी अच्यूतदास वेदिके वयल्यान नमन करतां आनी परिशदेक हाजीर आशिल्ल्यांक नमस्कार करतां.

मधूर म्होंवाळ कोंकणी भास ही गोंय राज्याची राजभास. गोंयच्या संघटीत जिविताचो स्वास आनी उस्वास! भारत सरकारच्या राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरणाक धरून प्रादेशीक भाशांचो आसपाव शिक्षणक्रमांत आसप हें सभावीक. 1962-63 वर्साच्या अदमासाक गोंयांत कोंकणी शिक्षणाक आरंभ जालो. हो आरंभ सोंपेपणान जालो ना. विरोधाची, वादाची आनी भाशेक कमी लेखपाची नदर ह्या आरंभाक आसली. कोंकणी भाशेच्या आदारार गोंयकार ओपिनियन पोल जिखले. पूण शिक्षणीक मळार कोंकणी भाशे कडेन फावो तें लक्ष दिवपाक तेन्नाचें सरकार विसरलें. कोंकणी भाशा मंडळाचे थापणुके उपरांत कोंकणी शिक्षणाक नवसंजीवनी दिवपाच्या हेतान आनी शासनाच्या आदाराक रावनासतना कोंकणी माध्यमाच्या मुळाव्या शाळां खातीर पाठ्यपुस्तकां तयार करपाचो वावर कोंकणी भाशा मंडळान हातांत घेतलो. कोंकणी मायेचे ओडीन प्रशिक्षण नासतना लेगीत भाशेचे स्वाभिमानी गोंयकार कोंकणी शिक्षक म्हणून निसुवार्थीपणान मुखार आयले. कोंकणी विद्यार्थी पुंजावले.

काळ फुडें वचत रावलो. कोंकणी खातीरच्या चळवळींक वेग आयलो. सरकारा कडेन फाटपुरवण जातकच राज्य शिक्षण शास्त्र संस्थेन पाठ्यपुस्तक निर्मितीचो वावर हातांत घेतलो. कोंकणी शिकपी विद्यार्थ्यांची संख्या वाडली. कोंकणी माध्यमाच्या मुळाव्या शाळांचो आंकडो वाडलो. देवनागरी कोंकणींतलीं पाठ्यपुस्तकां तयार जालीं.

आयचे घटकेक गोंयचे शिक्षण पद्दतींत आंगणवाडी आनी बालवाडींतल्यान कंवळ्या बालमनाचेर कोंकणी भासूच शिक्षणाची 'श्री गणेशा' करता आनी हेंच कोंकणीचें मुळावण ताका ताच्या फुडाराच्या शिक्षणाचें महाद्वार उगहून दिता. ताचें व्यक्तीमत्व घडवता. तरी लेगीत गोंयच्या शिक्षणीक मळार कोंकणी शिक्षणाचो फुडो खंयचे दिकेक आसा हाचो परामर्श घेवचोच पडटा.

प्राथमीक पांवड्याचेर सरकारी तशेंच सरकार अनदानीत आनी विना अनुदानीत कोंकणी शाळा चलतात. मायभाशेंतल्यान मुळावें शिक्षण हो संवसारीक सिद्धांत गोंयच्या राजकारण्यांनी पावणेर काडला. माध्यमीक पांवड्याचेर कोंकणी विशय (तिसरी भास) वा हिंदी-कोंकणी संयुक्त भास म्हूण ऐच्छीक जाल्लो पळोवंक मेळटा. उच्च माध्यमीक पड्ड्यार दुसरी भास म्हूण परत द्विभाशा सुत्रा प्रमाण तिका ऐच्छीक सुवात मेळटा. कॉलेज पांवड्यारय ह्याच रुपान ती आसपाविल्ली दिश्टी पडटा. कोंकणीचो खोलायेन अभ्यास करूंक मेळटा तो पद्व्युत्तर पांवड्या वयल्या शिक्षणांत. पूण सक्तीची ना. प्रशिक्षण महाविद्यालयांनी परतून कोंकणी विशय ऐच्छीक जाता. गोंयचे शिक्षण पद्दतींत कोंकणी भाशेची चलिल्ली ही सरवे वयली कसरत पळोवन गोंयच्या कोंकणी शिक्षणाचे बांदावळींची बांदपां निसरगांठींनी बांदल्यात म्हणपाचें दिसून येता.

गोंयांत गोवा बोर्डाचे धावेचे परिक्षेंत अंदूं वट्ट 19965 भुरग्यांतल्या 7422 भुरगीं कोंकणी विशय घेवन बसल्यांत. वर्स 2012त हो आंकडो 5766 आशिल्लो. दोन हजारांची क्रमीक वाड विद्यार्थ्यांचे संख्येंत आसा. बारावेचे परिक्षेंत कोंकणी विशय घेतिल्ल्या विद्यार्थ्यांचो आंकडो आयज आसा 2682. हांगा एक गजाल आडनदर करूंक फावना. आयचे हे विद्यार्थी ते वेळा वयले आशिल्ले जेन्ना सरकार कोंकणी माध्यमाच्याच शाळांक अनुदान दिताले. आयच्या माध्यम बदल अनुदान धोरणा नुसार इंग्लिशीक अनुदान दिवपाचें चालू दवरलें जाल्यार फुडाराक कोंकणी शिकपी इतलोय हो विद्यार्थी मेळचो ना.

धावेचे परिक्षेंतलो स-सात हजार कोंकणी विद्यार्थी बारावेक पावतकच अडेच हजारांचेर कित्याक पावता? नापास जाता वा फुडलें शिक्षण घेनात हो भाग कुशीक काडलो जाल्यार हाचीं कारणां आनीकय आसात. गंभीरतायेन पळोवपाचें कारण म्हणल्यार - उच्च माध्यमीक पांवड्यार सगळ्याच हायर सेकंडरींनी

कोंकणी विशय लाविल्लो आसा अशें ना. ते खातीर कांय हाय सेकंडरींनी प्रवेश घेता थंय कोंकणी विशयाचेर ताका उदक सोडचें पडटा. दुसरें कारण - द्विभाशा सुत्राक लागून पयली भास इंग्लीश आनी दुसरी भास कोंकणी वांगडा हेर भासोय ऐच्छीक आसता. कोंकणी विशयाचे लेक्चरर हंगामी पद्दतीचेर कितल्याश्याच वर्सा सावन शिकवत आसात. कांय हायस्कूल तशेंच उच्च माध्यमीक पांवड्यार लायब्ररेरियन, लेबोरेटरी असिस्टंट कोंकणी भाशेच्या मोगान फुकट कोंकणी शिकोवपाचें काम करता. तांचे हे सेवेक आमचो सलाम। कोंकणींतल्यान पद्व्युत्तर पांवड्याच्यो अभ्यास केल्ल्यांक नोकरेंत राखीव सुवातांची तजवीज कित्याक ना?

कोंकणी शिक्षणा कडेन गोंय सरकार फावो तितलें लक्ष दिना ही बेपर्वाय म्हणूं येता वा सरकाराची अनित्सा म्हणूं येता. पूण गजाल खरी आसा. वत्ता पयली ते सातवी मेरेनचीं पाठ्यपुस्तकां तयार केल्यार लागीं लागीं 18-19 वर्सां जालीं. संवसारभरचे शिक्षण प्रणालींत नवे धर्तीच्या पाठ्यपुस्तकांनी नवे शिक्षणीक उपक्रम, स्वाध्याय, कार्यभार, कृती, संशोधन आनी अनुसंधानाच्यो प्रक्रिया अभ्यासक्रमांनी आसपावल्यात. राष्ट्रीय शिक्षण धोरणा प्रमाण काळानुरुप शिक्षणांत क्रांतीक बदल सुरू जाल्यात. प्रादेशीक शिक्षणय अशाच क्रांतीच्या प्रवाहाचे दिकेन चलप ही आयच्या काळाची व्हडली गरज आसा. कारण गोंयचो आयचो विद्यार्थी सुमारा भायल्या बुद्यांशाचो. अशे धर्तेर तयार जाल्लीं पाठ्यपुस्तकां कोंकणी अभ्यासक्रमांत आविल्लीं ताचे बुद्धीक फावो तशी आसूंक जाय. पूण सरकाराक हाची अजून जाग येना. सीसीई म्हणल्यार सातत्यान मुल्यमापन पद्दत कोंकणी खातीर आंखिल्ली जाय. चुकां विरयत पाठ्यपुस्तकां येवपा खातीर तीं गोंयकार प्रकाशकां कडेन छापूंक दिवंक जाय. पाठ्यपुस्तक समितीचेर कोंकणींतले ज्येश्ठ शिक्षक, जाणकार, लेखक आसूंक जाय. ई-लर्निंगच्यो सुविधा कोंकणी अभ्यासक्रमांत येवपाक जाय. विद्यार्थ्यांक दिल्ल्या टेबलेट्सांनी कोंकणी ना. सरकाराक ह्या कोंकणी भाशेच्या सॉफ्टवॅराचें पडून वचूंक ना.

खूब फावट ज्या शिक्षकांचो तासिका भार (वर्क लोड) कमी पडटा ताका कोंकणी विशय शिकोवपाक दितात. मागीर ताका कोंकणीचें गिन्यान कितलें आसा तें चिंतप कुशीक उरलें. कोंकणी शिक्षकाची सुवात भरपाची सरकारा कडल्यान मान्य करून घेवप पूण नियुक्ती मात भलत्याच विशयाच्या शिक्षकाची करप हेय प्रकार गोंयांतल्या कांय शाळांनी चलतात. कोंकणी विशय खंय सवात मेळटा थंय शिकावंक लावप. वाचपघर, प्रयोगशाळा, व्हरांडो वा स्टोर रूम. पंखो, लायअ आसूं वा नासूं.

शाळा-कॉलेजींतल्यो सगळ्यो संस्कृतीक कार्यावळी जश्यो कोंकणी भाशे बगर जायना तश्यो कोंकणी शिक्षका बगरूय जायना. कोंकणी शिक्षकानय आयज काळा प्रमाण अयवावत जावपाची गरज आसा. गोवा कोंकणी अकादेमीन उजवाडाविल्ले शुध्दलेखनाचे नेम कितले शिक्षक शिकल्यात? सुनापरान्त हें कोंकणी दिसाळें कितले शिक्षक वाचतात. सर्वे क्षण करपा सारकें.

गोंय विधानसभेचें कामकाज कोंकणींतल्यान चालू जालां. इतिहास, भुगोल आनी समाजशास्त्र हे विशय कोंकणींतल्यान शिकूंक मेळटात, पूण सरकार हे विशीं मोनेळ पांगुरता. गोंयचें अदमासपत्रक कोंकणींतल्यान मांडपांत येता. कोंकणी परिभाशीक उतरावळ, तंत्रीक उतरावळ सारकिल्ले प्रकल्प आयज तयसर आसात. कोंकणी विकिपिडियाच्या कामाक सुरवात जाल्या. म्हणटकच विज्ञान, कॉमर्स तशेंच फार्मसी, इंजिनियरिंग, आर्किटॅक्ट, पॉलिटॅक्निक, नर्सिंग, कॅटरिंग, आयटीआय अशा शिक्षण मळांनी कोंकणी विशय सक्तीचो जावंक जाय. यटनेच्या आठव्या परिशिश्टांत कोंकणी आस्पाविल्ल्यान दूरस्थ शिक्षण, मुक्त विद्यापिठांनी कोंकणी विशय लावंक जाय. डी.एड, बी.एड, कोंकणी माध्यमांनी चलूंक जाय. पालक तेन्नाच कोंकणीची शक्त वळखतले.

युवा महोत्सवा सारके बाल महोत्सव यडोवन हाडून कोंकणींतल्यान तरेकवार सर्ती सरकाराच्या आदारान यडून येवपाक जाय. कोंकणी सेवा केंद्रां, कोंकणी भाशा मंडळ, कोंकणी अकादेमी, गांवचे क्लब ह्या संस्थांक सरकारी अनुदान दिवन कोंकणी खातीर वावर करपाक उर्बा मेळूंक जाय. भुरग्यांक कोंकणीची गोडी लागूंक बालगितांच्यो सिडी, पुस्तकां सरकारान पावतीं करूंक जाय.

इतिहासीक अशी पयली कोंकणी शिक्षण परिशद अंदूं यडून आयली. ही परिशद कायमस्वरुपी संस्था जावन कोंकणी शिक्षणाचेर पावला-पावलाक नदर दवरपी संस्था जावंक जाय. इंग्लीश व्हाय मायभास जायफ म्हूण चळवळ चलोवपी गोंय राखण मंचाक आमचें फाटबळ सामकें गरजेचें आसा. मुळाव्या पड्ड्यार कोंकणी विद्यार्थी तयार जालो जाल्यारच फुडाराचो कोंकणी मनीस तयार जातलो. नाजाल्यार कोंकणी संस्कृताय, कोंकणी साहित्य कोण राखतलो तर? अशें केलेंना जाल्यार कोंकणी शिक्षण हीं उतरां काळा भायरीं जातलीं. आमी गंभीरतावेन लक्ष दिवन राष्ट्रीय शिक्षणाच्या प्रवाहांत क्रांतीक बदल आपणायत कोंकणी शिक्षण बळिश्ट करूया. जय कोंकणी, जय गोंय।

❑❑❑

कोंकणी भास आनी संविधानाखाला दिल्ले भाशीक अल्पसंख्यांकाचे हक्क

जी. कृष्ण कुमार
बी.कॉम, एल.एल.एम, वकिल, केरळ उच्च न्यायालय, एर्नाकुलम

संविधानात अल्पसंख्यांक ह्या शब्दाचो अर्थ सांगूंक ना. पूण तशें पळोवंक गेल्यार ताचो अर्थ प्रभाव नाशिल्लो गट जाता. तो संदर्भ दिवपी शब्द आसा आनी बहुसंख्या आशिल्लो फांटो वा गटापरस आंकडो कमी आसता ताचें प्रतिनिधीत्व करता.

गोंवा भायर, कोंकणी उलोवपी लोक तांचे जात वा धर्मातींत धरनासतना भाशीक अल्पसंख्यांक आसात. 1992 वर्सासावन कोंकणीक संविधानाच्या 8व्या परिशिश्टान आस्पावीत केला. कोंकणीक 8व्या परिशिश्टांत आस्पावीत केल्ल्यान ती भारतांतल्या राजभाशे मदलीं एक भास थारता.

आंतरराष्ट्रीय नागरी आनी राजकी हक्कांचेर केल्ल्या कबलातीच्या 27 कलमाखाला अल्पसंख्यांकांक सकयल दिल्ले हक्क दिल्यात. ज्या राज्यांनी अनुवंशीक, धर्मिय वा भाशीक अल्पसंख्याक आसात, ताच्या गटाचे हेर वांगडी समाजांत आसा काय ना आनी तांची संस्कृती पाळूंक, तांचो धर्म पाळपाक वा तांची स्वताची भास वापरूंक त्या समाजाच्या लोकांच्या हक्काक न्हयकार दितले.

संविधानाच्या 30 कलमाखाला भाशीक अल्पसंख्याकाचें हक्क दिल्यात. 30 कलमाखाला धर्मिक आनी भाशीक अल्पसंख्याकांक शिक्षणीक संस्था स्थापन करप, चलोवप आनी वेवस्थापन करपाचो हक्क आसा. सरकाराकडल्यान निधी मेळटना भेदभाव जावचो न्ही म्हूण 30(2) कलम अल्पसंख्याक संस्थांक संरक्षण दिता.

आपली भास, लिपी आनी संस्कृतायेचें संरक्षण आनी प्रसार करपाचो हक्क भाशीक अल्पसंख्याक संस्थांक दिता. हो हक्क तांकां भारतीय संविधानाच्या मुलभूत हक्कावरवी दिला आनी हो हक्क खंयचो कायदो काढून घेवंक शकना. अल्पसंख्याक संस्था विद्यापीठाक संलग्न आसल्या शिवाय 30 (1) कलमाखाला दिल्ल्या हक्काक कांयच अर्थ उरना अशें सर्वोच्च न्यायलयान 1974 वर्सा सेंट झेवियर केशींत थारायल्लें.

संविधानाच्या 350अ कलमाखाला मुळावे शिक्षण मायभाशेंतल्यान जावपाक जाय. कोंकणी भाशीक लोकांकय हे संरक्षण दिला.

भाशीक अल्पसंख्यांका खातीर एक खासा अधिकारी आसपाक जाय अशी सक्ती संविधानाच्या 350ब कलमान घाल्या. भाशीक अल्पसंख्याका आड कसल्याय प्रकारचो भेदभाव जालो जाल्यार ताची म्हायती तांणी दिवपाक जांय अशें संविधानात म्हळां. तो तेविशी राष्ट्रपतींक सांगतलो. उपरांत राष्ट्रपती ताचो अहवाल संसदेच्या दर सभायरांत आनी राज्य सरकारमुखार मांडटलो.

अल्पसंख्यांक संस्था स्थापन करपाच्या हक्काक सकयल दिल्ले हक्क आसतले

1. आपली वेवस्थापकी वा नियामन मंडळ निवडप
2. आपले शिक्षक निवडप
3. आपले मुख्याध्यापक वा प्राचार्य निवडप
4. आपली सुवात आनी मालमत्ता संस्थेच्या बऱ्याखातीर वापरप
5. राज्याच्या कसल्याच प्रकारच्या हस्तक्षेपा बगर आपले वेव्हार सांबाळप

नियमना खातीर सरकाराचो अधिकार

भलायकेच्या सुरक्षेखातीर खबरदारी येतात काय ना, शिक्षकांची क्षमता, शिस्त पाळप, परिस्थिती वा सेवा आदी गजालींचेर सरकारान नियमन लागू करूंक शकता. निधीच्या बाबतींत, निधी ज्या गजालीखातीर दिला त्याच कामाखातीर

ताचो वापर जाता हाची जतनाय येवपाखातीर सरकार नियमन करूंक शकता. पूण ते नियमन वास्तवीकपणान हक्काचो भंग करूंक शकना. नियमन लोकांच्या हिताखातीर जरी आसले तरी ते शिक्षणीक संस्था आशिल्ल्या संस्थेच्या हिता आड आसूंक शकना.

कलम 30 (1) खाला दिल्ले संरक्षणाखातीर पात्र थारता आशिल्ली जर एक संस्था राज्याकडल्यान निधी मागता जाल्यार काय परिस्थितीनी राज्य संस्थेच्या वेवस्थापनाचेर ताबो मेळोवंक शकता वा ती संपादीत करूंक शकता अशी अट राज्य तांचेर घालूंक शकना कारण ती असली अट संस्थेक पुरावपणान नश्ट करूंक शकता.

कलम 30 (1) उखलून धरपा खातीर राज्यान अल्पसंख्यांक संस्थेचेर लागू केल्ले नियमन अ) योग्य आसूंक जाय आनी तशेंच ब) संस्थेच्या शिक्षणीक स्वरूपाचे नियमन करपी आनी संस्थेक अल्पसंख्याक समाज वा हेर व्यक्तीखातीर परिणामकारक शिक्षणीक वाहन घडोवपी यंत्रणा आसूंक जाय.

जर एक संस्था अल्पसंख्यांक समाजान हाडल्या आसत जाल्यार निधी एकलो व्यक्ती वा समाज पुरवता, वा संस्थेचो समाजा भायले लोकय फायदो घेतात ह्या गजालींक कायच म्हत्व ना.

संविधानात अल्पसंख्याक ह्या शब्दाची व्याख्या दिवंक ना. ह्या शब्दाचो अर्थ पळोवंक गेल्यार, संबंदीत राज्याच्या लोकसंख्येच्या 50 टक्केपरस कमी आंकडो आशिल्लो गट जाता.

कोंकणी लोकां वरवीं हक्काचो प्रयोग

अल्पसंख्या संस्था घडोवप, वेवस्थापन करप आनी स्थापन करपाचो हक्क कशे तरेन वापरप हे दाखोवपी सगळ्यांत उत्कृश्ट देख म्हळ्यार कर्नाटकातलो मणिपाल गट. धर्मीक वा भाशीक अल्पसंख्यांकाक आपल्या आवडीचे शिक्षण घडोवंक, स्थापन करूंक आनी वेवस्थापन करपाच्या हक्कांत वेवसायीक म्हाविद्यालया घडोवप आनी स्थापन करपाचो हक्काचो आस्पाव आसा अशें सर्वोच्च न्यायालयाच्या संविधानीक खंडपीठान टीएसए पै केशींत थारावल्ले.

केरळांत, आमी टी ही वैजकी म्हाविद्यालय खूब तेपापवली घडवल्ले. पूण दुर्देवान वेवस्थापनाफदल्या वादाक लागून आनी वांगड्यामदी एकचार नाशिल्ल्यान सरकारान ताचो ताबो घेतलो.

ताका लागून शिक्षणीक संस्था घडोवपाच्या हक्काचो प्रयोग करपाखातीर, समाजाचो खंयचोय वांगडी समाजाखातीर संस्था घडोवंक शकता. निधी सफ्नजाच्या भावल्यान मेळटा आसल्यार लेगीत ताचो अल्पसंख्याक हक्क काढून घेवंक शकना.

भास आनी संस्कृती तिगोवन दवरपाखातीर हक्क

गोंय राज्य सोडल्यार कोंकणी ही विशेश भास आसा आनी कोंकणी उलोवपी लोक भाशीक अल्पसंख्याक आसात. ताची स्वताची वेगळी लिपी आसा ती म्हळ्यार देवनागरी. स्वताची विशेश भास, लिपी वा संस्कृती आशिल्ल्या भारत देशाच्या वा हेर खंयच्याय भागांत रावपी नागरीकांच्या खंयच्याय गटाक ती वाटोवपाचो अधिकार आसतलो असो हो हक्क संविधानात दिला.

तशेंच भाशेच्या आदाराचेर खंयच्याच नागरीकाक राज्य सरकार वा राज्य सरकार अनुदानीत शिक्षणीक संस्थेंत प्रवेश दिवंक न्हयकार दिवंक मेळचो ना असो हक्क संविधानात दिला.

भाशीक अल्पसंख्यां खातीर खासा अधिकारी म्हूण खासा अधिकारी आसता. भाशीक अल्पसंख्या आड कसलोय भेदभाव केल्यार, त्या भेदभावाविशी कागाळ आवल्यार, तो ताची चवकशी करतलो. ते एक संविधानीक पद आसा आनी भेदभावा आड कसलीय कागाळ आवल्यार ताचो अहवाल तांणी भारताच्या राष्ट्रपतींक दिवचो पडटलो. भारताचे राष्ट्रपती तो अहवाल संसदेच्या दोनूय सभायरामुखार आनी राज्य सरकारामुखार योग्य कारवाये खातीर दवरतले.

रिट थाकाय

भाशेच्या आदाराचेर भेदभाव वा संविधानाखाला दिल्ले संरक्षणाक न्हयकार दिल्ल्याची कागाळ करपी व्यक्ती कागाळीचे निवारण करपा खातीर उच्च न्यायालयात रिट अर्ज करूंक शकता.

❑❑❑

WITH BEST COMPLIMENTS FROM

M/s Anand Tobacco Company Nipai & Shri Nadadurga Agencies Nipani

Prop: H. Vishnu Kamats

WITH BEST COMPLIMENTS FROM

CANARA
automobiles

QUALITY AND BRANDED LUBRICANTS AND
SPARE PARTS SUPPLIER

Prop: R. Mahesh Shenoy



Damodar Tower, 4503, Nath Pai Chowk, Shivaji Nagar, Nipani 591237

WITH BEST COMPLIMENTS FROM

M/s Jaya Enterprise

TOBACCO MERCHANTS



P.O. Box No. 22,
P.O. Chikhodra 388320
Dist Anand Gujarat

With Best Complimetns From

Shree Navdurga Tobacco Co.

TOBACCO MERCHANTS & COMMISSION AGENTS

P.O. Dashrath 391740
Dist. Baroda (Gujrat)

WITH BEST COMPLIMENTS FROM

Pradeep Vasant Desai

TOBACCO MERCHANTS & COMMISSION AGENTS

1244, Dalal Peta,
Nipani 591237
Prop: Shri Pradeep V. Desai

WITH BEST COMPLIMENTS FROM

SUNRISE
STEEL ENTERPRISES

Dealers in: IRON & STEEL, ENGINEERING MATERIALS,
HARDWARES, INDUSTRIAL, SAFETY EQUIPMENTS, ETC.

Plot No. 20, S. No. 345, 'Shri Ram' Building,
K.L.E. Engg., College Road, Udyambag, Belgaum 590 008
Tel. (O) 2441253 (R) 2485427 Mob. 9448149427
Email: sunrise.steels@yahoo.com

Prop: Kiran A. Pai

With Best Complimetns From

M/s Shivam Tobacco

TOBACCO MERCHANTS & COMMISSION AGENTS

DASHRATH
DIST. VADODARA 391740
PROP: RAKESH M. PATEL

"Goenchem Nav Davrunk Zai."

Thanks to the hospitality we're known for, our land is one of the world's most favourite tourist destinations. No wonder then that tourism makes a substantial contribution to Goa's economy every year.

So let's continue to make tourists feel at home. Because

If Goans won't do it for Goa, who will?

Issued in public interest by **Goa Tourism**

@TourismGoa www.facebook.com/officialgoatourism

अमृत महोत्सवा निमतान

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या

29व्या अधिवेशनाक परबीं

मावजो फोटो स्टुडियो,

मडगांव-गोंय

Wishing The Function Every Success

NEW TAJMAHAL CAFE [PRIVATE] LIMITED

Hampankatta

Mangalore-575 001 [Karnataka]

Boarding Lodging House, Restaurant & Sweet Stall,

Spacious Hall for Marriage, Happy Gatherings.

Ph. 2421751 / 2423195 • E: newtajmahalcafe@yahoo.in

NEW TAJMAHAL CAFE

Hotel Panchamahal Building

Kodialbail, Mangalore-575003

Veg. Restaurant, Sweet Stall

Ph. 2496011, 4269335

आमी हांचे उपकारी आसात

- राजभाशा संचालनालय, गोंय सरकार पणजी गोंय
- लोकमान्य मल्टिपर्पज को. ऑप. सोसायटी लिमिटेड, टिळकवाडी बेळगांव
- श्री. आर. डी. शानभाग, एस. के. ई. चॅरिटेबल फावंडेशन, बेळगांव
- स्टॉल मालक (अधिवेशन थळ)
- न्यू उद्योग भवन-बेळगांव
- मास्कारेन्हस इंडस्ट्रीज-बेळगांव
- जायरातदार
- एम. के. पब्लिसिटी - बेळगांव आनी हुबळी
- श्रीमती मीना पायस
- हॉटेल मालक

कोंकणी पशिदेचें दिवली पेटोवन उक्तावण करतना मुखेल सोवरे आर. व्ही. देशपांडे. कुशीक. अरविंद भाटीकार, अवधूत तिंबलो, गोकुळदास प्रभू आनी हेर मानेस्त.

संगीत नाटक अकादेमी पुरस्कार फावो जाल्ले खातीर पुंडलीक नायक हांचो भोवमान केलो

साहित्य अकादेमीचो बाल साहित्य पुरस्कार फावो जाल्ले खातीर गावा श्रवंकटे, साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फावो जाल्ले खातीर तुकाराम शेट जाली पद्मश्री मंडळाले खातीर गंगाराम हिंदळगेकर केळ नांहिम्म हांचो भोवमान केलो आनि व्हो देणगांहे.

अखिल भारतीय कोंकणी परिषद 2014



मानाचे सोवरे अध्यक्ष तिंबले अखिल भारतीय कोंकणी परिषदेच्या उपक्रमांना सुवाळ्यांना उलयतांना

आदले अध्यक्ष अरविंद भाटीकार हांची भोवमाना करतना अवधूत तिंबलो कुशीक देर मानेस्त

पुस्तक प्रकाशन

सरकारंतली सुनिता गुरुदास कार्णेकार उलयतना

सांस्कृतीक कार्यावळीचीं खिणचित्रां

सांस्कृतीक कार्यावळीचीं खिणचित्रां



अमृत कांसार

गुरूदत्त बंटवालकर

चेतन आचार्य

ऋषिकेश कदम

ॲड. बॅर्नाड सौज

बसवराज जगजंपी

फारूख हन्नन

पांडुरंग नाडकर्णी

पट्यन्नूर रमेश पै

कमलाकर म्हाळशी

विनंती कांसार


पुंडलीक नायक

एन शिवदास

उषा राणे, सी. एन. शणै, पॉल मोरास, हरिशचंद्र नागवेंकार, आर. एस. भास्कर

सुरेश तिळवे, [illegible] प्रसाद मांडवी, अमृत नायक

गोंय विद्यापीठांतले विद्यार्थी

समारोप सुवाळ्याचीं खिणचित्रां

डॉ. मीना चंदावरकर समारोप सुवाळ्याच्यो मुखेल सोवन्यो आपलें मनोगत उक्तावतना.

व्ही. व्ही. शणै समारोप सुवाळ्याक येवकार दितना.

सदानंद काणेकार

आनंद कामत

जयमाला दणावत

गीता सी. किणी

उदय म्हांबरे

मुकुंद कामत, सचीव-येवकार समिती



भासाभास करतना मीना चंदावरकर, गोकुळदास प्रभू आनी व्ही. व्ही. शेणै

Goa's new Industrial Policies helps your company achieve healthy economic growth, which we believe is in line with the state's growth. If you are an entrepreneur, we can help you reach essential infrastructure, institutional support, monitory resources and deregulation of business environment. So you get an efficient, proactive and transparent administrative framework for your business.

The new Industrial Policy provides the following incentives and subsidies:

Employment Subsidy Scheme

This scheme is designed to encourage sustainable employment of local youth.

Capital Contribution Scheme

This scheme is designed to support local entrepreneurs, promote industrial units and units in the tourism sector

Share Capital to Self Employed / Local Entrepreneurs

This scheme encourages local entrepreneurs to start income generating activities.

Interest Subsidy Scheme

In an effort to boost economic growth in the State, it is proposed to provide subsidy on interest payable

Certification / Patenting Incentive

This scheme is designed to encourage units to obtain Certifications & Accreditations.

Scheme to encourage consumption of Local Raw Materials

The scheme envisages encouraging consumption of raw materials by the industrial units by offering incentives

Incentives for Women

A set of incentives offered to encourage [illegible] opportunities for women entrepreneurs

Export Market Development Scheme

This scheme aims to encourage Goan Industries to improve their export markets

For any details or queries, please contact

GOVERNMENT OF GOA

Department of Industries, Trade and Commerce.

Udyog Bhavan, 1st floor, Panaji, Goa 403001, India.

Ph: 091 832 2222241 / 2242268 / 2226377 | Fax: 091 832 2224116 | www.goaditc.gov.in

WISHING THE FUNCTION
EVERY SUCCESS

M/S ANAND ENTERPRISE

30 NO. BEEDI DISTRIBUTORS
PETLAD GUJRAT

गोवा कोंकणी अकादेमी

(गोंय सरकारान स्थापन केल्ली संस्था)
स्थापना - 1986

अकादेमीचे मुखेल उपक्रम

- व्याकरण, उतरावळी, शब्दकोश उजवाडावप.
- बालसाहित्य प्रकाशन
- पयलो चंवर येवजणे वरवीं लेखकाच्या पयल्या पुस्तकाक अर्थीक पालव
- प्रकाशकांक अर्थीक पालव- साहित्यप्रभ/ प्रतिभा सन्मान येवजण्यो
- कोंकणी नाटक महोत्सवाचें आयोजन
- लोकवेद संकलन आनी प्रकाशन/लोकवेदाच्या वावरा खातीर शिश्यवृत्ती
- हेर भाशेंतल्या वेंचीक पुस्तकांचो कोंकणींत अनुवाद आनी प्रकाशन
- क्लॅरिसा वाझ ई मोरानास (भासशास्त्रीय) संशोधनवृत्ती
- कोंकणी प्रमाणपत्र परिक्षा (प्रारंभ, प्रवेश, परिचय, प्रवीण, पारंगत आनी प्रज्ञा)
- युवा कोंकणी साहित्य संमेलनाचें आयोजन
- हेर लिपयांतल्या कोंकणी साहित्याचें देवनागरींत लिप्यांतर
- साहित्यीक कार्यावळी, परिसंवाद, मेळावे, कार्यशाळा, परिशद हांचें आयोजन
- कोंकणी संस्थां कडेन संपर्क, समन्वय आनी सहकार्य
- नाटक-मांड (नाटकाचीं पुस्तकां प्रकाशन) येवजण
- कोंकणी शिक्षणीक शिश्वृत्ती
- साहित्य-सेवा पुरस्कार
- संगीत कार्यावळ निर्मिती आदार येवजण
- मौलीक आनी संदर्भ ग्रंथांचें कोंकणींत तशेंच इंग्लीश आनी मराठींत प्रकाशन

गोवा कोंकणी अकादेमी

243, पाटो कॉलनी, पणजी, गोंय 403 001
फोन नं. 0832 2437385व87 फॅक्स: 0832 2437920
संकेत थळ: www.goakonkaniakademi.org
ईमेल: konkaniakademi@gmail.com

परिशदेच्या अधिवेशनाक उपाट जैत आंवडेतात

THE BAADSHAH OF RADIALS

OVER FIVE MILLION

JK Truck & Bus Radial Tyres on Indian roads

JKTYRE
TRUCK RADIAL

गोवा कोंकणी अकादेमी

(गोंय सरकारान स्थापन केल्ली संस्था)
स्थापना - 1986

अकादेमीचे मुखेल उपक्रम

- व्याकरण, उतरावळी, शब्दकोश उजवाडावप.
- बालसाहित्य प्रकाशन
- पयलो चंवर येवजणे वरवीं लेखकाच्या पयल्या पुस्तकाक अर्थीक पालव
- प्रकाशकांक अर्थीक पालव- साहित्यप्रभ/ प्रतिभा सन्मान येवजण्यो
- कोंकणी नाटक महोत्सवाचें आयोजन
- लोकवेद संकलन आनी प्रकाशन/लोकवेदाच्या वावरा खातीर शिश्यवृत्ती
- हेर भाशेंतल्या वेंचीक पुस्तकांचो कोंकणींत अनुवाद आनी प्रकाशन
- क्लॅरिसा वाझ ई मोरानास (भासशास्त्रीय) संशोधनवृत्ती
- कोंकणी प्रमाणपत्र परिक्षा (प्रारंभ, प्रवेश, परिचय, प्रवीण, पारंगत आनी प्रज्ञा)
- युवा कोंकणी साहित्य संमेलनाचें आयोजन
- हेर लिपयांतल्या कोंकणी साहित्याचें देवनागरींत लिप्यांतर
- साहित्यीक कार्यावळी, परिसंवाद, मेळावे, कार्यशाळा, परिशद हांचें आयोजन
- कोंकणी संस्थां कडेन संपर्क, समन्वय आनी सहकार्य
- नाटक-मांड (नाटकाचीं पुस्तकां प्रकाशन) येवजण
- कोंकणी शिक्षणीक शिश्वृत्ती
- साहित्य-सेवा पुरस्कार
- संगीत कार्यावळ निर्मिती आदार येवजण
- मौलीक आनी संदर्भ ग्रंथांचें कोंकणींत तशेंच इंग्लीश आनी मराठींत प्रकाशन

गोवा कोंकणी अकादेमी

243, पाटो कॉलनी, पणजी, गोंय 403 001
फोन नं. 0832 2437385व87 फॅक्स: 0832 2437920
संकेत थळ: www.goakonkaniakademi.org
ईमेल: konkaniakademi@gmail.com

परिशदेच्या अधिवेशनाक उपाट जैत आंवडेतात

THE BAADSHAH OF RADIALS

OVER FIVE MILLION

JK Truck & Bus Radial Tyres on Indian roads

JKTYRE
TRUCK RADIAL